मूठभर मळब
अरुणा काकोडकार

अरुण प्रभाकर शेणवी काकोडकार

जल्मः २८ जुलय १९५१

शिक्षणः बी.ए. (ऑनर्स) एल.एल.बी.
भारतीय बीमा संस्थान
(इन्शुरन्स इन्स्टिट्यूट ऑफ इंडियाची फेलोशिप)

वेवसायः सर्वसादारण वीमा (जनरल इन्शुरन्स)
ह्या क्षेत्रांत ४० वर्सांचो अणभव

कोंकणी भाशा मंडळ, गोंयच्या नाटकांच्या
हातबरपांचे सर्तींत १९७८ आनी १९७९ अशीं
सेगीत दोन वर्सां इनामां फावो जालीं.

मूठभर मळब

अरूण काकोडकार

बिम्ब
प्रकाशन

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी ग्रंथालय
MANGALORE

मूठभर मळब

(ललित)

अरूण काकोडकार

Muthbhar Malab

(Literary Essays)

by

Arun Kakodkar

प्रकाशन क्र. ९४

© अरूण काकोडकार

पयली आवृत्ती

मार्च २०१३

छापणावळ

इम्प्रेशन्स - बेळगांव.

अक्षर जुळणी

बिम्ब प्रकाशन

दर्शनी चित्र

गिरीश नंदा बोरकार

प्रकाशक

बिम्ब प्रकाशन

'धर्म-लक्ष्मी', प्रात लारेन्स,

आगशी - गोंय ४०३ २०४

दूरध्वनी : (०८३२) २४३८३५५

मोल : ₹ १२५/-

KONKANI CENTRE LIBRARY MANGALURE

हें पुस्तक गोवा कोंकणी अकादेमीच्या
'पयलो चंवर' आर्थिक पालव येवजणेखाला छापलां.

जिविताच्या राजांगणांत संवसाराचो डाव खेळटना
सदांच म्हाका समजून घेवपी
म्हजी घरकान्न सीमाक
आनी
संस्कार ही जिणेंतली व्हडली शिकवण घेवून
फुडें फुडें वचपी म्हज्यो कर्तुबी धुवो
रिमा आनी रिचा
हांकां ही मायेमोगाची भेट

उपकार...

'सुनापरान्त' दिसाळ्यांत आनी कोंकणी भाशा मंडळाच्या 'कोंकणी' वर्सुकी अंकांत म्हजे निबंद पयलेफावटी उजवाडाक आयले.

हेमा नायक हांणीं वेळांत वेळ काडून प्रस्तावना बरयली.

गोवा कोंकणी अकादेमीन 'पयलो चंवर' हे येवजणेखाला अनुदान दिलें.

बिम्ब प्रकाशनान हें पुस्तक उजवाडायलें.

म्हजे निबंद वाचून बरेचशा वाचप्यांनी वेळचेवेळार फोन करून एस्एम्एस् धाडून म्हाका बरोवपाक उर्बा दिली.

हांव ह्या सगळ्यांचे उपकार मानतां.

– **अरूण काकोडकार**

मनांतलें....

आमचें सदचें आयुश्य जियेतना खूब कितें कितें घडत आसता. आशिकुशीक जें कितें घडटा ताचो परिणाम अचकीत आमचे जिणेचेर जाता. नवें घडटा म्हणून पोरणें आमी विसरनांत. नवें आनी पोरणें हाचो सांगड घेवनच आमी फुडें वतात.

आयुश्य म्हणल्यार एक भोंवडी. हे भोंवडेर कितलेच लोक मेळटात. नव्यो नव्यो वळखी जातात. वळखीचेय कोणूय अचकीत मेळटात. पयलींच्यो यादी जाग्यो जातात. आपुलकेचे धागे ते यादी वांगडा जोडत वतात. नव्यानव्या विचारांचे रंग तातूंत भरसत वतात. काळजाक हात घालपी कितलेच अणभव येतात.

दरेकल्याक येतात त्या अणभवांत वेगळेंपण आसलें तरी त्या अणभवांतल्यान जियेवपाची उत्सुकताय मात एकूच तरेची आसता. एकामेकांलागीं उलयतना, गजाली करतना, भासाभास करतना उलयल्ली कसलीय गजाल, कसलेय प्रसंग, तांच्या तोंडांतल्यान आयिल्लें एकादरें वाक्य मनांत घोळत उरता. तांचे विचार आपशींच मुखार येवन उबे रावतात. मागीर मनाचें दार उगडून तांकां भितर घेतलेबगर रावूं येना.

तेन्ना हातांत लिखणी घेवन बसचेंशें दिसता. एका फाटल्यान एक घडत गेल्ले खीण, प्रसंग घडणुको आपशींच कागदार देंवतात. एक उतरकुवाडें तयार जाता. एकाद्रो लेख एकाद्री कथिका, एकाद्रें कवन जल्माक येता. लेखन ही एकल्यानच एकलेपणांत करपाची करणी. मनांतलीं चिंतनां शब्दाचे चिमटेंत धरपाचो खेळ. हो खेळ खेळटना हांव गुल्ल जातां. जेन्ना जाय तींच उतरां चिमटेंत

येनांत तेन्ना हांव फटवतां, आडखळटां. कामाच्या व्यापांत केन्ना हो खेळ अदूर्यार सोडून वचचें पडटा तेन्ना जीवार येता. मागीर जिद्दीन बसून उतरांलागीं आपालिपा खेळटां. तेन्ना ह्या खेळाचें वेगळेपण म्हाका बांदून दवरता. मनांत उसळटात ते उमाळे जेन्ना कथेचें जावं निबंदाचें रूप घेतात, तो खीण खऱ्यांनीच खोशयेचो आसता. म्हजें बरप कोणाक आवडटलें काय ना हें इल्लें लेगीत चिंती नासतना हांव बरयत रावतां. कारण तो खीण आपणेंच जगपाचो आसता.

अणभवान जीण घडटा. म्हजे निबंद, लेख, कथा ह्या सगळ्या अणभवांचेर बांदिल्ल्यो आसात. नोकरी-वेवसायाच्या निमतान म्हजे वेगळ्या वेगळ्या लोकां वांगडा संबंद आयले. तांची खोस, तांची खंत प्रत्यक्ष अणभवपाक मेळ्ळी. देशांत कांय वाठारांनी भोंवपाची संद मेळ्ळी. अनवळखी लोकांक मेळप, तांचेलागीं उलोवप हें सगळें अप्रुप आसता. तें सगळें हांव बरयतां. जे लोक म्हाका मेळटात, जांचे लागीं म्हजो संबंद येता, ते म्हज्या निबंदाचे विशय आसात.

आपणें बरयल्लें लिखाण दुसऱ्यांनी वाचचें ही बरोवप्याची इत्सा आसता. सुरवेक हो बरोवपाचो खेळ आपले पुरतो आसलो तरी जेन्ना तो वाचप्यां मेरेन पावता तेन्नाच त्या खेळाची खऱ्या अर्थान संपन्नताय जाता. खूबशा वाचप्यांनी वेळचेवेळार म्हाका फोनार जावं एस्‌एम्‌एस् करून स्फूर्त दिली. तातुंतल्यान म्हाका आनीकूय बरोवपाची उर्बा मेळ्ळी.

दरेका लेखाचें एक वेगळेंपण आसता. केन्ना केन्ना हें वेगळेंपण लक्षांत उरना. तीच संवकळीची भास, तेच विचार परतेय येवं येतात. बरोवप्याक हाचें भान दवरून बरोवप गरजेचें आसता. म्हज्या ह्या निबंद झेल्यांतले चडशे लेख ल्हान, आटापशीर आसात. दिसाळ्यांत बरयतना शब्दांचें बंधन बाळगुचें पडटा.

हें सगळें मतींत दवरून थोडेभितर म्हजे विचार, म्हजे अणभव वाचप्यां मेरेन पावोवपाचो हांवें यत्न केला. हो म्हजो यत्न फळादीक जाला अशी आस्त बाळगितां.

- अरूण काकोडकार

ढुकळे हेवन, दुसरी माळी,
ताळगांव बायपास रस्तो,
करंजाळें - गोंय.

मूठभर मळबाचो पोसो जावंचो...

तरातरांच्यो भावना आनी संवेदना... सुख-दुख्ख, राग-तीडक ह्या भावनां वांगडाच उमाळे-तळमळे, हुस्के, चिंता, लक्तुबाय असल्या विविध संवेदनांनी मनशाच्या मनांत आनी अंतस्करणांत सुवात घेतिल्ली आसता. अरूण काकोडकार हाच्या 'मूठभर मळब' लेख संग्रहांत ह्या भावनांचो आनी संवेदनांचो दिश्टावो घडोघडी दिसून येता.

नोकरी वेवसायाच्या निमतान विविध वाठारांत भोवतना लेखकाच्या सहवासांत आयिल्ल्यो व्यक्ती आनी तांचीं व्यक्ती चित्रणां ह्या संग्रहांत सांपडटात. फकत व्यक्तीचित्रणांच न्हय, तर त्या व्यक्ती संदर्भांतल्यान लेखकाच्या मनांत उदेल्ल्यो भावना आनी निर्माण जाल्ले उत्कर्के हातूंत प्रकट जाल्यात. लेखकाची थट्ट प्रवृत्ती आनी मोंशिकतायेची वृत्ती लेखांचे समृध्दतायेंत भर घालता. ताच्या आंगांतले सभावगूण आनी सामाजीक विचारांची बसका लेखांक मेळ्ळ्या, ताका लागून ते वाचनीय तर जाल्यातूच पूण खोलायेन विचार करपाक लावपीय जाल्यात.

जाका समाजकारण, अर्थकारण, राजकारण असल्या गजालींचें गिन्यान आसता तो येदी मळबझेंप घेवपाक शकता. अरूणाक हें शिक्षण आसा म्हणपाचें जाणवता.

आपल्या एका लेखांत लेखक म्हणटा – 'आयुश्यांत जोडपाचें आसता, वगडावपाचें न्हय! रूख चंवरलो तशीं ताचेर शेवणीं येवन बसतात आनी शेवणीं जमलीं तसो रूख सोबून दिसता. पानां गळून रूख बोडको जालो तशीं शेवणीं पयसावतात. सगळे अर्दे वाटेवयले सांगाती.' रूखाचो संदर्भ घेवन लेखकान

मनशाच्या जिवितांतलें वास्तव दाखोवपाचो यत्न केला. एखाद्याचे जिणेंतलो भरभराटीचो काळ आसता तेन्ना सगळे आले-पेले-शेले येवन चिकटतात. पूण ताच्याच पडट्या काळार सांगात दिवपाक कोण नासता अशेंच बी लेखकाक सांगपाचें ना मू? लेखक आमकां चिंतपाक लायता.

कल्पना आनी वास्तव हांचो सांगड घालप हें एक कसबूच. लेखकाक तें जमूंक जाय. अरूणाक तें बेस बरें जमलां. कल्पनेंतले विचार वास्तवीक घडणुकांकडेन जुळटात तेन्ना लेखनाक परिपक्वताय येता. अरूणाक ही कला बेसबरी सादल्या. देखून तागेल्या दरेका लेखांत एखाद्या विचाराची कीट सांपडटा. हे किटीचो चलतना-भोंवताना केन्नाय स्पार्क जावं येता आनी हो स्पार्क समाजाक कितेंतरी बरेंच दितलो हातूंत दुबाव ना.

साहित्य हें मुद्दम आदर्श घडोवपाखातीर निर्माण जाल्लें नासता. नाजाल्यार त्यो नितीकथा वा बोधकथा जातल्यो. पूण भुरगेपणांतसून मनाचेर घडिल्ले संस्कार आनी आंगवळणी पडिल्ल्यो चाल चलणुको आनी मागीर सामाजीक, शिक्षणीक मळार वावुरतना आयिल्ले अणभव हे निर्मणेचे प्रक्रियेंत भर घालतात आनी तेप्रमाण साहित्य निर्मिती जायत रावता. कथा, कविता, कादंबरी, नाटक, लेख हे साहित्याचे विविध प्रकार! अरूणान लेखांचो आदार घेतला आनी ह्या माध्यमावरवीं ताणें आपल्या मनांतले विचार आमचे मुखार दवरल्यात.

अरूणाचे हे लेख ल्हान आनी सुटसुटीत जाल्यात. उतरांचे मर्यादेंत ते आंवळून घेतल्यात अशें दिसना. कित्याक तर लेखांपरस हांव तांकां एक एक विचार अशेंच समजतां. अशें दिसता, लेखक आमकां सांगता, 'ही एक देख आनी हो विचार. फुडलें तुमी चिंतात.' ही तांक हांवें हातूंत पळयली.

लेखक आशावादी आनी संस्कारी हें ताच्या लिखाणांतल्यान दिसून येता. ही एक देख ताचो पुरावो - 'उमेदीची एक गजाल सांगतां, आयज आयुश्याचे तिनसांजेर घरांत आमच्या धादोसकायेचो लामणदिवो पेट्टा. पूत सुनां नातरांनी भरिल्लें आमचें घर. तांचेखातीर जीव वयर सकयल जाता.' हें वाचतना म्हजे सारकीं कितलींशींच जाणां पन्नास वर्सां फाटीं वचून आपल्या त्या

काळांतल्या कुटूंबीक यादींनी शेणलेबगर कशीं रावत? पंदरा-वीस जाणांचें कुटूंब! परिस्थिती कितलीय कठीण आसूं, पूण आयज लेगीत जाय जायशे दिसपी ते उगडास! देखून लेखक म्हणटा, जोडिल्लें नातें तिगोवन दवरप कठीण! नातें तिगोवपाचें आसता, खरें तें!

आपूण जल्माक आयिल्लो तो गांव आनी त्या गांवांतलें भुरगेंपण विसरूं नज. आमच्या भुरगेपणांत आनीक एक गांव आमकां अप्रूप आसतालो आनी तो मामालो गांव. लेखकान एका लेखांत कुडडे गांवाचें वर्णन केलां आनी मागीर बरोच वेळ हांव तातूंत घुस्पून उरलें. ट्रकाचे ट्रक भरून मानकुराद आंब्याची निर्यात, उशेलाचे मळ्यांचे मळे, ऊस मळून केल्ली साखर आनी गोड, काजू, नाल्ल, खोबरेल तेलाचे घाणे, भिण्णां, केंदे पिकावळीचो गांव! तातूंत मूठभर भाटकार आनी पोसोभर मुंडकार! आयज कोणाक सांगल्यार लेगीत खरें दिसचें ना. पूण म्हज्या मामाचो गांव, हांवें दोळ्यांनी पळयला. कल्पनेंतलो निखालस न्हय. हो रसरशीत पिकावळीक येवपी गांव साळावले धरणाखाला बुडयलो. लेखक म्हणटा, 'असोच एक गांव म्हजे यादींतलो. सांगें तालुक्यांतलो कुर्डी गांव. पाचव्याचार शेतांचो, फळाफुलांनी भरिल्लो, नितळ झरे, व्हांवत्या न्हंयांचो! सोमेश्वर देवाची व्हडविकाय केदी! बरेबरे गायक, कलाकार हे भुयेंत जल्मले. म्हान कीर्तीवंत जाले. तांचीं पाळामुळां हेच मातयेंत रिगल्यांत. पस्तिशेक वर्सांआदीं साळावली धरणासकयल बुडिल्लो हो गांव! फाटल्यान उरल्यात त्यो यादी.'

जाणें हें अणभवलां ताच्या दोळ्यांतल्यान घळघळीत दुकां व्हांवपाक जाय. म्हज्या व्हांवलीं!

हे सगळे लेख वाचतकच एक गजाल आमी मान्य करची पडटली, आमकां साहित्यिक म्हण जगपाचें आसल्यार व्यक्तिगत संवसारा भोंवतणी आमी आमची नदर अटूक करून घेना आसतना सैम आनी समाज हांचेर आमची विशाळ नदर भोंवडावची पडटली. चार वण्टीं भितर आनी एसी रुमांनी रावनासतना गांवां गांवांनी वचून निरीक्षण शक्त वाडोवची पडटली. साहित्यीक म्हण आमची लागणूक आसा, जशी गायनाक आनी नाचाक वा हेर कलांनी साधना गरजेची

तशीच ती साहित्याकय गरजेची आसा. आमी लोकांमदीं रावया, सैम अणभवया, त्या लोकांचो मोग करया, तांचें आयकुया आनी आपलेपण निर्मुया, तांकां आमचें सांगुया, एकामेकांचें शिकुया, तें कितें जाणांत थंयच्यान सुरू करुया आनी नवी निर्मणी करुया. आमच्या साहित्यांतल्यान नवो समाज घडटलो. काळाची ती गरज आसा.

हें मळब अनंत आसा. ह्या अंत नाशिल्ल्या मळबाच्या आसमंतांत अरूण काकोडकारान फकत मूठ मारल्या आनी ते मुठींत जें सांपडलां तें घट धरून आमचे मुखार मूठ उक्ती केल्या. आमच्या गिन्यानाची भूक भागोवपाक! अशा आनीक कितल्याश्याचमुठींची गरज आसा. लेखकान हो यत्न चालू दवरचो. ताचे उमेदीक मळब उणें पडूं आनी वाचकांच्या हावेसाकय मळब हुपपाची उमळशीक लागूं. तशेंच जावं....

– हेमा नायक

वळवय – गोंय
८ मार्च २०१३

मांडावळ

१. मूठभर मळब / १
२. एक तुंही धनवान / ३
३. अर्दे वाटे वयले सांगाती / ५
४. मोग आस्सूं दी! / ७
५. कसो समजावं तुका? / ९
६. अनवळख्याचें नातें .... / ११
७. येवकार / १४
८. हाका जिवीत अशें नांव...! / १६
९. जो जें मागता तें ... / १८
१०. देव विस्वाचें कारण / २०
११. लोक कितें म्हणटलो! / २२
१२. रंगसांगाती / २६
१३. परम स्वीण / २८
१४. पयलें पावल / ३०
१५. अनामीक नातें / ३२
१६. तांकां आमचें नमन / ३४
१७. फाटीर ओडचो हात / ३६
१८. माँ, तुजो सलाम...! / ३९
१९. यादीच्या धुक्यांत सोदतां... / ४१
२०. नवी सुरवात / ४३
२१. येदेशा पोशांत... बरेंच कितें! / ४५
२२. परदुख्ख शितळ / ४७
२३. खरें सांगपाचें जाल्यार... / ४९
२४. सगळ्यां परस वेगळीं / ५३
२५. काणी एका उपकाराची / ५५
२६. खंयतरी.... केन्नातरी.... / ५७
२७. चिरो चिरो घडोवचो / ५९
२८. फकत कळवळो नाका! / ६१
२९. जिवांत जीव आसासर... / ६३
३०. कितलें खरें... कितलें फट! / ६८
३१. नवें सपन.... नवी वाट / ७०
३२. जियेवपा खातीर... / ७२
३३. म्हजें कितें चुकलें? / ७४
३४. हो कोण चित्रकार? / ७६
३५. शेणिल्ले दीस / ८१
३६. तुजे विणें / ८३
३७. तिनसांज / ८५
३८. ओड तुज्या सांगाताची / ८७
३९. देव तुज्यांत म्हज्यांत / ८९
४०. फायच्या भांगरा... / ९१

४१. खिणा-खिणाची सांखळी / ९८
४२. मम्मी आयलीच ना / १०१
४३. अर्दें - अपुरतें / १०३
४४. शब्द शब्द पुंजायतना / १०५
४५. मन मेकळें मेकळेंशें / १०७
४६. मंद जालीं पावलां / १०९
४७. साथ सांगात / ११४
४८. असली काणी, राजा राणी / ११६
४९. काळीज जेन्ना भरून व्हांवता / ११८
५०. मळब हांसता निळें / १२०
५१. ते सूर, त्यो यादी / १२२
५२. घर खासगी न्हय मनशाळें आसचें / १२४
५३. एक खाशेली वळख / १२७
५४. पर सुवादीन / १२९
५५. पावला कणकणी / १३१
५६. घडटां घडटां / १३४
५७. कोणाक म्हणूं नाका / १३६
५८. तुमच्या कर्तुबांचो पर मळ पातळचो / १३८
५९. दिश्टांत / १४२
६०. आपल्याच जगात / १४४
६१. म्हजें आयुश्य मेळूं ताका / १४६
६२. सूर आयले जुळून / १४८
६३. सुंदरकाय / १५०
६४. भोग / १५३
६५. आडवाट / १५५
६६. फुलस्टॉप न्हय... एक नवी सुरवात / १५७

मूठभर मळब

एक एक दीस असो येता कितेंच मना सारकें जायना. मागीर कितेंय करपाक उमेद येना. खूब कामां करपाचीं आसतात. पुणून मन पिशार पडिल्ले वरी जाता. कांयच करचें न्हय अशें दिसता.

आमी सदांच्या वेव्हारांत बेत आंखतात. तजवीज करतात. पूण सगळेंच खंय घडून येता? खंय ना खंय कसलीय असुविधाय सामकार येता आनी कामां तडीक वचूंक पावनात. ह्या घडणुकांचो आयुश्यांत एक वेगळोच अर्थ आसा. तो सोदपाक आनी समजुपाक तरी कोणाक वेळ आसा? सगळें मना सारकें जावचेशें दिसता. ना जाल्यार मन खंतभरीत जाता. कुटुंबीक जिणेंत जें सूख आमकां जाय आसता तें कायशें आमच्या यत्नांच्या पेल्यान आसता. सगळ्यांकूच तें फावो जाता अशें न्हय. उंचेलें शिकप, बरी नोकरी-वेवसाय, संपत, सोबीतकाय मना सारको सांगाती, कर्तुबी भुरगीं... सगळें आमकां जाय आसता, पूण आमच्या हातांत थोडेंच आसता! कोणूय म्हणटा तो जेवन खावन सुखी आसा. सुखी आसप म्हणल्यार कसो आसप?

सुखाची व्याख्या मनशा कणकणी बदलता. असो कसलो सिद्धान्त आसा जो सुखाचें वर्णन करूंक शकता? जाणें सगळ्या मळार येस जोडला, जाका कसलीच पिडा ना, कसलेंच 'टेन्शन' ना तो सुखी अशें समजुपाचें? ना... सूख दुडवांचे गिरेस्तकायेंत आनी बरे भलायकेंत मेळटा अशें न्हय. तें वेगळेंच तरेन अणभवता. देखीक, निर्शेणेचे कोडू घोंट एक सारके घेवचे पडले आनी मन

थतरवितर जालें तेन्ना ल्हान सान खोशयेंत मेळिल्लें सूख, कलाकाराक निर्मणेंतल्यान मेळिल्लें सूख, शिक्षकाक विद्यार्थ्यांक फावो जाल्ल्या घसघशीत येसान जाल्लें सूख... ह्या सगळ्या सुखांची तरा खूब वेगळी! ताचे कडेन पळोवपाची नदर वेगळी. ही नदर सुखाभितरल्या गाब्याक सोदीत, ताचो स्पर्श आनी परमळ काळजांत सांठोवन दवरता.

हांव केन्नाय ओणोव घालून म्हज्या मनाचो सोद घेतां. थंय म्हाका एक असंतुश्ट जीव पासयो मारता तो दिश्टी पडटा. तो म्हाका आड्डून विचारता, 'तुवें आयुश्यांत कितें केलें? तुजे बराबरचे व्हडले व्हडले जाले. कोण बिझनेसमॅन, कोण साहित्यकार, कोण विज्ञानीक, जैतिवंत, किर्तीवंत! तुवें कितें केलें? खालें-जेवलो, न्हिदलो उठलो?' हांव ताका थंडपणान जाप दितां, 'हांव आनी म्हजें ल्हानशें जग!' घडिल्लें, घडयिल्लें. घाम गळोवन रगत आटोवन. म्हजे सुपुल्ले धर्तरे वयर म्हजें मूठभर मळब. ह्या मळबांत हांवें अणभवल्यांत संकश्टांचीं काळीं कुपां, येसाचे रंगयाळे इंद्रधोणू, हांसतात, चकतात ते म्हजे तारे, चोंय कडेन फांकिल्लो एकचाराचो पर्जळीत उजवाड, मायेमोगांचें शितळ चान्नें. म्हज्या आयुश्याची तुळा हांव हेरां लागीं कित्याक करूं? जें कितें म्हाका मेळ्ळें, हांवें मेळयलें तें म्हजें.... हें मूठभर मळब!

एक तुंही धनवान

रोहनाचे धुवेच्या पयल्या वाडदिसाक गेल्लों. त्या वेळार थंय एक सोबीत दबाजो जालो. भुग्यांचे कार्यावळी उपरांत जाण्ट्यां खातीर एक सुवाळो जालो. कार्यावळीचो निवेदक थंय जमिल्ल्या जोडप्यांक तरणाटे तशेंच जाण्टे पिरायेच्या धोवा-बायलांक आग्रो करून माचयेर हाडटालो.

दरेका जोडप्यान एकामेकांच्या हातांत हात घालून सात पावलां चलपाचें आशिल्लें. ह्या वेळार पंकज उधास आनी कोरसाचें गीत वाजयिल्लें. 'चाँदी जैसा रंग है तेरा, सोने जैसे बाल... एक तुंही धनवान है गोरी, बाकी सब कंगाल!' संगिताची ती गोड धून आनी संगिताच्या तालार चलताल्लीं वीस-पंचवीस जोडपीं... सुवाळ्याक एक वेगळेंच रूप आयिल्लें. तरणीं तशींच जाण्टीं, नवीं आनी पोरणीं जोडपीं, चाळिशी, पन्नाशी, साठी आनी सत्तरी हुपिल्लीं... संगिताच्या तालार एकमेका वांगडा चलतात, धोलतात असो तो देखाव आनी त्या गितांतले शब्द आनी सूर सुवाळ्याक प्रसन्नताय हाडटाले. 'जिस रास्तेसे तुं गुजरी हो, फुलोंसे भर जाए... जो पत्थर तुं छुलेगी. एक राह बन जाए। घनक-घटा, कलीयाँ और तारे सब है तेरा रूप... गझलें हो या गीत सबमें तेरा रूप ।।'

एका निमित्यान काय जायना, आपापल्या संवसारांत धुस्पून उरिल्लीं जोडपीं चार-चवगां मुखार एकामेकां वांगडा नाचतात, सुरगुट्टात तें पळोवपाक खूब मजा येताली. आतां सगळेच कांय कलाकार जावन उपकरना. ताळयो मारपाक कोणूय तरी जाय... हांव माचये वयलो अळंग सकयल देंवलों आनी मुखार

नाचतल्या दरेकल्याच्या मुखामळा वयले भाव नियाळटना तांच्या मनांत कितें चलता हाचो थाव घेवंक लागलों.

ती म्हणटाली... ‘सप्तपदी चलतां सदांच तुजे वांगडा, शतजल्माचें हे नातें आमचें. आयज कितल्या वर्सांनी म्हजी नाजूक करंगळी.. तुज्या हातांत दितना, काळजांत भोंवता गोड शिरशिरी. जोडलें नातें बांदून जल्माच्यो गांठी, खांद्याक खांदो लावन रचली संवसाराची मठी. पिलांक आतां पाखां फुटलीं, मायेची ऊब तांकां दिली... रगताचें उदक करून जीण तांची घडयली. जिविताच्या राजांगणांत संवसाराचो दाव खेळ्ळीं.. जिणेंत आयलीं मोडां कितलीं, तग धरून रावलीं. खिणांत शिणलीं, खिणांत झगडलीं, राग-फुग विसरून एकठांय जालीं... एकामेकांक सांबाळटना मातशीं कळवळ्ळीं.’

तो म्हणटालो, ‘आयुश्यांतले धडपडींत चुकी केल्यो आसत हजारांनी... मायेमोगान सदांच वावुरलीं. संवसाराच्या पोरसांत आमच्या झर व्हांवता धादोसकायेची. जगांतली सगळ्यांत व्हडली गिरेस्तकाय मेळ्ळी म्हाका तुज्या सांगाताची. आयज ह्या खिणाक हांगा काळजा थावन गायतां... तुझे नजर न लगे किसीकी, तुं जिये हजारों साल... एक तुंही धनवान है गौरी, बाकी सब कंगाल।’

अर्दे वाटे वयले सांगाती

लग्नाच्या रिसेप्शनाक गेल्लों. लोकांचे गर्देंत म्हाका थंय ती दिसली. तिचें मुखामळ म्हाका वळखीचें दिसलें. सट्ट करून तिची नदर म्हजेर पडली. कांय खीण म्हाका ती पळयत रावली. घडये ती म्हाका वळखली जांवये! काळाच्या ओघांत मनशाचें स्वरूप वयले वयर बदलता. ताचें रंगरूप बदलना. उलोवपाची, हांसपाची तरा तशीच उरता. खूब खूब तेंपान हांवें तिका पळयली आनी अचकीत म्हजें भुरगेंपण जागें जालें. आमी वांगडा मेळटालीं, खेळटालीं. मदल्या कितल्याश्याच वर्सांचें अंतर पुशीत, ती म्हजे मुखार उबी आशिल्ली. तिका वचून मेळचें, हडकुचें अशें कितेंशें म्हाका दिसलें. पुणून कितें कोण जाणां मुखार वचपाक म्हाका धुर्वत दिसली. कांय जाणां सरळ वतात, वळख करतात. म्हजे सारको कोणूय लजेन, धुर्वतीन फाटीं सरता आनी इतले लागीं येवून मेळपाची संद चुकयिल्ल्याची दुगदूग सदांच अशी काळजांत उरता.

वर्सां वतात तशीं तना मनाचेर काळान झरके काडिल्ले आसतात. केन्नाय याद आयिल्ल्या खिणाक पोरण्या अणभवांची पोटली म्हऱ्यांत घेवन तातूंतल्या विरविरील्ल्या कपड्या वयल्यान हात ओडचोसो दिसता. आयुश्याचे वाटेर कितलेशेंच इश्ट सांगाती मेळटात... चार पावलां सांगात करतात... सुख - दुखाच्या खिणाचे वांटेकार जातात.... चार रस्ते आयले तशों वाटो बदलतात. तेवटेन गेल्लीं मनशां परत मेळटलीं हाचो भरवंसो नासता. पुणून अचकीत केन्ना मेळटात. इश्टागत आनी सांगाताच्यो निळ्यो-तांबड्यो यादी काळजांत घेवन

भोंवतात पुणून त्यो उक्तावपाचें बळगें, 'स्टेटस' आनी शिश्टाचाराच्या बोटव्यांत धांपून दवरतात. खंती जाल्लें मन मागीर समजायता. विस्कटिल्ल्या वाटांक आनी मोडणाक फावो ती दिका दाखोवं येता. आयुश्यांत जोडपाचें आसता व्हगडावपाचें न्हय! रूख चंवरलो तशीं ताचेर शेंवणी येवन बसतात आनी शेंवणीं जमलीं तसो रूख सोबून दिसता. पानां गळून रूख बोडको जालो तशीं शेंवणी पयसावतात.

सगळे अर्दे वाटेवयले सांगाती ! 'मॅन इज एन आयलॅण्ड.' जाणकारांनी मनशाची तुळा जुंव्या वांगडा केल्या. मनशा भोंवतणी कितलेच लोक आसतात पूण निमाणें तो एकलोच पडटा. रानांतलीं झाडां म्हऱ्या-म्हऱ्यांत तरी लेगीत केन्नाय आयिल्ल्या मोडान, पावसान खंयचोय एकाद्रो रूख, एकाद्रो माडच मोडून पडटा. भोंवतणचीं झाडां तशींच आसतात. ज्येश्ठ कवयित्री शांता शेळके हांणी एका लेखांत बालगंधर्वाच्यो यादी सांगल्यात. पन्नाशेक वर्सां आपल्या लडीक अभिनयान महाराष्ट्राची रंगभूंय गाजयिल्ल्या ह्या म्हान कलाकाराचे आयुश्यांतले निमाणे दीस खूब हालांत गेले. ज्या प्रेक्षकांनी तांचीं नाटकां पळोवपाक उपाट गर्दी केली आनी तांचेर फुलांचो शिंवर केलो, ते तांच्या निमण्या काळांत खंय आशिल्ले असो तांणी प्रस्न केला. आयुश्य हें अशेंच ! जिणेचे निमाणे घटके मेरेन बरे भशेन आसचें ही सगळ्यांची इत्सा आसता. पूण नशिबांतलें कोणाक चुकता?

मोग आसूं दी!

सकाळीं फुडें कोणें दारार मारलें. हांवें दार उगडलें. भायर एक मनीस हातांत फुलांचो तुरो घेवन उबो आशिल्लो. 'हो बुके तुमचे खातीर'. खीणभर हांव बुचकळ्यांत पडलों. 'हाचेर सय करात.' डिलिव्हरी स्लीप फुडें करीत ताणें म्हणलें. स्लिपीचेर नांव बरयल्या फ्लॅटांत रावपी म्हज्या शेजाऱ्याचें आशिल्लें. कोणें सभाग्यान चुकून म्हज्या फ्लॅटाचो नंबर दिल्लो. ताका लागून घोळ जाल्लो.

फुलांचो तुरो-एक भावमानाचें चिन्न! आयुश्यांत भावमानाचे खीण केन्नाय येतात. अचकीत दोळ्यां मुखार येतात. शाळा-कॉलेजींत हट्टें फुडें काडून घेतिल्लीं इनामां, वाडटे पिरायेचेर फावो जाल्ले पुरस्कार, चार-चवगांत सोबयिल्ले जैताचे सुवाळे! केन्ना दिसता मनांत ती भुरगेपणांतली मस्ती, खेळांतलो आपालिपा अजून जितो आसा. पुस्तकांत अळंग धांपून दवरिल्ल्या मोरपिसांवरी त्यो यादी काळजांतल्या धांपण्यांत गच्च गर्विल्ल्यो आसतात. इतलीं वर्सां मेरेन कोण-कोण खंयचे खंयच्या नेमान वाडदिसाक आपुलकेन याद करतात. सणां-परबांक वेळ काडून खोशेन परबीं दितात. मनाक खूब धादोसकाय जाता. ही आपुलकी, ही ओढ आपशींच जायना. तातूंत आयुश्यभरची बांदिलकी आसता. मोगाची व्हड भावना.

'मोग' ह्या उतरांत खूब कितें भरलां. अमेरिकेचो नामनेचो मानसशास्त्रज्ञ डॉ. आल्बर्ट श्वेटझर हांचो 'Art of caring for the people' लेख वाचिल्लो. ते मोगा विशीं बरयतात, मोग हो भव्य दिव्य अलौकीक अशें कांयच न्हय! तो

आपलेंपण, निवासुवार्थीपण हांचे बुन्यादीचेर घट्ट उबो आसता. तातूंत जर-तराची भाशाच नासता. संवसारांत आमी जशे वागतात, वावुरतात, तशेच आमचे उमाळे हेरांविशीं आसतात. आमी हांसले तशे लोक हांसतात. आमी तिडकले तशे लोक तिडकतात. आमी नाचले तसो सगळो संवसार आमच्या वांगडा नाचता. जितले आमी आपलेपणान लोकांचे लागीं-लागीं वतात, तितले आमी चार-चवगांत मानाची सुवात मेळयतात. समाजसुधारक, कलाकार, शास्त्रज्ञ, साहित्यकार हे सगळे आपापल्या मार्गांनी वतात आनी निमाणें एकेच तेंगशेर पावतात. लोक तांचे परस चड तांणी केल्ले सेवेचेर, कलेचेर, सिद्धान्ताचेर, साहित्याचेर मोग करतात.

मोगाच्या उतराची काणी उर्दु शायर जिगर मुरादाबादी हांणीं सोबीत उतरांनी मांडल्या. ‘इस लफजे मुहब्बतका इतना ही फसाना है, सिमटे तो दिले आशिक फैले तो जमाना है।’ मोग आपल्या मनशा पुरतोच उरलो जाल्यार तो शिमीत उरता. ती शीम हुपून जेन्ना तो सगळ्यां मदीं पावता तेन्ना तो संवसारभर पातळटा. सगळ्यां मदीं पावपाक आमचे लागीं ते बुदवंतकायेचें आनी कुशळटायेचें बळगें ना. आमचे लागीं आसा तें सादें सुदें मोग करपाचें बळगें. एकमेकाच्यो नडी-अडचणी समजून घेवपाचें, गरजेक धांवून वचपाचें. निर्शेल्ल्याक उर्बा दिवपाचें. आमीय जिखूंक शकतात गा सिंकदर जावन आख्खो संवसार, मेळोवंक शकतात मानाची सुवात मोगाच्या नेटार !

❀❀❀

कसो समजावं तुका?

हालीं सदांच तो उसरां येता. मध्यान रात मेरेन घरा पावना. तें ताची वाट पळयत बसता. घरांतलीं सदचीं कामां, भुरग्यांचो अभ्यास, ऑफिसांतली शिर्वोंस.. तें सामकें थकून वता. वेळच्या वेळार घरा येवचो म्हणून तें ताका कितलें समजायता. तो सामको कानामनार घेना. मागीर किरिजिलां वाडटात. कोणें तरी शेमण्यांनी म्हणलां, 'पयलीं तो उलयता. ती आयकता. मागीर ती उलयता, तो आयकता. निमाणें दोगांय उलयतात. शेजारी आयकतात.' हांसून व्हरपा सारकें पुणून अर्थपूर्ण अशें!

तांका पळयना फुडें केन्नाय हांव चवदा-पंदरा वर्सां फाटीं वतां... निकतींच तीं लग्न जाल्लीं... तांचे नवलायेचे... ते गुलाबी दीस... सकाळीं फुडें आंगणांत पारजताचो शिंताडो पडचो.. पुजायल्या फुलांच्या परमळान सगळें आंग तरतरून येवचें तशे ते दीस! ल्हान-सान खिणांत मेळटा तें वेगळेंच सूख. हातांत हात घालून भोंवपाची मजा! नव्याच संसारांत मोगाचे उमाळे खर आसतात... मोगाचे बन्यादीचेर दोगांय एकठांय आयिल्लीं आसतात. ताचे उपरांतचो संवसार म्हणल्यार एक वेव्हार. फकत मोगाच्या बळार संवसार जायना. लग्न... एक जापसालदारकी, आयुश्यभराचें बंधन. संवसार उबो करपाक दोगांयचो तितलोच वांटो आसता.

तो आनी ती संवसाराचे दोन घटक. वेगळेंपणान एकमेकाच्या आस्तित्वा बगर रावूंक शकनात. दोगां भितर तात्वीक आनी समाजीक वेगळेंपण आसता.

समाजांत जे तरेन तीं वागतात आनी तातूंतलें मेकळेंपण आनी बंधन अणभवतात तेच तरेन तांचे मदलें दादलेपण आनी बायलपण घडत आसता. पुरूशार्थ हें दादलेपणाचें लक्षण जाल्यार सोंशीकसाण बायलमनशेचो गूण. दादल्याचें जावं बायलेचें कर्तूप तांचे करणेंत आनी विचारांत दिसून येता. सरासरी म्हत्वाचे निर्णय दादल्यांनी घेवप. भायल्या वेव्हारांचेर तांणी लक्ष घालप. घरा भितरल्यो बाबी बायलांनी सांबाळप. समाजीक नदरेन असल्या विचारांक मान्यताय आसा. ताकाच लागून दादलेमनशाक जाय तसो भायर भोंवपाक मेकळीक आसता. ताका वेळाचें बंधन नासता.

घर म्हणल्यार चार वण्टी न्हय. ल्हान-व्हड, बऱ्या-वायट प्रसंगाच्यो खुणो घरभर पातळिल्ल्यो आसतात. संवसार तिगोवन दवरूंक जाय जाल्यार पयलीं घर सांबाळूंक कळपाक जाय. ते खातीर दोगांयनी एकामेकांक समजून घेवंक जाय. आयुश्याचे वाटेर सूख-दुख्खाच्या वतांत-सावळेंत एकमेकाचो सांगात आसूंक जाय. आयुश्याचीं दारां एकामेकांच्या मतां-विचारां खातीर उक्तीं आसूंक जाय. कसल्योय नडी-अडचणी सोंसपा इतली मान तायट आसूंक जाय.

केन्नाय दिसता वचचें आनी ताका समजावचें. पुणून घोव-बायलेच्या झगड्यांत तिसऱ्यान पडचें न्हय. म्हाका खबर आसा तांचें हें शिणप-झगडप चड वेळ उरचें ना. तापप-फुगप सगळें विसरून परत एक जावप... हें तर कुटुंबांत जायत आसता. मोग आनी कर्तव्याच्या धाग्यान गुंथिल्ले घोव-बायलेचें नातें... ताची अखंडताय हीच ताची व्हडविकाय!

अनवळख्याचें नातें वळखींतल्यान

आयुश्याचे भोंवडेर कितलेशेच लोक मेळटात. एकमेकांलागीं संबंद नाशिल्ले एकटांय येतात. जिणेंतलो अर्दोअदीक वेळ अनवळखी मनशांच्या सांगातांत वता. म्हज्यांत बशिल्ली व्यक्ती कोण ती खबर नासता. भोंवडे पुरतो आमचो तांचो सांगात! भोंवडी सोंपली की एकमेकांपसून पयसावतात. अशोच केन्ना वळखी जाल्यो तरी सगळ्योच फुडें वाडत वतात अशेंय न्हय. योगायोगान परतून मेळळीं जाल्यार वळख उरतलीच हाचीय खात्री नासता. पुणून तांतल्या नातूत अनवळखींचीं नातीं जुळटात. परत केन्नाय मेळन अशें दिसता. तांचो लागसार जाय जायसो दिसता. संपर्क वाडटा. इश्टागत वाडटा. एक नवें नातें घडटा. जिणेंत एक वेगळोच अर्थ दिता. आयुश्य जियेवपाचें बळगें दिता.

म्हजे जिणेंत एस. एस. सी जाले उपरांत खऱ्या अर्थान भोंवडी सुरू जाली. फुडलें शिकप घेवपाक चौगुले कॉलेजींत प्रवेश घेवन कुडचडें ते मडगांव अशी सदांची रेल्वे भोंवडी म्हज्या वांट्याक आयली. मिरज सावन येवपी गाडी फांतोडेर कुडचडें स्टेशनार आमकां धरची पडटाली. हे गाडयेंत चडशे मुंबय, पुणें आनी हेर भायल्या शारांतल्यान येवपी भोंवडेकार आसताले. दरेक दिसा तरेकवार लोक पळोवंक मेळटाले. एकदोन प्रसंग उल्लेख करपा सारके आसात.

पयल्या वर्साची ऑक्टोबर म्हयन्यांतली स माही परिक्षा चलताली आनी त्या दिसा आमकां हिंदीचो पेपर आशिल्लो. आमी इश्ट एके कवितेचेर उलयताले. आमच्या डब्यांत उत्तर भारतीय विद्यार्थ्यांचो पंगड आनी वांगडा एक दोन

प्राध्यापक आशिल्ले. तांच्यांतलो वरिश्ट प्राध्यापक आमचें संभाशण गंभीरतायेन आयकता हें आमच्या लक्षांत आयलें. तो आमचे लागीं हिंदींत उलोवंक लागलो आनी प्रभावीत जावन म्हणूंक लागलो ''आजतक हमने गोवा में ज्यादातर अंग्रेजी या पुर्तुगेज पढाया जाता है ऐसा सोचा था। हिंदी सिखना तो बहुत अच्छी बात है।''

कांय वर्सांनी अशेच एक फावट आमी रेल्वेच्या ज्या डब्यांत भितर सरले थंय आमच्या मुखार एक व्यक्ती बशिल्ली. कोणेंतरी म्हणलें, '' तो कवी मंगेश पाडगावकराभशेन दिसता.'' बारीकसाणेन पळयल्यार तसोच सो दिसतालो. गोरो रंग, लेनीन छाप खाड, जाड भिंगाचें वक्ल. आमच्यांतल्या एकल्यान तांकां विचारलें. ''आपण मराठी कवी मंगेश पाडगावकर?'' ते ओठांतल्या ओठांत हांसले आनी तकली हालयली. पंचवीस मिनटांच्या प्रवासांत तांचे लागीं आमच्यो गजाली जाल्यो. आपणाल्या कवितांविशीं तांणी आमकां सांगलें, कांय कडवींय म्हणून दाखयलीं. आज लेगीत तांची 'श्रावणात घन निळा, नीज माझ्या नंदलाला, जाहल्या काही चुका' हे सारकीं पदां आयकलीं कि तो प्रसंग दोळ्यां सामकार येता. फुडें मागीर नोकरी वेवसायाक लागून आनी सुटयेचे भोंवडेर खूब लोकांलागीं संबंद आयलो. पयसुल्ले भोंवडेर गोंयांत केन्नाच मेळुंनाशिल्ले गोंयकार मेळळे. वळखी वाडल्यो. इश्टागत वाडली. घराबो वाडलो.

कोणेतरी म्हणलां, 'इश्टागतीचीं नाती खिणयाळीं आसतात.' भोंवडेर जशीं तरेकवार मोडणार सरळ, वांकडी वळणां येतात तशे जिवितांत हजारांनी इश्ट-सांगाती मेळटात. शाळेंत नव्या वर्गांत नवे इश्ट मेळटात. नोकरी धंद्यांत नव्या नव्या लोकांलागीं संपर्क जाता. वर्सां सरतात तशे सांगाती बदलूंक लागतात. कांय जाण संपर्कांत उरतात, कांय जाणांचो विसर पडटा. खूब फावटीं इत्सा आसून लेगीत संपर्क दवरप कठीण जाता. बसींत, रेल्वेंत भोंवतना जशे दरेका थांब्यार कांय लोक देंवतात, दुसरे लोक चडटात तश्यो पोरण्यो वळखी वाडूंक लागतात. पिराय वाडली तरी आदल्यो यादी ताज्यो उरतात. सांगातान सोबयिल्ले सुवाळे यादींचे गच्च मुठींत दाबून राविल्ले आसतात. सगळ्यांकूच एकमेकांभीतर सुक्ष्म अशें नातें जाणवत आसता आनी तें सारकें कसलें हें कळ्ळेबगर भोवतेक लोकांची जीण फुडें सरकत आसता.

मुळावे शाळेंत सावन मॅट्रीकमेरेन आनी कॉलेजीसावन नोकरी वेवसायमेरेन

म्हाका खूब इश्ट सांगाती मेळ्ळे. कांय वर्सां आदी मुंबयत बदली जावन साडेतीन वर्सां गावपाचो योग आयलो. परकी शार. अनवळखी लोंकामंदीं रावप कठीण दिसतालें! ऑफीसांतल्या लोकांनी, शेजाऱ्या पाजाऱ्यांनी सहकार्य दिलें. ताका लागून पयसुल्लो संवसार अणभवपाची संद मेळ्ळी. संवसाराचो आवाठ विशाळ आसा. संवसार वळखुपाची तांक शिमीत आसता. अनवळख्यांचें गिन्यान वळखींतल्यान जाता. एकसुरे गावून संवसार वळखूंक येना. त्या खातीर समाजांत खांची कोनशांतल्या लोकालागीं पावपाची तांक आनी येवजण आसूंक जाय. म्हाका जयपूर ते नागपूर आनी कुलूमनाली ते कन्याकुमारी मेरेन भोंवपाची संद मेळ्ळी. अनवळखी लोकांक मेळपाची, तांच्या लागीं उलोवपाची संद मेळ्ळी.

जोडिल्लें नातें तिगोवन दवरप कठीण ! कोंब जेन्ना फुलून येता तेन्ना ताचें मारकें गोपण केल्यार तो वाडूंक लागता. त्या रोंपाक उदक सारें घाल्यार तो रूख जावंक पावता. नातें तशें तिगोवपाचें आसता. जिणेंत आमी सगळे एकमेकांलागीं बांदिल्ले आसात. रूख आनी झोपांवरी ! झोपांबगर रूखाक सोब ना. रूख चंवरता, परमळटा झोंपाच्या भागान. संवसारांत एकमेकांक बरें मागून, मायेमोगान रावप हो जिणेचो खरो अर्थ!

येवकार

सदचे भाशेन घडयाळीच्या अलार्मान म्हाका जाग येता. भायर झिळमिळें आसा. पासयेक भायर सरलों तशीं आपशींच पावलां संवयेच्या रस्त्या वटेन घुंवतात. आपापलो झेत सांबाळून उबीं आशिल्लीं ल्हान व्हडलीं घरां... शेकान शेक पातळिल्ल्यो नव्यो पोरण्यो इमारती... फुडें वता तश्यो दिसतात रस्त्याच्या दोशीं वटेन झाडांच्यो सोबीत रांको. सकाळचो उजवाड पातळटा तशी भोंवतड जागी जाल्ली आसता... आयज वर्साचो निमाणो दीस... हेर दिसांवरीच आयचो दीस. सदांच मेळटात तेच लोक. दिसाळीं वांटपी भुरगे, वाटभर पदेरांचो कोरन्याचो आवाज... वॉकिंगाक वचपी... दूद व्हरपाक आयिल्ले कोणय... वळखीचे कोणय हात दाखयतात. सुटी जाल्ल्यान आयज दिसनात तीं शाळेंत वचपी भुरगीं... सकाळ उदेता ताजेंपण घेवन. दरेका दिसाची नवी सुरवात... नवे वेव्हार. विंगड विंगड दिकेन वचपी मनशां. दीस वता... रात येता. उजवाडा उपरांत काळोख... काळखा उपरांत उजवाड. सृश्ट रचप्यान घालून दिल्ले नेम कोणूच बदलूंक शकना... जण एकल्याचो कार्यकाळ थारायिल्ले प्रमाण... मनशां एकठांय येतात. एकमेका वांगडा सुखान रावतात. कांय काळा उपरांत सासणाचीं पयसावतात... कांय नातीं विशिश्ट मोडणार पावले उपरांत विसकळटात. आयुश्यांत हें सगळें घडत आसता. तातूंतल्यान खेद खंत जागे जातात. तरी हें तुटून वचप जिणेचो एक वांटो म्हणून आपणावप आसता.

आयुश्याचे वाटेर चलतना आमकां जाय तो रस्तो खंय मेळटा? आयुश्यच

आमकां ओडीत व्हरता. त्या भ्रमांत कांट्याचें झाड आमकां फुलझाडावरी दिसता. आमी ताका आफडूंक वतात आनी बोटां रक्तबंबाळ करून घेतात. मन मागीर खर्शेता अशें दिसता. आयुश्याचे वाटेर उजवाडाचे कांय कण वांगडा घेवन फुडले भोंवडेर काजुलो जावन वच्चें... खंय ना खंय तरी फुडाराचें इंद्रधोणू सांपडटलें. हे वाटेर कितलेच दोंगर-दर्या आडवे येतात. जिद्दीन फुडें सरचें... मनांत एक आस्त बाळगून... केन्नाय तरी तेंगशेर पावतलों.

वर्सां येतात... वर्सां वतात... एक पिळगी सोंपता... दुसरी पिळगी येता. मनशाची निर्मणी ताच्या यादींच्या रूपान उरता. ताचे फाटल्यान उरता ताची नांव निशाणी... ताच्या आस्तित्वाची गवाय. साहित्यकार, गायक, कलाकार, चित्रकार, खेळगडी. मरण तांकां सगळ्यांक घेवन वता, पुणून तांच्या बरपांक, पदांक, चित्रांक, खेळाच्या विक्रमांक हात लावंक पावना. तांचे आदर्श, तांच्यो प्रेरणा तें ना करूंक पावना. ह्या सगळ्यांनी मरणाचेर जैत जोडलां. सुरेश भटाची कविता म्हाका तांची याद करून दिता... 'आज मी जें गातों तें उद्या गातील सारे! चालु दे वृक्षांत माझ्या वादळाचे येरझारे!'

विचारांचे तंद्रेंत म्हजी पासय सोंपता. फाल्यां सावन नवें कितें तरी करूंक जाय. नवे उमेदीन हांव नव्या वर्साच्या येवकाराचे तयारेक लागतां.

❀❀❀

हाका जिवीत अशें नांव...!

येस-अपेसांचें माप जोखतना, बऱ्या वायट कर्तुपांचो पाडो वाचतना, जिणेंतले जैतिवंत खीण कोरीव फातरावरीं तिगून उरतात. अनगणीत खीण काजुल्यांचें भिरें कशें भूतकाळांतल्या काळखांत लकलकतात... जैताचो आशिर्वाद मागून कार्याक सुरवात करतना, खंयचे वाटेवेल्यान चलचें पडटलें हाचो अदमास नासता. येसाचो कानमंत्र घेवन आटसाटो जाल्लो कुकुलो जैताच्या हावेसान मळबांत झोंपय मारपाचीं सपनां पळयता... तातूंतल्यान एक नेपोलियन घडटा. एक सिकंदर जल्माक येता... सातत्यान जिखत वता... येसाचे खोशयेन, जैताचे नशेंत धुंद जाता... आख्खो संवसार जिखपाचो हावेस... दरेक खीण, कसवटेचो खीण... कितल्योय आडखळी आयल्यो तरी फाटीं सरचों ना. 'do or die' च्या हावेसान निमाणे मेरेन झुंजता... जिखतां जिखतां हारता... वॉटरलूच्या झुजावरी...

हार आनी जैत जिणेंतले दोन वेगळे खीण. तांचें नातें जुळ्ळां एका अनवळखी काळा आनी भुंयेवांगडा... वेळ बदलता तशी एकाद्र्या भोवरूप्यावरी काळ आनी भूंय आपणालीं रूपां बदलतात... खिणाभरांत कायचे काय करून उडयतात... जैताची निसरगांठ तोडून उडयतात... जैतिवंतांक पयस खंय तरी भिरकटावन मारतात. कालच्या पराजिताच्या माथ्यार जैताचो मुकूट चडयतात. मागीर अपमान, दुस्वास, टिका सारके प्रसंग सामकार येतात... अपेसाचे खीण मुखदुर्बळ करतात... खिणयाळ्या जिविताची जाणविकाय करून दितात... तो आडखळटा, आपट्टा, खचता... सगलें सगलें सोंपलें अशें दिसता... पुणून

तातूंतल्यान वाट काडटा. परत नेटान उबो रावपाचो यत्न करता... पराभवांत नव्या जैताची दिका सोदूंक लागता...

संवसारांत जैत आनी हार खिणाखिणांत घडटा... जण एकल्याची जीण एक ल्हान-व्हड झूज-झगडें! धर्तरेर दोनूय पक्षांचें जैत जावूंकच शकना. खेळांत मॅच बादाबाद जाता पूणून जिवितांचे सर्तींत एकल्यान जिखप, दुसऱ्यान हारप हाका पर्याय ना. 'जिवो जीवस्य जीवनम' ह्या सैमाच्या नेमाप्रमाण दरेक प्राणीजात कोणाचें तरी भक्ष्य आसा. हाचो अर्थ ह्या संवसारांत झूज अटळ, हार अटळ आनी मान अपमान लेगीत अटळ ! जैतिवंताक आपूण हारतल्याक दुख्ख दितां हाचें भान आसता पूण ताका उपाय नासता. हारतल्यान खिलाडू वृत्तीन हार आपणावप हातूंत ताचें हीत आसा.

... तार तुटली म्हूण मैफल थोडीच थांबता! धागो तुटलो म्हूण वीणकाराची वीण केन्ना थांबल्या? नवी तार नवो धागो घेवून नवो घडिचार... फुडें चालूच उरता... आनी तें तशेंच चलपाक जाय... हाकाच जिवीत अशें नांव...!

❁❁❁

जो जें मागता तें ...

देवाच्या दर्शनाक ताटकळत उबे राविल्ल्या भक्तांची लांबची लांब रांक... मनांत एक श्रद्धा, उपाट भक्ती, व्हड विस्वास... देव खंयच्याय रूपांत पावतलो ही आस्त... तान लागल्यार उदकाच्या रूपांत, भूक लागल्यार अन्नाच्या रूपांत... वाट चुकल्यार वाटसुऱ्याच्या रूपांत... संवसार बदल्लो, मनशां बदल्लीं... देव बदलूंक ना... देवा वयली श्रद्धा अपरंपार. कितेंय चुकलें, उणें पडलें जाल्यार देव भोगसणी दितलो हो भावार्थ. देवालागीं मागता तें मेळटलें ही अखंड भावना काळजांत...

आयुश्य एक भोंवडी. जल्मासावन सुरू जाल्ली ही भोंवडी कोणाकूच चुकना. जल्म आनी मरण हाचे मदलो काळ थोडोसो चड उणो. ह्या दोन तोंकां भितर जण एकल्याचें आयुश्य आसता गुंथिल्लें. दरेकाचे भोंवडेची काणी वेगळी. आयुश्याचे भोंवडेचे बदल अटळ...

ल्हान सान बदलांनी बदलतात भोंवडेचीं पुराय मोडणां. सुखाचे खीण जाय जायशे दिसतात... संकश्टांनी, संघर्शांनी मनाची शांती इबाडटा. मनासारक्यो घडटात त्यो गजाली सुखदिण्यो... त्यो मेळना जाल्यार मनीस निर्शेता. आपणांचेरूच दुबाव घेवंक लागता... 'आपलें कांय चुकलें ना मूं?' मागीर त्यो चुकी सुदारपाक धडपडटा...

जे जिणेंत कश्ट ना, प्रश्न ना असलें जगप कोणाच्या वांट्याक आसता व्हय? जिणेंत प्रस्न आसतात पुणून केन्नातरी सुट्टात. त्या प्रस्नांचो विसर पडचो अशे खोशेचे खीण येतात. सूख-दुख्खाचे खीण सदांकाळ आपालिपा खेळत आसतात... दुख्ख आसा म्हणून तर सुखाक गोडी. काळखे राती उपरांत उदेता ताजी प्रसन्न सकाळ आनी रात आसता कितली सोबीत! टिपूर चान्नें, मंद मंद

वारें, रातराणीचो परमळ रातीचोच!

ज्ञानेश्वर माऊलीन, पसायदानांत मागलां, 'जो जें वांछिल तो तें लाहो.' संवसाराचे माचयेर रिगतना आपट्यो खाले बगर पांय थिरावनात. जिणेंत फुडें सगपाची मोख बाळगितनां उठाबश्यो काडच्यो पडटात... जिवीत अंकगणिताच्या नेमांत म्हणल्यार (१+१ =२) अशें बसना... अमकें केल्यार तमकेंच मेळटलें अशें मेजूंक जायना. देखून संवसारा वांगडा जुळोवन घेतना कश्ट करीत रावचे पडटा. तेन्नाच ताचें फळ फावो जाता.

'शोर' सिनेमांतल्या एका गिताची याद जाता... 'कुछ पाकर खोना है... कुछ खोकर पाना है.' ह्या सिनेमाचो नायक आयुश्यभर आपल्या मोन्या पुताचीं उतरां आयकूंक आशेता आनी जेन्ना ताचो पूत उलोवंक लागता तेन्ना तें आयकूंक ताचे कान भेड्डे जाल्ले आसतात.

आयुश्य हें अशेंच.... आशेर जियेवपाचें
खंयतरी केन्नातरी... आसपाचें नासपाचें.
सोंसतां सोंसतां... हांसून हांसोवपाचें. हांसतां हांसतां... मदींच वळवळपाचें.

देव विश्वाचें कारण

देवान मनशाक निर्मिला ! शाळा-कॉलेजींनी ह्या विशयाचेर वाद-विवाद सर्त जाता. विशय बरोच वादावादीचो! देवान मनशाक रचला काय मनशान देवाक घडयला? चडशे लोक देवाक मानपी आसले तरी संवसारांत देव ना म्हणपी नास्तिकय आसात.

आस्तिकाचें म्हणणें आसता, सृश्ट देवान निर्माण केल्या. सूर्य-चंद्र, तारे-गिरे, झाडां-पेडां, दर्या-न्हंयो, सुख-दुख्ख, वत-सावळी सगलें सगलें... देवाची निर्मिती!

देवाक मानिनाशिल्ले म्हणटात, देव सर्वशक्तीमान, सर्व गिन्यानी, दयावंत जाल्यार संवसारांत पातकां कित्याक घडटात? अघटीत अशीं अरिश्टां, सांवार कित्याक जातात? पातकी लोकां वांगडा पुण्यवान लोकांकूय पिडा, यातना कित्याक भोगच्यो पडटात?

कांय धर्मशास्त्र्यांनी हें कुवाडें सोडोवपाचो यत्न केला. ते म्हणटात, भोग हे सदांच दुर्दैवी न्हय! ते आमची सोशीकसाण वाडयतात. खेद खंतीचे खोलायेंत आमकां उजवाड दाखयतात. देखून भोग ही ख्यास्त न्हय, तें एक वांगडीपणाचें इनाम! साथ- संगतीन सायास करपाची साधना! पिडा यातना आमकां जिणेचो मध्यबिंदू गांठपाक आनी जिणेच्या उखलाप्प्या पसून पयस वचपाक शिकयतात.

देवाचें अस्तित्व सिध्द करूंक देव मनशांवरी हाडांमांसाचो आसचो हें चिंतप समा न्हय. देव एक भावना, एक भास! तो भायर खंयच नासून, बसला मनशाच्या

काळजांत. तो खंयच्या रूपान केन्ना येता तेंवूय कळना. जेन्ना जेन्ना अघटीत घडटा, अरिश्ट घडटा तेन्ना तो धांवून येता. मनशाच्या भावार्थाच्या मुळांत सद्भावनेचो कोंब फुटटा आनी ताच्या सभावाप्रमाण वाडत वता. ताच्या दरेका सत्कार्यांत परमेश्वराचें अस्तित्व आसता. पिडेस्ताक रगताची गरज पडटा तेन्ना कोणूय रगत दिता. नोकरी जाय आशिल्ल्याक कोणूय तरी नोकरी दिता. पयशांची गरज पडटा तेन्ना कोणूय तरी हात फुडें करता. हीं रूपां आमकां प्रत्यक्ष दिसनांत जालीं तरी तांची जाणविकाय जाता. म्हणूनच संकश्टां वेळार मजत करतल्याक आमी म्हणटात, 'देवाच्या रूपान तूं पावलो म्हाका!'

कवी माडगुळकरांनी म्हणलां, तशें, 'घटा-घटाचे रूप आगळे प्रत्येकाचे दैव वेगळे.' सृश्ट रचणाऱ्यान सैम घडयतना विविध तरांचे घटक निर्माण केले. दरेकाचो आंवाठ वेगळो, आकार वेगळो. बीं जमनींत जळामळा किल्लता. विंगड-विंगड मातयेंत विंगड विंगड फुलझाडां वाडटात. तांचीं रूपां, तांच्यो रूची वेगवेगळ्यो. उशी कांदो गोड, चिंच आंबट, कारातें कोडू आसता तशे मनशाचे गूण अवगूण आगळे वेगळे! जशी करणी तशे भोग. मनशाच्या बऱ्या वायट भोगाक मनीसूच जापमालदार! वेसनाक लागिल्लो मनीस वेसनाचे भकीक पडून सोंपता. सज्जन, विचारवंत म्हान कार्य करता, जो सगल्यांक आवडटा तसो देवाकूय आवडटा.

❀❀❀

लोक कितें म्हणटलो!

एक आटपाट नगर आसलें. थंय एक राजा राज्य करतालो. उदार मनाचो राजा प्रजेक खूब जपतालो. रात दीस प्रजेखातीर वावुरतालो. भेस बदलून भोंवतालो. सगळ्या वाठारांनीं दूत धाडून परिस्थितीचो अदमास घेतालो. लोक कितें उलयतात ताचो नियाळ करून ताचेर उपाय काडटालो...

भुरग्यांचे काणयेंत आटपाट नगराचें अशें वर्णन केल्लें आसता. घडये तेन्ना राजा आनी प्रजेचें नातें वेगळेंच आशिल्लें. राजा स्वता लोकांच्या घराघरांनी वचून तांच्या सुखदुख्खाविशीं जाणवीकाय करून घेतालो. इतिहास हाची पुराय गवाय दिता.

प्रजा म्हणल्यार जनसामान्य लोक. एक आनी अनेक हातूंत जितलो फरक आसा तितलोच एक नागरीक आनी प्रजा हातूंत आसा. मनशाच्यो विंगड विंगड वृत्ती आनी वागणुको, वेगळे विचार, वेगळीं मतां आसतात. पुणून जेन्ना सगळे एकठांय येतात तेन्ना वेगळो घटक घडटा. दरेका मनशाक दुसऱ्यांच्यो व्यथा कळनात देखून हाका, ताची परिस्थिती बरी दिसता. बारकायेन पळयल्यार हाणें ताची सुवात घेतल्यार ताचें सूख दुख्ख हाका समजून येतलें. संवसारांतले लोक म्हणल्यार जण एकल्याचें पडबिंब. मनीस जसो वागता, वावुरता तशेच ताचे उमाळे हेरांविशींय आसतात. हांव हांसलों तशे लोक हांसतात, हांव तिडकलों तशे ते तिडकतात. हांवें तांकां बरो उपदेश केलो की ते फुडले फावटीं म्हजेसरीं येतात. हांव गायतां तशे ते म्हजें गायन आयकूंक आशेतात. हांव नाचलों की

अख्खो संवसार म्हजे वांगडा नाचता, धोलता.

जितलो मनीस लोकांच्या लागीं लागीं वता तितलो तो चारचोवगांत मानाची सुवात मेळयता. लोकांक आपलें करून घेवप हें एक कसब! तिरकस उलोवपी, मिजासी, बढायखोरांक लोक लागीं करिनांत. सरळ साद्या, समजिकायेच्या म्हींवाळ उतरांनी खूब कितें साध्य जाता.

संभाशण हिवूय एक कला! परिक्षेंतले उतरपत्रिकेवरीं जाय थंय जाय तींच उतरां घालून पास जावपाचीं! दोतोरालागीं सट्ट करून वचपाक आमी अनमनतात. चड करून भुगयांक ताची धास्ती आसता. पूण दोतोरांचीं बरीं उतरां पिडिताची अर्दी पिडा ना करता. जाल्यार उरिल्ली अर्दी ताच्या हातगुणान फाटीं सरता. वकिलाची कुशळटाय तर ताच्या उलोवपाचेर आसता. वाद युक्तीवाद मांडपाक तकली लडयतना जिबेची शिटुकसाण केस जैतीवंत करपाक हातभार लायता.

केन्नाय कठीण प्रसंगाक जो लोकांचेर संयम दवरूंक शकता ताचीच कुशळटाय कामाक येता. फ्रेंच क्रांती जेन्ना तेंगशेर आशिल्ली आनी सशक्त पुलीस फौज पॅरिसाच्या रस्त्यांनी तैनात जाल्ली तेन्ना उचंबळीत जाल्ले लोक ते सुवातेर घुरी घालूंक येताले. अशावेळार तांकां पयसावपाची जापसालदारकी सेनामुखेल्यांचेर आयली. जमावामुखार उबो रावन ताणें तांचे लागीं नमळायेन मागलें, 'हांव तुमकां फाटीं सरपाची विनवणी करतां नातर म्हाका तुमचेर फायरिंग करपाचो आदेश दिवचो पडटलो.' आनी किते अजाप एक एक करून सगळे लोक फाटीं सरले.

लोकांची मती, मनोवृत्ती अशी आगळी! वारें येता ते दिकेन सूप धरीत जाल्यार सुपांतले आंशे जशे एकेच वटेन फाफुडटात तशे लोकांमदीं जाणविकाय हाडून तांकां एकठांय करून एक बळिश्ट पंगड घडोवपाक जाता. संवसारांत आयजमेरेन जितल्यो क्रांती, चळवळी घडल्यो तातूंत सामान्य जनतेचो व्हड हात आसा. खंयच्याय देशाचो इतिहास वाचात. दरेक चळवळी फाटल्यान फुडारी आसतात. राजकी वा सामाजीक. हे लोक जागृताय निर्माण करून लोकांचो तेंको मेळयतात. देखीक महात्मा गांधीन भारताच्या स्वातंत्र्याखातीर, नेल्सन मंडेलान दक्षिण आफ्रिकेंत, मार्टीन ल्युथर किंगान अमेरिकेंतल्या कृष्णवर्णीय लोकांक नागरी न्याय दिवपाखातीर, रशियेंत लेनीनान शेतकामत्यांक जुलमी झाराच्या विरोधांत जाल्यार फ्रान्सांत रूसो आनी व्होल्टेरान लुईस राजाच्या जुलमी राजेशायी आड

बंड करून सामान्य लोकांक वांगडा घेवन क्रांती घडयल्यो.

लोकशायेची बुन्याद भोवमताचेर आदारून आसा. 'पांचामुखी परमेश्वर' ह्या उतरांनी लोकवाणीचें वर्णन केलां. लोकमत लोकप्रियचेतेर अवलंबून आसता. लोकप्रियताय चंचळ आसता. वझ्र्यावरीं खिणांत घोग्यांनी व्हांवता जाल्यार खिणांत आटता. जितली कोणाकूय वयर वयर उखलून घेता तितलीच वेळ पडल्यार जमनीर शेंवटून मारता. 'पॅट्रियट' हे इंग्लीश कवितेंत एका देशभक्ताच्या मानसीक अवस्थेचें वर्णन केलां. प्राणाची पर्वा करिनासतना देशाखातीर वावुरलेल्या देशभक्ताक एका गुन्यांवाक लागून फांशीची सजा जाता. गोळाक लावंक व्हरचे आदीं हातापायांक बेडयो घालून रस्त्यावयल्यान ताची धिंड काडटात. आयस पयस रावन लोक ताचेर फातर आनी व्हाणो शेंवटीतात. तेन्ना देशभक्ताक याद जाता, कांय वर्सां आदीं लोकप्रियतेचे तेंगशेर आसतना जेन्ना तो त्या शारांत आयिल्लो तेन्ना लाखांनी लोक ताच्या येवकाराक जमिल्ले. हार तुरे आनी फुलांचो पावस ताचेर शिंवरिल्लो. तांबड्या गालिच्च्यावयल्यान ताची मिरवणूक काडिल्ली. अशावेळार ताणें जर लोकांलागीं मळबांतलो चंद्र मागिल्लो जाल्यार ते हयकार दितले आशिल्ले आनी विचारतले आशिल्ले. 'आनीक कितें जाय?'

मनीस जातीक एक वायट संवय आसा. हेरांकडेन बोट दाखोवपाची वा तांच्यो चुको काडपाक ते सदांच फुडें आसतात. कोणाचीय तोंडभर तोखणाय करपी उणे, दुशण दिवपी सदांच फुडें. असल्या लोकांक भिवन 'आपलें नाशें आनी जगाचें हांशें' येवजून कोणूय बाबडो लोकलजेखातीर तोंड धांपून रावता. पुणून कसलीय गजाल फां फां करपी आपल्या पांयांकडेन कित्याक पळयनांत हें एक कुवाडें!

लोकांच्यो आवडी निवडी बदलपाचें काम प्रसार माध्यमां करतात. रेडियो, टीव्ही, जायरात बाजी, फॅशन हांचो लोकजिणेचेर प्रभाव पडटा. हाचे भायर सेल्समन म्हणल्यार म्हाल विकपी आनी म्हालाचो प्रचार करपी हाचो लोकांलागीं खूब संबंद येता. मनीस एक भावनाशील प्राणी! म्होंवाळ उलोवन लोकांचो विस्वास जोडून आपल्या म्हालाची उपयुक्तताय सिद्ध करून म्हाल कसो खपोवचो हें कसब येसवंत सेल्समनालागीं आसता. अश्याच एका सेल्समनाचें उदाहरण. एके बुटाचे कंपनीन वसाड रानमळांत पांयतणांचो कारखानो उबारपाचो निर्णय घेतलो आनी तेखातीर सेल्स वेवस्थापकाच्या जाग्याखातीर अर्ज मागयले.

मुलाखतीवेळार वसाड जाग्यार कारखानो उबारप उपयुक्त आसा काय ना हाचेर ताका मत दिवंक सांगलें. चडशा उमेदवारांनी विचार मांडले: ह्या वाठारांत सगळे लोक अनवाणी भोंवतात देखून हांगां पांयतणां खपचीं नांत. एक-दोन उमेदवारांनी विचार मांडले : ह्या वाठारांत पांयतणां कोणूच वापरिनांत देखून हांगा ताची ताकतिकेन गरज आसा. हे दोन उमेदवार कंपनीन वेंचून काडले आनी कंपनी फुडें फळादीक जाली हें विशेश!

असो हो भोवरूपी संवसार. हांगां लोक आसात, लोक नायक आसात. कोणेंतरी म्हणलां 'दुनिया झुकती है, झुकानेवाला चाहीए!'

❀❀❀

रंगसांगाती

पयसुल्ले भोंवडेर आसतना एके आर्ट गॅलरीक भेट दिवपाची संद मेळ्ळी. एका नामनेच्या चित्रकाराचीं अप्रूप, उत्कृश्ट अशीं चित्रां प्रदर्शनांत मांडिल्लीं. चिताऱ्यान घडये जिणेंतल्यो सगल्यो कल्पना, सगले विचार, कॅनवासाचेर साकार केल्ले. विंगविंगड रंगांतल्यान आगळे वेगळे देखाव, तरांतरांचीं व्यक्तीचित्रां.... दिगंता वयल्या मळबाचे तरेकवार रंग... तांच्यांत जातात ते बदल... झेलाद हिमालयाच्यो तेंगश्यो... भांगराळ्या सुर्याचें किरण... शितळ चंद्रिमाचो अमुरपिको उजवाड... झाडांच्यो कंवळ्यो पालवी... तांचे वयल्यान उडटात त्या बिरमुट्यांची रंगीबेरंगी नक्षी... विविध तरांचीं पानां, फुलां... दर्याचीं अनेक रूपां... पावसाळ्यांत भिजता तो दर्या... वादळी वाऱ्यान तुफान उसळटा तो रूद्ररूपी दर्या... शियाळ्यांत सांजवेळचो नटून थटून मिरयता तो दर्या.. दनपारचें वत मायेन पोटांत घेता तो दर्या... उदेंतीचो शांत मंद गाज आशिल्लो दर्या... सुकतेर फाटल्यान सरून पोटांतलीं गुढां उक्तायता तो दर्या... भरून येतना उमाळ्यान भान विसरून सरभोंवतण पोटांत घेवपी दर्या...

आमचे जिणेंत रंगांनी हाडल्या एक विशिश्ट सोबा. सैम आनी सैमाचे घडिचार आमचे रंगसांगाती. खऱ्यांनीच, विश्वांतल्यान रंग ना जाले जाल्यार सृश्ट अचेतन जातली. रंग हीच आमची जियेवपाची स्फूर्त आनी रेशा. आमचे जिणेंत करतात वाटसुऱ्यांचें काम. भारतीय संस्कृतायेंत... वेदशास्त्रांत जावं पुराणांत... दरेका युगांत रंगांक आसा खाशेली सुवात. भगवान विष्णूक रंगनाथ, रंगनायक, श्रीरंग

अशा खूबशा नांवांनी पाचारतात. अनेक रंग खेळपी, विवीध रूपां धारण करपी हो देव केन्ना रामावतारांत जाल्यार केन्ना कृष्णावतारांत अवतरला. आमच्या देशाच्यो सण परबो तेच परंपरेंतल्यान चलत आयल्यात. दिवाळी अशीच एक रंगांची परब! तरेकवार रंगांनी सजयल्ली... घरांघरांतल्या आकाशदिव्यांनी, पणट्यांतल्या वातींनीं, मेणवातींनीं, सोबीत सुंदर रांगोळ्यांनीं...

दीपमाळेंत दिवो लायतना दरेका दिव्या वांगडा अणभवता अशीच एक खोस! एका फाटोफाट एक अशे दिवे पेटयतना जी मजा आसता ती तर औरच! घडये एके ज्योतीन दुसरी ज्योत पेटयतना आमी एकामेकांक बरें मागतात. दिवाळेचीं परबीं दितना आमी एकामेकांक सूख-समाधान आनी भरभराट आंवडेतात हें ताचें लक्षण!

देवान सृश्ट रचतना सैमाच्या रंगरूपांतल्यान आमचे खातीर कितल्या तरांच्यो खोशी निर्माण केल्यात. भायर सैम पळय, तरेकवार रंगांचो, आकाराचो, सुंदरकायेचो शिंवर करता. सकाळ-सांज मळबाचे रंग घडयेघडयेक बदलतात कशे? खिणांत निळसर, खिणांत तांबसर, खीण भांगराळे अशे! मदींच केन्ना काळ्या कुपांनी भरिल्लें... आमचेंच जिणेंतलें चित्र जशें! केन्ना हांसपाचें, केन्ना रडपाचें, केन्ना घडपाचें, केन्ना मोडपाचें. आयुश्यांत... खिणाखिणाक... जें आसा तेंच सूख मानून रावपाचें...

❀❀❀

परम खीण

सान पिरायेचेर ल्हान-व्हडां वांगडा बसून परीकथेंतल्या राजकुंवराच्यो, शूर-वीर राजांच्यो आनी दुश्ट राक्षसांच्यो काणयो आयकुपाची उमळशीक लागताली. भुरग्या मनाचे कल्पना शक्तीची घडण ल्हान पिरायेंत आयकल्ल्या काणयांतल्यान जाली. त्या संस्कारांतल्यान फुडें वाचपाची गोडी लागली आनी मागीर लेख-निबंद, कथा-नवलकथा, देश परदेशाचो इतिहास वाचपाची आवड वाडत गेली.

मनीसजातीच्या इतिहासांत पांच हजार वर्सांपरस चड आशिल्ले भारतीय संस्कृतायेची वळख शालेय शिकपांतल्यान आनी वाचपांतल्यान जाली. हराप्पा, मोहिंजोदारो, आर्य संस्कृतायेच्या इतिहासासावन मौर्य, गुप्त ते मोगल, मराठा कालखंड आनी ब्रिटिश साम्राज्यासावन स्वतंत्रताये उपरांतचे भारतीय इतिहासाचे शिकवणेन भुतकाळाचे भव्यतायेचो दिश्टावो घडयलो. आमच्या म्हान देशाच्या म्हत्वाच्या घडणुकांनी आनी नामनेच्या मानेस्तांनी मनीसपणाचे जिणेक एक विशिश्ट आकार दिला. सोबीत यादस्तिकांनी ह्या घडणुकांचें एक वेगळें रूप आनी दर्शन घडयलां. ह्या यादस्तिकांची विवीधताय आनी भिन्नताय मनभुलयणी. दरेका यादस्तिका वांगडा एक अमर काणी लागून आसा. म्हान झुजाऱ्यांच्यो, अतूट मोग्यांच्यो, परम भक्तांच्यो, आटपाट नगरांच्यो आनी भव्य राज्यांच्यो काणयो आयचे घडयेक लेगीत मनाचो थाव घेतले बगर रावनात. ह्या यादस्तिका वांगडा जुळिल्ली शिल्पकला, खोदकाम, चितारपाची कला, तेन्नाच्या धर्मीक वृत्तीचीं चिंतनां कला आनी संस्कृतायेचें दर्शन घडयतात. त्यो आमकां

इतिहासाच्या परम खिणाचे उगडास करून दितात.

ताजमहाल, कुतुबमिनार, म्हैसूर पॅलेस, टिपू सुलतानाचें श्रीरंगपट्टम, अजंठा-एलोरा गुंफा, छत्रपती शिवाजीचें विराट दर्शन घडोवपी रायगड आनी प्रतापगड, जयपुराचे दिवाण-इ-आम, दिवाण-इ-खास, आग्रा लागसार पातशा अकबराचें राजपाटण, फतेहपूर शिक्री, मदुरायीचें मिनाक्षी मंदिर.... हीं प्रेक्षणीय थळां... एकापरस एक अतीसुंदर!

अजंठा गुंफेंतलीं चित्रां तर मानवी कलेचो केदो व्हडलो अविश्कार ! गौतम बुद्धाचे जिणेंतले कितलेंशेच प्रसंग सोबीतकायेन रेखाटल्यात.... एका प्रसंगांत बुद्ध भिक्षापात्र घेवन स्वताच्या राजवाड्यांत आयल्यात... यशोधरा आपल्या कुकुल्या बाळकाक हांडीर घेवन उबी आसा. आपल्याच घोवाक भिक्षा दितना तिच्या मुखामळावयले काकुळटेचे उमाळे खूब कितें सांगतात.. त्यागाची संन्यासी जीण जियेवपाची निवड गौतम बुद्धान वेंचून काडली आनी कंवळे पिरायेचेर विरागिनेची जीण जियेवपाची पाळी यशोधरेच्या वांट्याक आयली. हातालागीं आशिल्ली सत्ता, आस्पत धुडकावन, संवसाराचो त्याग करून राजकुंवर सिद्धार्थ भायर सरलो..

सासणाचें अशें एकूच एक निर्वाणपद ताणें मेळयलें आनी फुडले पिळगेक एक वेगळोच आदर्श घालून दिलो. अडेज हजार वर्सां उपरांत लेगीत गौतम बुद्धाची विचार प्रणाली आनी ताची सगळी जीण मनीसजातीच्या इतिहासांतलो एक दीपस्तंभ जावन साकार जाल्या.

❁❁❁

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी ग्रंथालय
MANGALORE

पयलें पावल

संवसार फुडें वचत रावता. काळ फुडें फुडें सरकत आसता. जावन गेल्ल्या अगणीत खिणांचो सांठो इतिहासाच्या पोटांत सांसणाचो तिगून उरता. शेंकड्यांनी, हजारांनी वर्सां आदींच्यो घडणुको एकाद्या चित्रांतल्यान जित्यो तट्टटीत जावन सामकार उब्यो रावतात.

एका इंग्लिश म्हयनाळ्यांत एके बियर कंपनीची दुर्मीळ अशी जायरात नदरेक पडली. कालिकत (आतांचे कोझिकोड) बंदरा लागसारचे दर्यावेळेर पयलें पावल दवरिल्ल्या कॅप्टन वास्को द गामाच्या सोबीत चित्राची ती जायरात दोळ्यांत भरपासारकी आशिल्ली. पारंपारीक तारवट्याच्या भेसांत आंगभर मुस्तायकी न्हेशिल्ले तांबशे गोरे चार पांच मनीस... पयस दर्यांत नांगरिल्लीं आनी सकाळच्या कंवळ्या वतांत चमकतात अशीं चार अनवळखीं व्हडीं. तांचेर फडफडटात ते वेगळेशे फिरंगी बावटे आनी तें सगलें पळोवन हांतातलीं जाळीं सकयल उडोवन त्या फिरंग्यां भोंवतणी काचाबूल जावन जमिल्ले थंयचे खारवी..

अचकीत हांव इतिहासाचीं पानां चाळूंक लागलों... नदर थिरावली युरोपियन वेपारी धड्याचेर. भारता वांगडा फिरंग्यांचो वेपार अरबी दर्याच्या मार्गान जातालो आनी तो तांकां म्हारग पडटालो... गरज... सरळ सोंप्या मार्गाची... आनी मागीर १७ मे १४९८ चो दीस उदेलो... आफ्रिकेच्या तोंकार कॅप ऑफ गूड होपाक भोंवताडो घालून वास्को द गामान भारताचो नवो दर्यामार्ग सोदून केरळचे भुंयेर पावल दवरलें... २४००० मैलांची दर्याभोंवडी १६० तारवट्यां वांगडा...

देडशे परस चड वाटेरूच सोंपले... तरीय जिद्द सोडलिना... चिकाटी आनी निर्भयतायेच्या नेटार वास्को द गामान तड गांठली... खीणभर याद जाली सर एडमंड हिलरीच्या उतरांची... 'मावंट एव्हरेस्टाचे तेंगशेर चडचे आदीं तीन फावटी म्हाका अपेस आयलें. हांवें जिद्द सोडलिना. सदांच प्रयत्नशील रावलों. आयज हांव एव्हरेस्टाची सर म्हजे लागीं करूंकच शकना. तो २९००० फुटांपरस चड वाडचोच ना. म्हजे कडेन ताचे परस वयर वचपाची क्षमताय आसा.'

जावन गेल्ली देखदिणी घडणूक... फाटल्यान पळयतात आमी तोखणायेचे नदरेन... इतिहासाची गवाय सत मानून जैतिवंतांक माथ्यार उखलून घेतात... परिक्षेंत सगलेच जाण कांय पयले नंबर घेनांत... मागीर फाटीं पडटल्यांची उपेक्षा कित्याक?... घडये तांकां फावो ती संद मेळ्ळीना जावये! प्रत्यक्षांत सगल्या अर्थान कोणूच म्हान न्हय! जो तो आपल्या कर्तुबान व्हडपण जोडटा. तोवूय एक पराभूत! पूण प्रतिकूल परिस्थिती आड झुजून तो येसाचे तेंगशेर पावता... कसल्याय कार्याची मोख बाळगितना प्रबळ अशी इत्साशक्त आपणावची पडटा आनी तिच्या बळार जैत आनी येस साकार जाता... म्हेळ्या उदकाचेर उफेल्ली घाण आनी खोंदूळसाण निवळ उदक ओतले बराबर पोंदाक वता तशे मनाचेर उदेल्ले अपेसाचे परिणाम इत्साशक्तीच्या बळार पयसावतात... साहस आनी धाडसाच्या बळार मनीस केदी व्हडली भरारी मारूंक शकता हाच्यो ह्यो झणझणीत देखी!

❀❀❀

अनामीक नातें

गॅलरींत उबो रावन भायलें सैम दोळे भरून पळोवपाक म्हाका खूब आवडटा. दोळ्यां मुखार दिसता तें विशाळ मळब... ते निळे निळे तेंगशे पेल्यान कितें आसता काय हाची उमळशीक भुरगेपणांत आसताली. अंतराळाक अंतपार ना हाची जाणविकाय जाय मेरेन वर्सांच गेलीं. कुपांचे चोंबे एकामेका पसून पयस वतना आनी पर्थून एकमेकांक जोडटना पळोवपाची बारीकसाण तेन्ना सावन लागली.

मळबाक पळयत पळयत हांव ल्हानाचो व्हड जालों... चार चोवगांत भरसून गेलों... जिणेच्या वेगळ्या वेगळ्या पावंड्यार नव्यो नव्यो वळखी जाल्यो... एकमेकां लागीं वाद-संवाद करपाचो योग आयलो... बरे वायट अणभव... बरे विचार आपणावंक मेळ्ळे... नव्या नव्या विचारांचीं पातीं तातूंतल्यान किल्ललीं... जिविताचे वाटेर बरे वांगडी मेळ्ळे... आदर्श शिक्षक, जापसालदार पालक, शिस्तबद्द मुखेली, जिवाभावाचे इश्ट, सोयरे... तांची शिकवण, तांचें मार्गदर्शन हांच्या बळार बुन्याद घाली. आयज घडये ते म्हज्या लागसाराक नासत पूण म्हज्या दरेका जैतांत, येसांत तांचो वांटो आसा. तिनसांजचे मळबांतले रंग बदलत आसतात... 'पिले, गुलाबी, लाल सुनहरे...' 'ज्योती कलश झलके' गितांतल्या सुरांसारके... एकमेकांत भरसून हे रंग काळखांत नाच्च जातात... रंगाचो गाभ जतन करपी हो काळोख खंय वता? कोणाक खबर! जिविताचे भोंवडेर अशेच कितलेशेच इश्ट मेळटात... चार पावलां सांगात करतात...

सुख-दुख्खाच्या खिणांचे वांटेकार जातात. चार रस्ते आयले तश्यो वांटो बदलतात... आपापले वाटेन वचत नवीं मनशां जोडटात.

जल्माक आयिल्लो मनीस कोणाचो तरी जाता. केन्ना रगताच्या नात्यांतल्यान, केन्ना काळजा सावन, केन्ना वेव्हारांतल्यान.... वेव्हारीक नातें... हिशोबी नातें... देणे घेण्याचें. ताचेपरस खेगीत अशें नातें मायेमोगाचें... जिवाक जीव दिवपाचें... गरजेक धांवून येवपाचें...

नातें मनशा-मनशांत आसता अशेंय न्हय! तें कोणाय वांगडा आसूंक शकता. बगोवप्याचें नातें उतरां वांगडा, गवयाचें सुरा वांगडा, शेतकाराचें मातये वांगडा, सैनिकांचें झुजा वांगडा... ह्या नात्याक कसलें नांव दिवचें?... अशेंय एक अनामीक नातें.... मनशाचें काळा वांगडा... एकाद्रया भोवरूप्यावरी काळ आपलीं रूपां फाटोफाट बदलता... रंकाचो राव आनी रावाचो रंक करता... गरजेवंताक हात दिवन वयर काडटा... नाका तेन्ना ताका धुकलून उडयता. मनशाच्या आयुश्यांत काळाचोच तर सांगात! काळ बदल्लो तसो मनीस बदलता. मनशा वांगडा काळाचें नातें मनीस समजूंक शकना. तिरायता वरी तो दोळे मोटे करून पळयत उरता... काळाची गरज मानून तोंड धांपून ओगी रावता...

❀❀❀

तांकां आमचें नमन

तो एक फौजी. निकतेंच ताचें लग्न जालां... घरांत नवलायेचे दीस... आनी अचकीत ताका कामार येवपाचो हुकूम येता... भरिल्ल्या अंतस्करणान तो परतता. झुजांत ताका मरण येता आनी नवी जीण फुलचे पयलींच करपता.

सैनिकाचे जिणेंतले हे देखाव सिनेमा-नाटकांनी पळोवंक मेळटात. कवी-गीतकारांनी सैनिकाचे जिणेंतल्यो व्यथा सोबीत उतरांनीं मांडल्यात. दरेके वळींतले अर्थ वेगळे. दाट्टात अचकीत मनांतले उमाळे... गोंय सुटके उपरांत वर्सा भितर भारत-चीन झूज पेटलें. त्या वेळार कवी प्रदीपाचें 'ए मेरे वतन के लोगों' गीत ल्हान व्हडांच्या ओंठार घोळटालें. तातूंतलीं दोन कडवीं काळजाक लागपा सारकीं... 'जब देश मे थी दिवाली, वो खेल रहे थे होली । जब हम बैठे थे घरो में, वो झेल रहे थे गोली।' तेदेवेळा वयल्या 'हकीकत' सिनेमांतलें 'कर चले हम फिदा जानोतन साथीयो' अशेंय एक फामाद गीत! सैनिकांची देशा खातीर बलीदान दिवपाची उर्बा दोन वळींतल्यान उक्ती जाता... 'जिंदा रहने के मौसम बहुत है मगर, जान देनेकी रूत रोज आती नही।'

सैनिकाचें खरें स्वरूप झुजारी. मायभुंये खातीर निमाणें मेरेन प्राणांची पर्वा करिनासतना लढप हेंच तांचें ध्येय, जिखप नाजाल्यार मरप हो तांचो आदर्श. एक जाणकारान म्हणलां, झुजारी आनी सामान्य मनीस हाच्यांतलो मुखेल फरक म्हणल्यार झुजारी दरेक घडणूक आव्हान म्हणूनच आपणायता. घरांतल्या मायेच्या लोकां पसून पयस भुंयेर वावरप कितलें कठीण आसता हाचो एक

दिश्टावो 'बॉर्डर' सिनेमांतल्या गितांतल्यान मेळटा.

'संदेसे आते है, हमे तडपाते है, वो चिठ्ठी आती है, जो पुछे जाती है की घर कब आओंगे?... यह घर तुम बिन सुना है...'

काळजांत घर करून बशिल्ली इंग्लीश कवी लॉंगफेलोची कविता 'Home they brought her warrior dead' झुजांत मरण आयिल्ल्या जवानाचे घरकान्नीक मानसिक धक्को बसता आनी ती मोन्यावरी जाता. तिका बोलकी करपाचे सगळे यत्न सोंपले उपरांत एक जाण्टेली सट्ट करून तिचो कुकुलो पोर तिचे मांडयेर दवरता. खिणाभितर हुनाळ्यांत अचकीत आयिल्ल्या मोडावरी तिच्या दोळ्यांतल्यान दुकांच्यो झरी व्हांवतात आनी भुरग्याक वेंगेंत धरून ती म्हणटा, 'पुता तुजे खातीर तरी म्हाका जगपाक जाय.' मराठी कवी सुरेश भटाचें एक म्हान गीत काळजाक पीळ घालता. झुजांत मरण आयिल्ल्या आपल्या मोग्याचें मडें पळोवन आकुळपिकूळ जाल्ली अस्तुरी दुकां गळयतना म्हण्टा 'तरूण आहे रात अजूनी, राजसा निजलास का रे? बोल, शेजेच्या फुलांवर तु असा रूसलास का रे?'

सैनिकांची जीण त्यागाची, ताचें खरेंखरें चित्र गीत-संगितांतल्यान घराघरांत पावोवपाचें काम म्हान कवींनी केलां. देशा खातीर बलीदान दिल्ल्या वीर जवानांक आमचें काळजासावन नमन.

❀❀❀

फाटीर ओडचो हात

एके हिंदी कवितेंत निकत्याच पाखां फुटिल्ल्या शेवण्याच्या पिलाचें मार्मीक वर्णन केलां. घडी घडी तें पील आव्वयक विचारता, 'म्हाका उडूंक येता, हांव उडून वचूं?' दर फावटीं आवय ताका थातारता, 'मात्शें राव, तूं अजून तुज्या पांखांनी उडपा इतलें कुशळ जावंक ना' निमाणें ती पिलाक विचारता, 'पुता, तुका भायलें कितें दिसता?' पील सांगता, 'म्हाका हांगासावन विशाळ मळब दिसता, दर्यांतलीं खळखळटात तीं ल्हारां दिसतात, शेकान शेक पातळिल्लीं शेतां आनी दोंगर दिसतात. वाऱ्यावांगडा धोलतात ते लांबरूंद माड दिसतात. मळबांत झोपय मारता तें सुकण्याचें भिरें दिसता. हांव तांचेवरीं उडून वचपाचो प्रयत्न करूं?' आवय ताका आशिर्वाद दिता, 'बाबा, तुजे तांकीचेर फुडें वचपाक तूं लायक आसा.'

दिमखुऱ्यांतल्यान भुरगें जेन्ना आपल्या पांयांर उबें रावता तेन्ना नवे पांय फुटिल्लेवरी सरभोंवतणी चलपाक लागता. जिणेंतली भोंवडी तेन्नाच सुरू जाता. आवयचें बोट धरून दुडूदुडू चलतलो भुरगो कांय तेंपान आडसाटो जाता. शाळा कॉलेजीचीं सोंपणा चडटां देंवतां भुरगेपणाची कंवळी जीण सोंपोवन कुमारावस्थेंत पावता. कितले बेगीन उंचेल्या शिक्षणाच्या हुंबऱ्यार पावता. आवय बापायच्या फाटल्या फुडल्यान रावतलो भुरगो फुडाराची येवजण करूंक लागता. नव्यो दिका सोदूंक लागता. गरूडावरी मळबाक गवसणी घालपाची मोख दवरता. आनी मागीर एक दीस आवय बापायक रगताचें उदक करून वाडयल्ल्या, मोगाचे उबेन

सांबाळिल्ल्या आपल्या भुरग्याक पयस दवरपाची वेळ येता. काळजाचेर फातर दवरून भुरग्याचो सोबीत फुडार चिंतून आवय बापूय ताचो विरह सोसतात.

आवयबापायक आपलीं सगलीं भुरगीं सारकीं आसतात. आवड नावड आसूं येता. कर्तुपी भुरग्याची तोखणाय चड जाता. पयस उरतल्या भुरग्याची ओड वाडूंक लागता. विरहान मोग आनिकूय वाडटा. 'New Testament' चे बोधकाणयेंत जेजून बापायचो नावाडग्या भुरग्याविशीं उफाळून आयिल्लो मोग दाखयला. संवसारांतलीं सगळीं बंदनां, जापसालदारक्यो सोडून धाकलो पूत अचकीत घर सोडून वता आनी भोंवऱ्यावरी घुंवन एक दीस अचकीत प्रगट जाता. बापूय मातूय दुस्वास दाखयनासतना त्या पुताक बरो येवकार दिता. शेणिल्लो पूत परत आयलो हे खोशयेन घरांत व्हडलो सुवाळो मनयता. बरीं बरीं पक्वान्नां करून वाडटा. घडये बापायक नावाडग्या पुताचे करणेचो राग आयिल्लो जायत, पूण पुताचे गुन्यांव पोटांत घालून, बापायचें कर्तव्य दाखोवन जेजून पटोवन दिलां की खरो मोग केन्नाच तुटना, बागवना. भुरगो चुकता पूण समजले उपरांत ती चूक सुदारता तेंच शाणेपण! जशें वाट चुकिल्लें पाडूक सोदीत सोदीत गायेसरीं येता आनी तिका ल्हेंवता. भुरग्याचे कितलेशेच गुन्यांव पोटांत घालून आवय बापूय ताका आपणायतनात हेंच ते बोधकाणयेंत दाखोवन दिलां.

आवय बापूय आनी गुरू हांच्या संस्काराचेर भुरग्याची घडण जाता. वेदशास्त्रांत ‘मातृदेवो भव: पितृदेवो भव: गुरूदेवो भव:’ ह्या उतरांनी आवय बापूय आनी गुरू हांच्या व्हडविकायेचें वर्णन केलां. अशें म्हणटात की आवय बापूय आनी गुरू हांच्या रूपान देवाचो दिश्टावो जाता. लेखक आनी कवींनी आवयचे म्हानतायेची तोंड भरून तुस्त केल्या. जिणेंत कसलेंय रीण फारीक करीसारकें आसा पूण णव म्हयने पोटांत सांबाळून भुरग्याक जी ल्हानाची व्हड करता आनी ताचो फुडार घडयता ते आवयच्या कश्टाचें मोल करप कठीण! अस्तुरी ही अनंतकाळाची माता आसा. साने गुरूजींच्या उतरांनी, ‘स्वामी तिन्ही जगाचा, आईविना भिकारी!’

आपलो भुरगो खंयूय आसूं, सुखी आसूं अशें सदां मागपी आवय अचकीत घुस्मटमारांचे कातरेंत सांपडटा. कर्णाच्या मोगान कुंतीच्या मनाची अशीच अवस्था जाता. सुर्यापसून जाल्लो आपलो भुरगो लोकलजेखातीर ती सोडून दिता आनी जेन्ना कर्णाक कुंती आपली आवय म्हणून कळटा तेन्ना तो तिचो दुस्वास करता.

कितल्योय विनवण्यो करून लेगीत कर्ण तिका आपली आवय म्हूण मानून घेना आनी राधेय म्हणून आपली वळख दाखयता.

आवयबापाय वांगडा भुरग्याचें नातें एक पवित्र नातें! भुरगो जेन्ना वयांत येता तेन्ना भरकटिल्ल्या भोंवऱ्यावरी घुंवत रावता. थारायिल्ल्या शिमेभायर वचपाची भिरांत आसता. अशा वेळार ताका बरी शिस्त आनी देख दिवन जाग्यार हाडप हें आवयबापायचें कर्तव्य आसता. अशीच एक फावट एका व्हड गुन्यांवकाराक फांशीची ख्यास्त जाता. ताची निमाणी इत्सा आवयक मेळपाची आसता. आवयक मेळनाफुडें तो घांस मारून तिच्या कानाचो कुडको तोडटा. तो सांगता, 'ल्हानपणासावन हांवें मस्ती केली, आडांगीपणां केलीं, कितलेशेच गुन्यांव केले. आवयन म्हाका आडायलो ना. वयल्यान म्हजेर आडनदर केली. ताका लागून हांव इतलीं वायट कर्मां करूंक पावलों. म्हजेपरस चड ख्यास्त तिका दिवंक फावो.'

संस्कार जिणेंतली व्हडली शिकवण! जे आवयबापूय भुरग्याक बरे संस्कार दिवंक शकतात, तांचे सारके म्हान कोणूच न्हय, साळीक चिखलांतल्यान उदेता. रोंपो वयर सरूंक माती आनी सारें लागता. जिणेचो फुडार पर्जळीत करूंक फाटीर चाबूक ओडचें पडटात. वेळार उर्बा दिवची पडटा. धडपडटाना हात दिवचो पडटा. फुडलें पावल उखलपाक उमेद दिवची पडटा. येस साकार करून घेवपाक केन्नाय शिटकावणी, केन्ना समजिकाय आनी फाटीर मायेमोगाचो हात फिरोवचो पडटा.

जिविताची वाट खूब लांब आसा. दरेका थांब्यार भुरग्याचें कर्तूप पारखुचें पडटा. येस अपेसाचो नियाळ करून ताका येसाचे तेंगशेर पावोवंक आवयबापायचो व्हडलो वांटो आसता. आवयबापायच्या नात्याचें संवकळीन इश्टागतीच्या नात्यांत रूपांतर जाता. मोगाच्या आनी कर्तव्याच्या धाग्यांनीं गुंथिल्लें हें नातें सासणाचें घट उरता हीच ताची व्हडवीकाय!

माँ, तुझे सलाम...!

देवळांतल्यान भायर येतना अचकीत मुखार ती दिसली. तोंडावळो वळखीचो दिसल्लो म्हणून परत हांवें तिचेर नदर मारली. हय... तीच ती! तिचे वांगडा एक तरणाटो आशिल्लो. पूतच आसुंये! गोरो, सुडसुडीत. तिच्यांत व्हडलो फरक दिसनाशिल्लो. वयामानान पोक्तपण जाणवतालें. तिका पळयल्यार बरींच वर्सां जाल्लीं. कांय न्हय म्हणल्यार अठरा-एकुणीस वर्सां. अचकीत म्हज्यो यादी जाग्यो जाल्यो....

तिचो घरकार डॉक्टर समीर एक नामनेचो स्त्रीरोगतज्ञ. ताचें हॉस्पिटल सदांच पेशंटांनी गजबजिल्लें आसतालें. म्हजें ताचे लागीं येवप-वचप आसतालें. ताका दोन अपुरबायेचीं भुरगीं. रेशा आनी रूपेश. डॉक्टराची घरकान्न सदांच हांसरी, समजीक अशी. अकस्मात एक दीस त्या हांसत्या खेळट्या कुटुंबाचेर दुखवाची सावळी पडली. डॉक्टराचे घरकान्नीक कॅन्सराची पिडा जाल्ली. असले असाध्य पिडेंतल्यान पेशंट वांचपाची शक्यताय उणी आसता. चड वेळ काडिनासतना डॉक्टरान तिचें ऑपरेशन करून घेतलें आनी तिचेर उपचार चालू दवरले.

जिणेंत दुखव येवपाचें आसा हाची सुलूस आमकां लागता तेन्ना हताश जावन लेगीत, येता त्या प्रसंगा वांगडा झुजपाची तयारी आमी करतात आनी अचकीत खंयच्यान तरी येवजूंक नाशिल्लें भलतेंच दुखव झोंपय मारून आमचे मुखार येवन उबें रावता. तें कितें तें कळना फुडें आमी साप्प कोसळिल्लीं आसतात. ज्या दुखवाची तयारी केल्ली तें दुखव मनांतल्यान सामकें पुसून वता.

ते पिडेंतल्यान ती ल्हवू ल्हवू निवळटाली, पूण दुर्दैवान त्या कुटुंबाचेर आनीक एक व्हडलें संकश्ट कोसळ्ळें. डॉक्टराचे गाडयेक रस्त्याचेर अपघात जावन डॉक्टर आत्ताक सोंपलो.

...घरांतलो कर्तो मनीस सगळो संवसार फाटल्यान सोडून एकाएकी उठून वचप हो तिच्या मनाचेर व्हडलो धसको बशिल्लो. आयुश्या कडेन पळोवपाची तिची नदर कोडसार जाल्ली. पांया पोंदची वाट दुकांनी भिजिल्ली, हुंडक्यांनी दाबिल्ली. ती हुपपा इतली शक्त तिच्यांत नाशिल्ली. पदरांत दोन ल्हान भुरगीं. येदें व्हडलें हॉस्पिटल, दुसऱ्या कडल्यान चलोवन घेवप हें सोंपें नाशिल्लें. काळाच्या ओगांत ती ल्हवू ल्हवू निवळ्ळी आनी ताचे उपरांत ते अस्तुरेन फाटल्यान पळयनासतना आपले जिद्दीर तुटिल्लो संवसार पर्थून उबो केलो. धुवेचें लग्न केलें, पुताक दोतोरकी शिकयली आनी बापायचें हॉस्पिटल चलोवपाचें बळगें ताका दिलें.

... आयज कितल्या वर्सांनी तिका मेळपाचो योग आयलो. खीणभर हांव तिका पळयत उरलों... एकाद्या व्हड रूखा कडेन पळोवचें तशें. ल्हान-व्हड झोंपां, पाचवींचार पानां, फळां आनी फुलां म्हळ्यार रूखाची निर्मणी. फुलां-फळांनी भरिल्ल्या रूखा कडेन पळयल्यार ताची संपन्नताय, विपुलताय दोळ्यांत भरता. ती संपन्नताय रूखाच्या मुळां कडेन आसता. स्वताक काळखांत पुरोवन घेत तीं मुळां लांबचे लांब खोलायेंत पातळटात. जमनी कडल्यान जिवनसत्व घेत फळां फुलां मेरेन पावयतात.

ते म्हान अस्तुरे कडेन पळयतना म्हाका ए. आर. रेहमानाच्या गिताची वळ याद जाली, 'माँ, तुझे सलाम!'

❀❀❀

यादीच्या धुक्यांत सोदतां एक गांव!

'जे भुयेंत हांव जल्मलों, ल्हानाचो व्हड जालों ती म्हजी भूंय सासणाची ना जाली. हेमवती न्हंयच्या घोग्यांत म्हज्या गांवच्यो अगणीत यादी लिपून रावल्यात. जेन्ना हांव त्या वाटारांत वतां, तेन्ना म्हजे दोळे भरून येतात. उबाळांत न्हंय आट्टा तेन्ना अचकीत शिवशंकराच्या देवळाचो कळस पळयिल्ल्याचो दिश्टावो जाता. सकाळीं फुडें गॅलरींत उबो राविल्ले वेळार मुखार सरभोंवतणी पातळिल्ल्या धुक्यांत हांव म्हजो गांव सोदतां.'

सदगदीत जावन तो म्हाका सांगतालो. पी. रविशंकर, वरिश्ठ बँक अधिकारी. बंगळुरूच्या म्हज्या रबिन्यांत आमची वळख जाली. उलयतां उलयतां हरशीं म्हणून हांवें ताका ताच्या नांवांतल्या 'पी' मुळाक्षरा विशीं विचारलें आनी म्हणटां म्हणटां ताणें ताच्या गांवचो इतिहास दोळ्यां मुखार उबो केलो.

कर्नाटकांतल्या हासन तालुक्यांतलो 'पणंथपूरम' दोनशें अडेचशें लोकवस्तीचो सुपुल्लो गांव. तिनूय वटांनच्यान न्हंयो आनी मदीं जुंव्यार वशिल्लो, झाडापेडांनी नटिल्लो, शेतां भाटांनी गिरेस्त असो सोबीत गांव. हेमवती न्हंयचे देगेर शिवाचें नामनेचें देवस्थान. देवळांत भजन-किर्तन, पूजा-पाठ अखंड चालू आसतालें. पयसुल्ले पयसुल्ले लोक देवाच्या दर्शनाक येताले तेन्ना सैमाची सोबीतकाय दोळे भरून पळोवन घेताले. शाळा-कॉलेज, हॉस्पिटल-दवाखान्याची सुविधा जाय तशी फावो जाल्ली. भात, नाल्ल, फळ-फळावळीची पीक भरून येताली. विशेक वर्सां पयलीं सरकारान ते सुवातेर 'गोरूर' धरण बांदलें. तेन्ना अख्खो

गांव जलमय जालो. आयज हासन, तुमकर आनी मंड्या तालुक्यांतल्या सात लाखां वयर एकर जमनीक गोरूर धरणांतल्यान शिंपणावळ मेळटा. पुणून ताका लागून पणंथपूरमकारांक घरादाराचेर उदक सोडचें पडलां.

वर्सांतल्यान एक फावट ते सगळे बंगळुरूक एकठांय जातात. ल्हान-व्हड एकामेकांक मेळटात. तांकां जाल्ले लुकसाणींतल्यान बरें कितें घडलां ही व्हडली खोस काळजांत बाळगून आसात.

असोच एक गांव म्हजे यादींतलो. सांगें तालुक्यांतलो कुर्डी गांव. पांचव्याचार शेतांचो, फळा-फुलांनी भरिल्लो, नितळ झरे, व्हांवत्या न्हंयाचो. सोमेश्वर देवालयाची व्हडविकाय केदी! बरे बरे गायक, कलाकार हे भुंयेंत जल्मले. म्हान कीर्तवंत जाले. तांचीं पाळां-मुळां हेच मातयेंत रिगल्यांत. पस्तिशेक वर्सां आदीं साळावली धरणा सकयल बुडिल्लो हो गांव! फाटल्यान उरल्यात त्यो यादी.

संवसारांत निर्मणी घडटा तसोच विद्वाट जाता. आयुश्य म्हणल्यार घडप-मोडप. घडपाचें घडटा. मोडपाचें मोडटा. पुणून मोडिल्ल्याची खंत काळजाक दसून उरता. म्हजी म्हजी म्हणटां अचकीत ती वस्त हातांतल्यान निसरून पडटा.. मातयेभरवण जाता. तिची एक ओड आसता. आपुलकेचें नातें... ताचें ना जावप, मन मानपाक तयार नासता. पुणून केन्ना तरी मानून घेवचें पडटा. तें समजावन घेवप आनी तशे तरेन फुडें वचप हाची संवय करची पडटा. ते जाणविकायेंतल्यान जिविताचो फुडार कळपाक लागता. आपूण आपणालें कितें तरी शेणोवन बसलां हाचे चुरचुरे मात आयुश्यभर लागून उरतात.

नवी सुरवात

सकाळीं फुडें म्हाका दीपक प्रसादाचो फोन आयलो. 'आयज हांव गोंयांत आसां. तुका मेळपाक जाय.' हांवें डायरी उगडून पळयली. आज खंयूच अॅपोयन्टमेन्ट नाशिल्ली. जावं, बरें जालें, मन सोडून उलोवंक तरी मेळटलें.

दीपक म्हजो एका वेळा वयलो ऑफीस सहकारी. मुंबयच्या ऑफिसांत आमी वांगडा काम केलां. सादारण म्हजेच पिरायेचो... म्हज्या हाता सकयल काम करतना कसलीच भीड बाळगिनासतना तो जबाबदारीन वावुरतालो. ताची काम करपाची तरा, नमळायेन उलोवपाची पद्दत, ताचे वागणुकेन म्हाका ताचेविशीं एके तरेचो आदर दिसतालो.

नव्या नव्या लोकां मर्दीं पावतकूच नव्यो नव्यो इश्टागती जातात. अनवळखी लोक, अनवळखी मनशां आपलींशीं जातात. हें आपलेपणाचें नातें सदांकाळ तिगतलें अशें सांगूंक जायना. तरी लेगीत कांय नातीं पाशाणावरी घट्ट उरतात. तीं तशीं उरपाक दोगांयचो तितलोच वांटो आसता.

दीपकाची लायकी, ताचे हुशारकायेचो विचार केल्यार केन्नाय म्हाका दिसतालें, हो बरोच फुडें वचपाचो. फाटीं कसो उरलो? पूण कांय प्रस्नाच्यो जापो सगळ नासतात. कित्याक तरी लागून ताचें 'प्रमोशन' अडून उरिल्लें. आपले बरोबरचे वांगडी फुडें पावले, आपूण वर्सांचीं वर्सां तेच 'सुवातेर' आसां हाची ताका खंत जाताली. ताका खंती जावपाक आनीक एक कारण आशिल्लें. ताची घरकान्न बँकेंत मॅनेजरच्या पदार आशिल्ली. घोवान बायले परस वयल्या

पदार आसचें असो समज कांय लोकां मदीं आसा. ताच्या घरच्यांक ती गजाल उस्तुऱ्यां वताली. दरेका मनशाचें स्वताचें अशें खाजगी आयुश्य आसता. दुसरो कोणूय ताच्या खाजगी आयुश्याकडेन एके शिमे मेरेनच पळोवंक शकता. दीपकाची खंत म्हाका समजताली. खूब फावटीं तो म्हाका नोकरी सोडपा विशीं उलोवन दाखयतालो. नवे संदीची वाट पळयत रावतालो... आनी ताका जाय तशें जालें. विसावें शतमान सोंपता सोंपता जागतिकीकरणाच्या नांवार नव्यो नव्यो कंपनी उक्त्यो जाल्यो. दीपकाक एके नामनेचे कंपनीत रूजू जावपाची संद मेळ्ळी. आयज इकरा वर्सां भितर ते कंपनीन बरी उदरगत केली आनी दीपक कंपनीच्या एकदम उंचेल्या पदार पावलो.

आयुश्यांत आमी एकेच वटेन चलत रावतात. आमच्या सपनांचो सोबीत फुडार सोदीत... तो सोबीत फुडार येतलोच हाची खात्री नासता. मुखार कितलेच रस्ते आसतात. कांय संवकळीचे, कांय अनवळखी. पांया सकयल्या पावलांक बंधन आसता. संवकळीचो रस्तो सोडून अनवळखी वाटेन गेल्यार खंयचे खंय पावत हाची भिरांत आसता. तरी आसतना आमी संवकळीचो रस्तो सोडून नव्या रस्त्यार सांबाळून पावलां घालतात आनी तोच रस्तो आमकां येसाचे तेंगशेर पावयता.

आयुश्यांत नवे वाटेर नवी सुरवात करून दीपक बरेच फुडें पावला. आयज लेगीत ताची थंडपणान उलोवपाची तरा तशीच आसा... तींच नमळायेचीं उतरां... आतां ताच्या मुखामळार वेगळेंच तेज मारता.

येदेशा पोशांत... बरेंच कितें!

म्हजी धूव चवथे यत्तेंत आशिल्ली तेन्नाची गजाल. एक दीस तें गणिताची चोपडी बांकाच्या खणांत विसरलें. रातभर ताका दुगदूग. दुसरे दिसा ताणें ती खणांत सोदली. चोपडी नाशिल्ली. ताचेर आकांत आयलो. वर्सुकी परिक्षा तोंडार आयिल्ली. ताणें वर्गशिक्षिके लागीं कागाळ केली. शाळेंत दनपारच्या आदेसाक गरजू भुरग्यां खातीर वर्ग आसताले. चुकून कोणाकूय मेळपाची शक्यताय आशिल्ली. वर्गशिक्षिकेन दनपारच्या वर्गांत भुरग्यांची झडटी घेतली. कोणाच लागी चोपडी सांपडली ना.

ताचे उपरांत दोन दिसांनी एक बायल मनीस तिचे धुवे वांगडा आमगेर आयली. धुवेक ती चोपडी मेळिल्ली आनी तिणें ती बोटल्यांत घालून घरा व्हेल्ली. दुसरे दिसा जेन्ना वर्गांत चोपडे विशीं बोवाळ जालो तेन्ना वर्गशिक्षिके लागीं आपली चूक मानपाक ती अनमनली. पुणून तिका आपली चूक कळिल्ली देखून चोपडेचेर बरयिल्लो पत्तो सोदीत ती आमचेमरगीं आयिल्ली. आमचे मुखार आवय धुवेचेर बरीच शिणली. येदेशें तोंड करून सांगूंक लागली, 'सिंथियाक लिसांव नाका. फकत म्युझिकाचें पिशें. आमच्यांनी ताका म्युझिक शिकोवंक जाता रे बाबा?'

आवय पाद्रीचे सेमिनारींत कामाक आसताली. धाकटुलें सिंथिया खूब फावटी तिचे वांगडा वतालें. थंय चलतालें तें 'choir' (कॉयर) संगीत, धुलपदां मन लावन आयकतालें. विंगड विंगड सुरांतलीं हिंदी पदां टीव्हीचेर, रेडिओचेर

आयकतालें आनी ताचें अनुकरण करतालें. पयले फावट जेन्ना तें आमगेर आयिल्लें तेन्ना हांवें ताचेर लक्ष दिलें ना. केन्नाय हांव धुवेक शाळेंत हाडूंक-पावंक वतालों तेन्ना म्हाका तें दिसतालें. 'अंकल' म्हणीत धांवत म्हजेसरीं येतालें. हांव ताका फकांडांनी 'कशें चल्लां गो तुजें म्युझिक?' म्हणून विचारतालों तेन्ना मुमुरख्यांनी हांसतालें. तें सादारण चली न्हय अशी कितेंशी म्हाका जाणविकाय जाताली. संगिताच्या मळार फुडें वचपाची ताची मोख आशिल्ली. ते खातीर कितलेय कश्ट करपाची ताची तयारी आशिल्ली.

... अशींच वर्सां गेलीं, सिंथिया एक व्हडलें कलाकार जाल्लें. 'स्टार ऑफ ऑर्केस्ट्रा' म्हणून ताचें नांव जाल्लें. एक फावट हांव मुंबयच्या विमानतळार गोंयांत येवपाक थांबिल्लों. अचकीत सिंथिया म्हजे मुखार येवन उबें रावलें. वांगडा ताचो घोव आशिल्लो. खूब वर्सांनी हांवें ताका पळयलें. भरिल्लें मळब एकाएकी लिप्प जावचें आनी चकचकीत वत पडचें तशें तें टवटवीत दिसतालें. हांवें ताची खबर घेतली, ताचे मांयची खबर घेतली. 'ती ह्या संवसारांत ना.' मान सकयल घालून ताणें जाप दिली. 'बरे दीस पळोवपाक ती रावली ना.' ताचे दोळे भरून आयिल्ले.

सिंथियाक मेळ्ळे उपरांत खीणभर हांव चिंततालों. आमचो येदोसो पोसो! त्या पोशांत बरेंच कितें येत रावता... आमच्या कश्टान, आमच्या स्रमान... देवाची सासाय जावन. तेन्ना मागीर आयुश्य एकदम सोबीत दिसूंक लागता. सुखाच्या खिणांत आपलीं मनशां आपले म्हऱ्यांत आसचींशीं दिसतात. घडये तीं नासतात पुणून तांची पुण्याय सदांच आमचे फाटल्यान आसता.

❀❀❀

परदुख्ख शितळ

दोन मजले चडटा म्हणसर ताका धांप लागिल्ली. ताच्या तोंडार, हातांक जाल्ल्या घायांक मलमपट्टी केल्ली दिसताली. ताचे मोटारीक अपघात जाल्लो आनी विम्याची पॉलिसी घेवन तो आमच्या ऑफिसांत आयिल्लो. तो मुंबयचे रॅडिमेड कपड्यांचो वेपारी... भोंवडेर आयिल्लो. मुंबय सावन पुणे, हुबळी, कारवार सावन पर्तगाळी सावन गोंयांत येतना ताचे मोटारीक अपघात जाल्लो. मोटारीचें बरेंच लुकसाण जाल्लें. ड्रायव्हराक मार लागिल्लो. बाकीचीं सगळीं वाटावल्लीं. 'आमचें नशीब बरें म्हणून आमी वाटावलीं. भोंवतणचे लोक रोखडेच धांवून आयले. तांणीं आमकां आदार दिलो.' तो सांगतालो. हांवें ताका फुडले कारवाये विशीं सगळें समजावन सांगलें तसो तो तारूतिकेन गेलो.

दोन दिसां उपरांत तो कागदपत्रां घेवन आयलो. आतां तो बरोच मेकळो दिसतालो. ताच्या मनावयलो भार हलको जाल्लो. ताणें म्हजे उपकार मानले. 'गाडयेक जाल्ली मोडतोड पळयल्यार, तुमी कशीं वाटावल्लीं हाचें अजाप दिसता. देवानच तुमकां वाचयलीं.' हांवें म्हणलें. तो हयन्हयसो हांसलो. एक लांब सुस्कार सोडून तो एक एक उतर उलयत गेलो. 'देव सदांच खंय वांचयता? केन्ना केन्ना निश्ठूर जाता. तो सगळे कडेन आसा म्हणटात. म्हजो चोवीस वर्सांचो पूत बुडटालो तेन्ना तो खंय आशिल्लो?' ताच्या आयुश्यांतली एक दुख्खदिणी घडणूक ताणें सांगली. ताचो पूत इश्टां वांगडा दर्या वेळेर पेंवपाक गेल्लो. पेंवतना मदींच ताचे दोन इश्ट ल्हारां वांगडा व्हांवून वतात तें पळयना फुडें तांकां वांचोवपाक ताणें

बुचकळी मारली आनी फुडें फुडें गेलो. दोगांकय ओडून ताणें देगेलागीं हाडले पुणून दर्याक आयिल्ले भरतेंत तो व्हांवून गेलो तो सासणाचोच. 'म्हजो एकसुरो पूत देवान ओडून व्हेलो. आयज वीस म्हयने जाले, खिणाखिणांक ताचे यादीन आमचें काळीज रडटा. म्हजी घरकान्न पिशावरी जाल्या. तिचें मन बदलावपाक हांव तिका भोंवडावन हाडटां.' तो सांगतालो.

कांय वेळ थांबून तो सांगपाक लागलो, 'परदुख्ख शितळ' अशी एक म्हणणी आसा. जो कोण भोगता ताकाच दुख्खाचो धग लागता. दुसऱ्यांक ताची खरसाण कळना. आंगाक जाल्ले घावे, खवळ्यो जावन भरून येतात. पुणून तांच्यो मावो तश्योच उरतात. काळजांत जळटा तें दुख्ख कोणाक सांगून कळचें ना. काळ हें सगळ्याचेर वखद आसा तें खरेंच काय कितें? आमचो पूत गेलो हाचें दुख्ख आमकां आसा. पुणून दुसऱ्यांक मरणांतल्यान ओडून हाडपा खातीर ताणें आपलो जीव वगडायलो हाची खोस काळजांत बाळगून आमी मनाची समजूत करून घेतात.' ताचो आवाज कांपतालो.

आमचे दिसपट्टे जिणेंत विंगड विंगड लोकां लागीं आमचो संपर्क येता. तांचें सुखदुख्ख तांणीं सांगल्यारूच समजता. दरेकल्याचे अणभव वेगळे आसतात. केन्नाय दिसता दुख्खान येवचें कपला वयलो तिळो जावन, पोल्या वयलें लाशें जावन न्हय! दुख्खांतूय खोस लिपिल्ली आसता. निर्शेणेंतल्यान जियेवपाची उमेद तातूंतल्यानच मेळटा.

खरें सांगपाचें जाल्यार...

आगाथा ख्रिस्तींचे 'विटनेस' नवलकथेचेर आदारिल्लें मराठी रूपांतरीत नाटक फाटल्या दिसांनी पळोवपाचो योग आयलो. एका तीस वर्सांच्या पिरायेच्या तरणाट्याचेर पन्नाशींतले बायलमनशेचो खून केल्ल्याचो आरोप आसता. खुनाक प्रत्यक्ष गवाय असो कोणूच नासता. खरें सांगपाचें जाल्यार खून त्या तरणाट्यान केल्लो आसता आनी खरें कितें घडलां तें तो ताचे घरकान्नीक सांगता. घोवाक वाचोवपाखातीर घरकान्न फटीचीं पत्रां कोर्टांत सादर करता आनी त्या आदाराचेर कोर्ट तरणाट्याक दोशमुक्त थारायता.

कोर्टांच्या गवायांचे फाटभुंयेर खूब वर्सांसावन गाजिल्लें आचार्य अत्रे हांचें एक प्रसिद्ध नाटक 'तो मी नव्हेच!' लखोबा लोखंडे, कॅप्टन परांजपे, दिवाकर दातार, राधेशाम महाराज अशीं तरेतरेचीं रुपां घेवन हैदर अली नांवाचो मनीस सामान्य लोकांक फटयत आसता. हें प्रकरण खूब वर्सां चलता आनी दुबळ्या गवायांक लागून आरोप सिद्ध जावंक पावना. निमाणें आरोपीकडल्यान निश्पाप आनी भोळ्या लोकांची आनीक फटवणूक जावची न्हय म्हणून भर कोर्टांत आरोपीचो भाव आरोपीचो सुरो भोसकून खून करता.

गवाय, न्यायवेवस्थेंतलो एक म्हत्त्वाचो घटक! जितली गवाय प्रबळ आनी प्रामाणीक आसता तितलीच ती गुन्यांवकारांक मारक थारता आनी सत उजवाडांत हाडपाक मोलाचें काम करता. गवाय चिड्डून, दामून उरली वा फटकुरी आसली जाल्यार केदोय व्हडलो गुन्यांव करून लेगीत आरोपी साव जावन उजळ माथ्यान

भोंवतलो आनी संवसारांत गुन्यांवकारांक भंय आनी धाक उरचो ना.

गवाय म्हणल्यार कितें? दोळ्यांनी पळयिल्ल्या आनी कानांनी आयकल्ल्या गजालींमदीं तितलेंच अंतर आसा जितलें दोळे आनी कानांमदीं! कानांनी आयकल्ली खबर एक वावडी म्हणून सोडून दिवं येता पूण दोळ्यांमुखार पळयिल्ली घडणूक केन्ना फट जावं येता? मनीस जितो आसामेरेन आपणे पळयिल्या घटनांचो गवाय जावन उरता. कोर्ट आनी साक्ष म्हणल्यार आमच्या दोळ्यांमुखार सिनेमांतले कोर्टाचे प्रसंग उबे रावतात. वकील आगळी वेगळी खुबी वापरून, अदीं मदीं गोंदळावन, आडवे तिडवे प्रस्न घालून साक्षीदारांकडसून जाय तींच उतरां वदयतात. साक्षीदार केन्ना भियेवन, केन्ना उचंबळींत जावन जाल्यार केन्ना हुशारकायेन साक्ष दितात.

कायद्याप्रमाण जो मेरेन आरोपीचो गुन्यांव सिद्ध जायना तो मेरेन तो निर्दोश अशें मानचें पडटा. जाय तसो पुरावो आसल्याबगर आरोपीक ख्यास्त फावो जायना. ख्यास्त दिवपाची जाल्यार पुरावो दुबावीत आसचो पडटा. इल्लो लेगीत दुबाव आसलो तरी त्या दुबावाचो फायदो आरोपीक दिवचो पडटा. गवायेच्या तोंडी पुराव्याचेर निंबून ख्यास्त दिवप चुकीचें जावंक शकता. साक्षीदार फट उलोवंक शकतात. पुणून परिस्थितीजन्य 'Circumstantial' पुरावे फटीचे आसूंक शकनांत. अशें म्हणटात की वण्टीक कान आनी दाराच्या कडी आनी खिळयांक दोळे आसतात. देखून निर्जीव वस्तू लेगीत मुखेल पुराव्याच्या रूपान सिद्ध करूंक जातात. म्हज्या भुरगेपणांत 'चंद्र होता साक्षीला' हें नाटक लागतालें. कान दोळे नाशिल्लो आनी उलोवंक येनाशिल्लो चंद्रीम मळबांत बसून साक्ष कशी दितालो, हें कुवाडें म्हाका तेन्ना सुटनाशिल्लें. तशें पळोवंक गेल्यार झाडां-पेडां, न्हंयो आनी दोंगर लेगीत पुराव्याचे नदरेन म्हत्त्वाचे धागे मेळोवपाक फावो आसतात. देखून चड करून तोंडी पुराव्यावांगडा परिस्थितींजन्य पुरावे आसल्यार ख्यास्त दिवप सोंपें जाता. शंबर गुन्यांवकार सुटले तरी हरकत ना पूण एक लेगीत निर्दोश मनशाक ख्यास्त जावंक फावना. आपूण निर्दोश आसां हें सिद्ध करपाची जापसालदारकी गुन्यांकारांचेर नासता. आरोप दवरतल्यान आरोपीवयलो गुन्यांव साबीत करचो पडटा.

न्याय सत्याचेर निंबून आसता. न्यायदेवतेच्या दोळ्यांर काळी पट्टी आसता. जुवीज उक्त्या दोळ्यांनीं न्याय दिता. कोर्टांत गवाय दिवचे पयली साक्षीदाराक

गितेचेर हात दवरून सत्याचो सोपूत घेवचो पडटा. दरेका साक्षीदाराक सरतपासणी, उलटतपासणी, फेरतपणासणी ह्या चक्रांतल्यान वचचें पडटा. फट गवाय दितल्याचेर कायद्याप्रमाण खर कारवाय जावंक शकता. इतलें आसुनयबी सगळ्योच गवायो खऱ्यो कित्याक आसनात? जे मेरेन त्यो फटकिऱ्यो म्हण सिद्ध जायनात ते मेरेन कोर्ट त्यो खऱ्यो मानता आनी ते प्रमाण निर्णय दिता. 'पिंजरा' ह्या मराठी सिनेमांत 'गुरूजी'क सगळो गांव आदर्श मानता. नकळटां गुरूजी एका तमाशांत नाचणारेच्या नादाक लागता. इतले मजगतीं त्या गांवांतल्या समाज विद्वाऱ्याचो खून जाता. आपलें खरेंपण लिपोवपाक गुरूजी आपणाली मुस्तायकी त्या मड्याचेर चडयता आनी आपूण वेशांतर करून पळून वता. तोंड चेंचावन मरून पडिल्ल्या मनशाक गुरूजीचें मडें समजून पुलीस रूप बदलिल्ल्या गुरूजीक खुनी म्हण धरता आनी गुरूजीच्या खुनाक गुरूजीकच खुनी म्हण फांशीची ख्यास्त जाता. इंग्लिश नवलकाणयेवयल्यान तयार केल्लो हो सिनेमा साक्षीच्या उणावाचेर खूब कितें सांगून वता.

आयज संवसारांत गुन्यांवाचें प्रमाण वाडपाचें कारण म्हणल्यार गुन्यांवकारांक गुन्यांव करूं नये म्हणून जो धाक आनी जी भिरांत आसूंक जाय ती उणी पडटा. पुर्विल्ल्या काळांत गुन्यांवकारांक कडक ख्यास्त आसताली.'eye to eye, tooth to tooth' हे धर्तीचेर ख्यास्त फर्मायताले. आरबाती आनी मध्य उदेंती देशांत अशी ख्यास्त चालीक लागल्या देखून थंय खुनाचें वा हेर गुन्यांवांचें प्रमाण खूब उणें आसा. मृत्युदंडाच्या भंयान कितलेशेच खून जावंक पावनात. मृत्युदंडाची ख्यास्त नासली जाल्यार खुन्याक भौसापसून पयस दवरपाचें जाल्यार आनी समाजांत ताचें वायुरप भंयाचें आसल्यार ताका जल्मठेपेची ख्यास्त दिवप हितकारक जावंक शकता. आमच्या देशांत जल्मठेप म्हणल्यार १४ वर्सां मेरेन बंदखण आसता. अमेरिके सारक्या कांय देशांत, जल्मठेपेची ख्यास्त जाल्ल्याक जल्मभर बंदखण सोंसची पडटा. म्हणचेच जल्मठेपेची ख्यास्त जाल्लो मरसर बंदखणींत उरता.

लिओ तॉलस्तॉयचे काणयेंत एक तरणाटो वेपारी वेवसाया निमतान भायल्या गांवांनी भोंवत आसता. ताचे घरकान्नीक एक फावट सपन पडटा की तिचो घरकार धवेंफुल्ल केंसाचो, धवेंफुल्ल खाडाचो म्हातारो जाला. ती ताका काकुळटेक येता की ताणें कांय दीस भोंवडेर वचचें न्हय. तरी तिचें आयकनासतना

तो भायर सरता. दुसऱ्या गांवांत ज्या लॉजांत तो रावता थंय रातींकडेन एक मनशाचो खून जाता. खुनी पळून वता आनी रगतान भरिल्लो सुरो त्या वेपाऱ्याचे बॅगेंत लिपोवन दवरता. त्या पुराव्यावेल्यान पुलीस वेपाऱ्याक धरतात. खुनाचो आळ ताचेर येता आनी ताका मर म्हणसर जल्मठेपेची ख्यास्त जाता.

गवाय सोदून काडप हें पुलिसेचें कठीण काम आसा. संवसारांत गुन्यांवकारांकडल्यान खरें खरें उलोवन घेवपाक पुलीस खातें वेगळ्यो वेगळ्यो पद्‌दती आपणायता. 'Lie detector' हो असोच एक उपक्रम. तो कितले मेरेन येसस्वी जाला हें खबर ना. पूण खऱ्यांनीच जर असो सोद आयलो की 'Lie detector' बसयनाफुडें मनीस मनांतलें सगळें जशाचें तशें, खरें खरें आनी खरें तेंच सांगतलो जाल्यार गुन्यांवकारी सांपडपाक साप्प सोपें जातलें. पुलिशेचो आनी कोर्टाचो खूबसो वेळ वाचतलो आनी गुन्यांव बेगोबेग उजवाडांत येतले. Lie detector शंबर टक्के परिणामकारक जालो जाल्यार ते धास्तीन समाजांतलो जण एकलो सत्यान चलपाक लागलो जाल्यार संवसारांत वेव्हार नीट सोंपे आनी सुसंगीन चलपाक लागतले. सगळे एकमेकांचेर पातयेवन वावुरतले आनी मनशां मनशां मजगतीं मोग, विस्वास, एकचार, भावकी सारकेले गूण वाडटले. खऱ्यांनीच अशें जालें जाल्यार?

सगळ्यां परस वेगळीं

'एकाद्रे म्हानगरींत मनशां शेणटात, खरें म्हणल्यार स्वताकूच शेणोवन बसतात.' खंयचे एक कथा-कादंबरींतलें वाक्य.

पयलेंच फावट बदली जावन मुंबय गावपाक गेलों तेन्ना म्हाका त्या वाक्याचो पुरायपणान अणभव आयलो. एकेच बिल्डिगेंत कितलेच फ्लॅट्स. आशीकुशीक, वयर-सकयल. पूणून कोणाचो पत्तो कोणाक नासता. कोणाक कोणाचें पडिल्लें नासता. एक एकलो आपल्याच नादांत आसता.

सुरवातीक गावपाक आयलों तेन्ना हांव एकलोच गावतालों. दीसभर ऑफिस करून आयले उपरांत रातच्या वेळार घर खावंक येतालें. शेजाऱ्यांक मेळून वळख करची अशें मनांत येतालें. पूण तें जमलेंच ना. दोन दिसां उपरांत सकाळीं फुडें कोणें दार मारलें. भायर चाळिशींतलो एक दादलो मनीस उबो आशिल्लो. 'हांव गजेंद्रन. फुडल्या फ्लॅटांत गावतां. तुमी नव्यानच गावपाक आयल्यांत. केन्नाय कितेंय गरज पडल्यार आमी आसात.' कांय वेळ तो उलयलो आनी गेलो. इल्ली इल्ली ताचे लागीं संवकळ जाली. ताका लागून हेर शेजाऱ्यांची वळख जाली.

मागीर असोच दोन-तीन फावटी तागेर वचपाचो योग आयलो. ताचें कुटुंब आगळेंवेगळें. तो तामिळी. ताची घरकान्न व्हिनिया मंगळुरी. अठरा वर्सां पिरायेचो पूत, सोळा वर्सांची धूव. विशेक वर्सांचो तांचो संवसार नदर लागपा सारको. घोव-बायलांच्यो जोडयो देव वयर बसून जुळयता अशें म्हणटात. दोन तोंकां

वयल्या दोगां जाणांक एकठांय हाडून, तांची घोव-बायलेची जोडी जुळोवन संवसार नांवाच्या खेळांत देव घडये तांची परिक्षा घेता आसतलो! दोगांयचे धर्म वेगळे, भासो वेगळ्यो, रिती-पद्दती वेगळ्यो. इतलें आसून घोव-बायल ह्या नात्यान एकामेकांत पुराय मिसळून आपापल्या तत्वांक-विचारांक मनमेकळीं अशीं मनशां!

ताका साहित्याची आवड. शास्त्रीय गायना कडेन ताची ओड. पूत टेबलटॅनिस खेळगडो. आंतरराज्य सर्तींत ताका वस्तादपण फावो जालां. धूव बऱ्यांतली गावपी. टीव्ही वयले 'सारेगम' कार्यवळींत तिचो वांटो आशिल्लो. 'अरंगेत्रम' कार्यावळींत नृत्यकला सादर करपी. कलेच्यो खुणो घरभर दिसताल्यो. वण्टीर धुवेचो अरंगेत्रमाचो फोटो. राजेंद्राक हिंदुस्तानी संगिताची आवड, व्हिनियाक इंग्लिश पदांची. धूव हिंदी-मराठी गावपी. पूत पियानो वाजोवपी. थंयची एक प्रकारची विविधताय दोळ्यांत भरताली. गंगा आनी यमुना न्हंयो विंगविंगड पर्वतांतल्यान भायर सरतात आनी एकाच हिंदू म्हासागरांत मेळटात. तांकां पळोवन अशेंचशें कितें दिसतालें.

आदर्श कुटूंब जाका म्हणटात तें कशें आसता? त्या कुटुंबांतलीं मनशां खऱ्यांनीच एकामेकांचेर जिवापाड मोग करतात काय ती एक तडजोड आसता? एकामेकाच्या सांगातांत एक-दुसऱ्याच्यो आवडी-निवडी, तांचे बरे-वायट गूण समजून घेवपाची तांकां संवय जाता आनी ती संवय तांचे आंगवळणीं पडटा. ताकाच आमी घडये 'मोग' हें गोड उतर दितात.

हांवें पळयिल्लीं हीं मनशां ताचे परस वेगळीं. आपापल्या क्षेत्रांत वावरून धर्माच्यो-भाशेच्यो शिमो हुपून एकामेकां भितर मिसळून-खेळून रावपी दरेकल्याक ताच्या क्षेत्रांत फुडें वचपाक उर्बा दिवपी हीं मनशां सगळ्यां परस वेगळीं!

काणी एका उपकाराची

मॉर्निंग वॉक, इव्हिनिंग वॉक आतां संवयीचें जालां. घेना जाल्यार चुकिल्लेवरी दिसता. सुट्येच्या दिसांनी वेळाचें बंधन नासता. ताका लागून पयस पयस चलप जाता. ते दिसा अशेंच जालें. नवरात्रां सुरू जालीं. नवरात्रांच्या दिसांनीं चडसो तिळसांजचो जोगलावन पावस पडटा. भायर सरलों तेन्ना मळब चकचकीत आशिल्लें. चलतां चलतां बरेंच फुडें पावलों. अकस्मात जोगलावपाक लागलें. म्हणटासर वाऱ्यासयत पावस शिडशिडपाक लागलो. म्हजे लागीं सत्री नाशिल्ली. हांव आलाशिरो सोदतालों. मुखार दोन तीन घरां आशिल्लीं. एका घराची गेट उक्ती आशिल्ली. गेटीचो आवाज करीत हांव भितर सरलों आनी भायर पडवेर उबो रावलों. घरांत स-सात वर्सांचो भुरगो म्हाका हात करून भितर आपयतालो. हांवें व्हडलेंशें लक्ष दिलें ना. कांय वेळान भितरल्यान जाण्टी बायलमनीस आयली. 'भितर येयात न्हय' तिणें म्हाका म्हणलें. म्हाका भितर वचपाक मुर्वत दिसताली. तिणें आग्रो केलो म्हणून हांव हॉलांत वचून बसलों. ती म्हजे खातीर च्या घेवन आयली. 'तुमी म्हाका वळखलें नात दिसता. फाटीं कांय वर्सां पयलीं आमकां अपघात जाल्लो. तेन्ना तुमी आमकां मजत केल्ली. देवा सारके पावले तुमी आमकां. हाच्या पांयांक बरेंच मार लागलो. देड म्हयनो पांय प्लॅस्टरांत बांदून दवरचो पडलो. दोन म्हयन्यांचेर पुताचें लग्न थारिल्लें. खूब अडचणी आयल्यो आमकां. लग्ना वेळार देवानच उबो केलो तांकां. बोवाळांत तेन्ना तुमचें नांव विचारपाक विसरलीं. तुमचे उपकार आमी

केन्नाच विसरचींनांत' ती एक सारकी सांगीत आशिल्ली.

म्हाका हयन्हयशी याद जाली. सात-आठ वर्सां आदीं सकाळीं ऑफिसाक वतना रस्त्याचेर हांवें एक अपघात जाल्लो पळयलो. स्कुटर आडवी पडिल्ली. चलोवपी पन्नाशेक वर्सांचो दादलो मनीस सकयल पडिल्लो. ताच्यान उठपाक जायना आशिल्लें. वांगडा ताची घरकान्न आशिल्ली. ती काचाबूल जावन आशिल्ली. हांवे तांकां म्हजे गाडयेंत बसयलीं. हॉस्पिटलांत पावयलीं. तांच्या घरच्यांक फोन करून कळयलें. तांकां तांचे सुवादीन करून हांव भायर सरलों.

इतल्या वर्सांनी ती म्हाका म्हज्या तोंडार वळखली. म्हजें नांव तिका खबर नाशिल्लें. हांव तांकां प्रसंगाक पावलों तें तिका व्हडलें जाल्लें. घट्ट याद दवरून ती म्हजे उपकार मानताली. आयचे धांवपळीचे जिणेंत मनीसपणाच्या नात्यान नडी अडचणीक दुसऱ्याक मजत करप कितलें गरजेचें आसता तें म्हाका कळ्ळें. सरभोंवतणी जण एकलो आपल्या कामांत गुल्ल आसतना तातले तातूंत वेळ काडून दुसऱ्याक आदार दिता तें कितले मोलादीक आसता हाचो अणभव हांव घेतालों.

हांव वचपाक उठलों. 'बसात न्हय. हो आता येवपाचो जालो. पूत आनी सुनय येतलीं. तुमची वळख जातली.' तिणें म्हणलें. 'परत केन्नाय मुद्दाम येतां.' हांव उठून भायर आयलों.

आतां पावस पुराय थांबिल्लो. मदीं केन्ना वाऱ्याचो झोत आयलो तशें झाडा वयल्यान उदकाचे थेंब टपटप पडटाले. मळबांतली काजळी आतां उजळूंक लागिल्ली. रातराणीचो मंद परमळ सगळ्याक सुटिल्लो. तो धुंद परमळ तनामनांत सांठयत हांव परतुपाची वाट चलतालों....

खंयतरी.... केन्नातरी....

'म्हजो भाव हांगाच खंयूय आसतलो' पट्ट करून मायकल उलोवन गेलो. उतरां काय तोंडांतल्यान अशीं एकाएकी भायर पडनांत. जें तकलेंत घोळटा तेंच उतरांतल्यान भायर सरता. नकळो आशिल्ल्याक ताचो अर्थ ध्यानांत येना. म्हजें तशेंच जालें. आमी मोटारींन मंगळूराक वताले. हांव फुडल्या सिटार बशिल्लों. फाटल्यान दोग जाण बशिल्ले. उडुपी पावतां पावतां मायकलान, आमच्या ड्रायव्हरान तशें म्हणना फुडें हांव ताका पळयत उरलों. ताका तें कळ्ळें. ताणें ल्हवूच दोळो मोडून कुरू केली. 'मागीर सांगतां' म्हणीत ताणें विशय बदल्लो.

मंगळूराक दीसभराचें काम आशिल्लें. तें सोंपोवन दुसरे दिसा सकाळीं आमी परत येवपाक भायर सरले. येतना आमी दोगच आशिल्ले. उडुपी पावले उपरांत म्हाका ताच्या भावाचो उगडास जालो. तसो हांवें ताका शिटकायलो. कांय वेळ तो अनमनलो आनी मागीर सांगूंक लागलो. उलयतां उलयतां ताचो संवसार ताणें दोळ्यांमुखार उबो केलो.

'आमी फाटलीं फुडलीं पांच भावंडां. आमचें गरीब कुटुंब. पाय शेतांत नाजाल्यार हेर खंयूय दिसवड्याचो वावर करतालो. सगळ्यांत व्हडलो आमचो इरमांव. शिकपाक सारको फाटीं. पायन ताका एक दोन इस्कोलांनीं धाडलो. तो सदांच नापास जातालो. मानायपणाचो वावर करपाक ताका लज दिसताली. पाय तेचेर सदींच धेंगशेतालो. एक दीस चडूच जालें. पाय पुरो जावन घराको यो जाल्यार इरमांव इश्टां वांगडा दुडू लावन इस्पिकांनी खेळटालो. पाय बरोच तापलो.

इरमांव हरशीं मोन्यांनी आयकून घेवपी. पुणून ते दिसा तोवूय खुबळ्ळो आनी घरांतल्यान भायर सरून गेलो तो आयलोच ना. दिसा फाटल्यान दीस वताले. आमी सगळ्याक वासपूस केली. तो हो... वेळ मेरेन आयलोना. हे खबरेक इकरा वर्सां मायझ जालीं. तीन वर्सां आदीं आमकां कोणें एकल्यान येवन सांगलें, तो उडुपी गेल्ले कडेन आमचो इरमांव ताका मेळ्ळो. जिवान बी बरो जाला. दुबय वचपाचे खटपटींत आसलो. आमकां येवन मेळपाचो आसा म्हणून सांगतालो. ते मनशाचेर विस्वास दवरून आमी इरमांव येतलो हे आशेर रावलीं. हांव उडुपी-मंगळूर भोंवन आयलों. खंयच मेळ्ळो ना. ताचो पत्तो, फोन नंबर कितें कितेंच ना. मागीर सोदतलों कसो?' मायकल आकुळपिकूळ जावन सांगतालो.

मनीस आशेचेर जगता. इतलो तेंप मेरेन घर सोडून गेल्लो इरमांव पर्थून घरा केन्नाच कित्याक आयलो ना हें एक कुवाडें आशिल्लें. तो खऱ्यांनीच ह्या संवसारांत आसा काय ना हाचीय खात्री नाशिल्ली.

सगळें आयकले उपरांत हांवें मायकलाक विचारलें, 'तुका कितें दिसता इरमांव परत येतलो?' 'हय तर', ताणें म्हणलें, 'तो खंयूय जाल्यार आसा. केन्ना तरी येतलो... जेजूच्या न्यू टेस्टामेंटांतलो 'प्रोडीगल सन' घुंवन घुंवन परतो पायसरी आयलो तसो... मांय-पाय आमी सगळीं त्या खिणाची वाट पळयतात. सुर्या दिसपाक जाय जाल्यार रात सरूंक जाय. हेवूय दीस वतले.. इरमांव येतलो... सेर्त येतलो. 'गॉड इज ग्रेट...' गळ्यांतली सरपळी ओडून ताणें खुरसाचो उमाव घेतलो....

चिरो चिरो घडोवचो

कांय वर्सां पयलींची गजाल. एका लग्नाच्या रिसेप्शनाक गेल्लों. थंय बरीच गर्दी आशिल्ली. गर्दीन वळखींचे इश्ट-सोयरे मेळटाले. एकलो भुरगेपणांतलो इश्ट मेळ्ळो. वांगडा ताची घरकान्न आनी बारा-तेरा वर्सांचे फाटले-फुडले दोग पूत आयिल्ले. चड तेंपान मेळप जातकच फाटल्यो यादी उचकतात. आमी उलयता आसतना इश्टाचे वळखींचो एक दादलो ताचे सरीं आयलो. इश्टान ताच्या भुरग्यांच्या स्कुलांतले ज्येश्ठ शिक्षक म्हणून ताची वळख करून दिली. एप्रिल म्हयनो सोंपत आयिल्लो. स्कुलाच्या वर्सुकी परिक्षांचे निकाल निकतेच जाल्ले. सगळे इश्टा लागीं ताच्या भुरग्यांच्या निकालाविशीं उलोवपाची उमळशीक आशिल्ली. 'तुमचो व्हडलो पूत. ताचे मार्कस पळयले आसतले तुमी? सगळ्याच विशयांत फाटीं कसो पडलो तो? वर्गांत पयलो-दुसरो येवपी. आतां पयल्या धां भितर लेगीत ताचो नंबर लागलो ना. ताचें अभ्यासांत सारकें लक्ष ना काय कितें? फुडलीं दोन वर्सां म्हत्वाचीं. तुमचो दुसरो पूत. तोवूय तेच दशेचो. येन्नाच कितें तरी करात. एक फावट फाटीं पडिल्लो भुरगो फुडें येवपाक कठीण आसता.'

सर आपलेपणान चार उपदेशांचीं उतरां सांगतालो. आशीकुशीक लोक आसात हाचें भान ताका उरलें ना. कांय खिणा खातीर थंयचें वातावरण बदलिल्लें. दोगांय भुरग्यांचीं तोंडां पडलीं. तांच्या आवयच्या तें मनाक लागलें. निर्शेणी तिच्या मुखामळार दिसताली. सर थंयचो गेले उपरांत ती सांगूंक लागली, 'कांय

जाणांक खंय कितें उलोवप तें कळना. सांगपाची, समजावपाची एक रीत आसता. उतरांचो मार सगळ्यांत वायट आनी तोवूय बी चार चवगां मुखार! भुरग्यांक मारलें आनी तापयलें म्हूण तीं सुदारतात अशें थोडेंच आसा! अशे परिस्थितींत जें तांकां जमता तेंवूय बी तीं करपाक शकनांत. तांचें मानसीक संतुलन सांबाळून तांकां फुडें वचपाची उर्बा दिवप हाचीच खरी गरज आसा.'

कसलीय गजाल उलोवप सोंपें आसता. ती करून दाखोवपाक एक जिद्द लागता. एक आत्मविस्वास! ती जिद्द ती भुरग्यांक दिवंक शकतली? आत्मविश्वास तांच्या मनांत भरूंक शकतली? एक प्रस्नचिन्न! घडये काळच हाची जाप दितलो.

आयज इकरा-बारा वर्सांनी अशाच एका सुवाळ्याक म्हजी तिची भेट जाली. घोवाक येवंक मेळ्ळें ना देखून एकलीच आयली. हांवें तिची खबर घेतली. ''तुमचे पूत कितें करतात?'' हांवें विचारलें. ती मुमुरखी हांसली. ''म्हजो व्हडलो पूत अमेरिकेंत आसता. मास्टर इन कॉम्प्युटर सायन्स केले उपरांत ताणें अप्लायड इकोनॉमिक्सांत डॉक्टरेट घेतली. सद्या मायक्रोसॉफ्ट कंपनींत प्रोजेक्ट इंजिनीयर आसा. दुसरो पूत मॅकॅनिकल इंजिनियर. ताचो ऑटो बिझनेस आसा. हालींच एक मोटार डीलरशिप घेतल्या.'' ती तोंड भरून उलयताली. तेन्नाय बी अशीच जिद्दीन उलयताली. आपल्या भुरग्यांक स्वताच्या पांयार उबे रावपाची शिकवण दिवपाक ती समर्थ जाल्ली.

'चिरा चिरा हा घडवावा, कळस किर्तीचा चढवावा, अज्ञानी तो पढवावा' सुधीर फडक्यांच्या गोड आवाजांतल्या गिताच्यो सुंदर वळी.... आयज ती मेळ्ळी आनी ते शब्द अचकीत ओंठार आयले.

फकत कळवळो नाका!

भोंवडेर वतना हेर सामाना वांगडा मन बरोबर आसूंक जाय. भोंवडेर पळयिल्लें, आयकल्लें, वाचिल्लें ह्या सगळ्यांची रूजवण जावन मन तरतरीत उरता. रानां इतलें महजतायेन तें वाडत रावप ह्यातूंतच भोंवडेची मजा आसता. भोंवडे वयले बरे-वायट प्रसंग काळजांत घर करून बसतात. एक वेगळोच असो अणभव म्हाका एके पयमुल्ले भोंवडेर आयलो.

तरेकवार लोक, ल्हान-व्हड, विंगड विंगड भेसांतले, विंगड विंगड भाशेचे थंय दिश्टी पडटाले. एक मतीमंद भुरगो सगळ्यांचें लक्ष ओढून घेतालो. सादारण बारा-तेरा वर्सांचो आस्पुंय! देहान वाडिल्लो पूणून बुद्द भुरग्यावरी. आपल्या आवय-बापूय आनी भयणी वांगडा आयिल्लो. वता थंय तो नदरेक पडटालो. आपूण जावन फुडें येतालो. बरोबरच्यांक हटकितालो. ताका पळयना फुडें अपुर्बाय दिसचे परस काकुळटच दिसताली.

अशेंच एके सुवातेर आमकां तीं समोरासमोर मेळ्ळीं. 'तुमचो भुरगो शिट्टक आसा. भोंवडेर बरो रमता' हांवें सहज म्हणलें. तो तोंडभर हांसलो. 'विचारता म्हणून रागार जांव नाका. येदी व्हडली भोंवडी ताका कशी झेपता?' हांवें विचारलें. तो निर्शेल्लेवरी जालो. 'तुमी म्हणटात तें सारकें आसा.' ताणें म्हटलें, 'तांचो थकवो फकत हे भोंवडे पुरतो न्हय. उब्या आयुश्याचो थकवो तो! पयलीं पयलीं ताका घेवन खंयूय गेल्यार मुखा वयल्या मनशाचे नदरेंतल्यान दिसता ती काकुळट आनी ते चुरचुरे सोंसचे परस घरांतच रावप बरें दिसतालें. मागीर ल्हवू ल्हवू आमी

ताका भायर व्हरूंक लागलीं. आतां कितल्या वर्सांनी आमी ताका पयस भोंवडेर हाडला. ताणें कसलीच तकालस दिली ना. शाण्या भुरग्यावरी समजिकायेन रावलो आनी कोणेंय ताची काकुळट कित्याक करप? कसलीय वस्त कोणा लागीं नासुयेता म्हूण कितें काकुळट करप? त्या नासपाचो ताचे जिणेंत एक व्हडलो वांटो आसता. तें घेवूनच तो जिणें जियेता.'

तो सामको उचांबळीत जाल्लो. उलयतां उलयतां फाटल्यो यादी काडूंक लागलो. 'अक्षयाच्या जल्मा उपरांत नर्सीन जेन्ना तो कंवळो जीव आमच्या हातांत दिलो तेन्ना ताचो तो विरविरीत स्पर्श, दोळ्यांतली निर्जीवसाण आमकां खंय तरी जाणवली. असलें भुरगें फकत आवयबापायचेंच आसता ही जाणविकाय आमकां तेन्नाच जाल्ली. तो वाडटालो पुणून ताची बुद्द वाडनाशिल्ली. तो कसले स्थितींत व्हडलो जातलो हें येवजूनच आमकां न्हीद लागनाशिल्ली. सैम अपंगूळपण दिवनच असल्या भुरग्यांक जल्माक घालता. तांणी केन्नाच वाडुंनये हो सैमाचो हेतू आसता. आमी ताचे आड झगडत रावतात. ताच्यो यातना, दुबळेपण पयस करपाचे यत्न करतात.

पयलीं पयलीं आमी त्या जिवाचो दुस्वास केलो तो केलो. आमचोय दुस्वास करूंक लागलीं. मागीर आमी निश्चेव केलो, खंयचेय परिस्थितींत अक्षयाक फुडें फुडें वचपाक शक्त दिवप. ताका उमेद दिवप. देवाचे कृपेन अक्षय आतां खूब खूब सुदारला. संवसार वळखूंक शिकला. अपंगूळपणाचेर मात करून नितळ आयुश्य घडोवप ही मोख आमी ताचे मुखार दवरूंक सोदतात.'

तो उलयतालो, मन सोडून उलयतालो. इल्लेशे भेटेंत आमचे लागीं आपलेपणान उलयतालो....

जिवांत जीव आसासर...

'टायटॅनिक' ह्या इंग्लिश सिनेमांतलो एक प्रसंग काळजाक लागता. ह्या सिनेमाची नायिका रोझ उंचेले समाजांतल्या बुरसट विचारांच्या लोकांक वाजेल्ली आसता. कार्लोस ह्या तरणाट्या वांगडा तिचें काजार थारिल्लें आसता. तिका तो मनापसून आवडना. तिचे घरचे लोक बळयां तिका ताचेच लागीं काजार जावपाक प्रवृत्त करतात. ते निर्शेणेंतल्यान ती बोटी वयल्यान उडी मारून जीव दिवपाक वता. तेन्ना ते बोटीवयलो एक भोंवडेकार जॅक आपलो जीव धोक्यांत घालून तिका वाटायता. तिका समजायता. तिची खंत समजून घेता. तिका जियेवपाची उमेद दिता. आपले अणभव उक्तायतना तो सांगता, ''जीण एक देवाची देणगी! जशी जाच्या वाट्याक येता तशी ताणें आपणावपाची. फुडें कितें दवरलां हें पळयतना फाटल्यान पळोवन पस्तावचें न्हय! दरेक खीण आगळो! जाता तितलो बरे तरेन उपभोगचो. (Make each moment a pleasant one)

ह्याच सिनेमांतलो एक मनभुलयणो देखाव! टायटॅनिक बोटीचे एके कुशीक दोन मोगी उबीं आसात. ती ताच्या गोपांत. दोगांयची नदर मळबार थिरावल्या. शितळ वाऱ्याची झुळूक तांच्या आंगांआंगार खेळटा. माथ्यार निळें निळें मळब, सकयल खोल दर्या. दोगांय जाणां दोनीय हात वयर करून कोणाक तरी येवकार दितात. घडये सगलें सूख, सगळी खोशी आपल्या लागीं येवची म्हणून तीं ताका आपयतात... घडये नवे जिणेक येवकार दितात.

जिणेंतले आगळे वेगळे खीण. एक निर्शेणीचो, उदासीनतायेचो. दुसरो

खोशेचो, उमेदीचो. खीण बदलतात तशी जियेवपाची तरा बदलता. ल्हान मोट्या वायट घडणुकांनी मनाची शांती इबाडटा. मन आकुळपिकूळ जाता. ताण सोसूं नजो जाता. मन एके दुविधेंत सांपडटा. शेक्सपियराच्या हॅम्लेटा भशेन To live or not to live अशी मनस्थिती जाता. तेन्ना प्रस्न पडटा हें जिवीतगाणें संगिताचे एकेच लयेर, एकाच सुरार कित्याक गावचें न्हय? जिवांत जीव आसासर आयुश्यभर धडपडपाचें जाल्यार एकेच गतीन कित्याक चलचें न्हय?

जियेवप एक कला, कसब! साप्प थोड्या लोकांक जिणेचो आंवाठ समजला. जे प्रमाण मनीस संगितांतलें वाद्य वाजोवंक शिकता वा गाडी चलोवंक शिकता तशें जियेवपाचें कसब शिकूंक जाता व्हय? आजचे पिळगेक घडये जियेवपाची रीत कळूंक ना. कारण तें शाळेंत शिकयनात. ताका लागून संवसाराचो नित्यक्रम आमच्या जाणटेल्यांनी घालून दिल्ले पद्दतीचेर चलता. देखीक-शेतकामत्यालो भुरगो शेतकामांत, खारव्यालो भुरगो नुस्त्याच्या वेवसायांत, थवयाचो भुरगो मेस्तकामांत अशा पारंपारीक वावरांत रूची घेतात. ही प्रवृत्ती आतां इल्ली इल्ली बदलत चल्ल्या. आतांच्या सर्तीच्या युगांत लोक यांत्रीक वावरांत घुस्पल्यात. दरकेल्याक कामाचें बंधन आसता. काम पुराय करपाचो धाक आसता. ताका लागून तो सकाळसावन रात मेरेन धांवांधांव करीत उरता. आमकां दिसता, आमी ताकतिकेन आनी बेगोबेग काम करिनात जाल्यार तें कामच न्हय. ताका लागून जो तो धांवत आसता. हाका लागून अपघात वाडटात, भलायकी इबाडटा आनी नसत्यो पिडा वाडूंक लागतात. ताण तकालसाचो भार लादून घेतिल्ल्यान संवसारांत खूबशा लोकांनी कामाची खोशी वगडायल्या. असल्या वेळार काम सोडून सुशेग सोदपाची तांची वृत्ती जाल्या. ताका लागून चडशे जाण सप्तकाची सुटी, रजा, परब हाची वाट पळयत आसतात. कांय लोक अकालीक निवृत्तीचो लाव घेवन पळवाट काडूंक दोसतात. पूण हें बराबर न्हय. जो कामांत खोस आनी मनाची शांतताय मेळोवंक शकना तो काम सोडून कशी मेळयतलो? संवसारांत दोन तरांचे लोक आसतात. पयले जे सदांच कामांत कार्यरत आसतात. सदांकाळ कामांत पडून मनाची शांतताय इबाडटात. दुसरो वर्ग शांतताप्रीय, समाधानी जो सुस्त, मंद आनी चड करून संपन्न जावंक पावना.

संवसारांत अशे लोक आसूंक जाय जे कश्टी, धाडशी आसून मौजमजा करूंक शकतात. जाका जिणेचो अर्थ, हेत कळटा तोच बरे तरेन जियेवंक शकता.

अशें म्हणटात की जिणेचो अर्थ समजता मेरेन अर्दी जीण सोंपिल्ली आसता. दरेक मनीस आगळे वेगळे गूण घेवनच जल्माक आयिल्लो आसता. जण एकल्या भितर लिपल्यात भोव बरे अनवळखी गूण! तांकां उजवाडांत हाडल्यार येता जिवीतांत सोबा. 'मोनालिसा'चो निर्मातो लिओनार्ड दा विन्सी कुरूप दिसतालो. पूण ताच्या पिशोलान ताणें सगल्या संवसाराक भूल घाली. कोलंबसान अमेरिका सोदून काडली. त्या वेळार जर तो फाटीं सरिल्लो तर कोणूच ताका शिणचो नाशिल्लो. पूण इतिहासांत ताचें नांव केन्नाच जावचें नाशिल्लें.

जण एकलो दुसऱ्या विशीं न्हय स्वताविशीं चिंतता. समाजांत खांची कोनशांतल्या लोकां लागीं पावपा खातीर सगल्यांत पयलीं संवसार वळखूंक शिकपाक जाय. अनवळख्यांचें गिन्यान वळखींतल्यान कळटा. दोन वर्सां पिरायेर एके खर पिडेन कुड्डी आनी भेरी जाल्ली हेलन केलर फुडें अमेरिका फांवडेशन फॉर ब्लायंड हे संस्थेची मुखेल प्रवक्ता जाली. तिणें सांगलां तशें, 'संवसारांतल्यो बऱ्यो, सोबीत वस्तू पळोवन कळनात. त्यो काळजांत आसपावच्यो पडटात.' संवसार वळखुपाखातीर मनीस आनी मनीसपणाचें नातें सोदून काडचें पडटा. सरळ सारक्या जिणेचीं तत्वां शिकचीं पडटात. सुवार्थ सोडून निसुवार्थ सोदचो पडटा. वैयक्तीक सोडून भौसाक पसंती दिवची पडटा. तेन्नाच मनीस जिणेंत शांतताय आनी खुशालकायेची तेंगशी गाठूंक शकता. प्रसिद्ध साहित्यकार प्रा. अनंत काणेकार हांणी 'दो मोमबत्तीयाँ' निबंदांत तांच्या दोन इश्टांचें दर्शन घडयलां. गिरेस्त इश्ट जो सदांच आपणालो वेव्हार, वेवसाय आनी संपत हातूंत कार्यमग्न आसता. ताच्या माथ्यार सदांच हुस्क्याचें वझें! कर कसो चुकोवचो, लुकसाणी कशी वांटावची असल्या खंतींत ताची भलायकी थीर उरना. दुसरो समाज सेवक इश्ट जाका स्वताचो हुस्को नासता, आपल्या कामाची तिशठत नासता आनी जो सदांच भौसा खातीर वावुरता, भौसाचें दरेक येस, दरेक जैत ताका मुठमूठ शक्त दिता. प्रा. काणेकारान ताच्या गिरेस्त इश्टाची तुळा मेणवाती वांगडा केल्या जी स्वता खातीर जळटा आनी समाज सेवक इश्टाची तुळा दुसरे मेणवाती वांगडा केल्या जी काळखांतल्यान उजवाड दिवपाक जळटा.

आयुश्यांत चडशे लोक मोख बाळगून जीण जगतात. विद्यार्थी जावं खेळगडो, राजकारणी जावं वेवसायीक. दरेकल्याचे यत्न आसतात नांव जोडपाक, संपत मेळोवपाक, अधिकार आनी उंचेले पांवडे आपणावपाक! हें सगलें संपादन केलें

की तांची इत्सापुर्ती जाता आनी जर तें साध्य जालें ना जाल्यार तांचे भितर एक उदासपण येता. ही उदासीनता घडये तांकां जिणेंतल्यान उठोवंक कारण जाता. संवसार भलायकी संघटनेचे कळोवणे प्रमाण संवसारांत दर वर्सा १० लाखां वयर लोक जीव दितात. झुजाक आनी खुनाक लागून वट्ट जितले लोक मरतात ताचे परस हो आंकडो चड आसा.

जिणेंत मोख आसची, पूण अतिताय जावची न्हय! जेन्ना जेन्ना निर्शेणी येता तेन्ना अध्यात्माची मजत घेवची. समाजांत वास्तवीक आनी अध्यात्मीक दर्जांत खूब व्हडलें असंतुलन आसा. वाडटे पिरायेचे लोक अध्यात्माक म्हत्व दितात. हालींसराक भुरगे पिरायेचे लोकांचो कल अध्यात्मा लागीं वचूंक लागला. चिंतन, मनन, प्रार्थनेन मनाक सुशेग फाव जाता अशें दिसून आयलां. आख्ख्या जगान जरी न्हयकारलें तरी, देवाचें नांव घेवन मनीस फुडें वचूंक लागला. समाजशास्त्राच्या नियाळा प्रमाण अध्यात्मीक लोक वास्तवीक लोकां परस बरी मानसीक जीण जियेतात.

मन नाजूक आसता. खडपावरी काळीज लेगीत विरघळटा आनी संवसार बदलूंक लागता. राजा अशोकान कलिंग झुजांत जैत तर मेळयलें पूण जो रक्तखेव आनी नासाडी ताणें स्वता अणभवली ताचो परिणाम असो जालो की राजा 'राजकी जोगी' जालो. ताणें बौद्ध धर्म आपणायलो आनी वाडयलो. राजकुंवर सिद्धार्थान तर ल्हान पिरायेचेर घरदार, राज्यकारभार सोडलो आनी गौतम बुद्ध जालो. वास्तवीक जिणेंतल्यान अध्यात्मीक जीण जियेवपाच्यो ह्यो कांय झणझणीत देखी.

जे लोक संवसारा वांगडा जुळोवन घेवंक शकतात अशेच लोक चड पिराय जगूंक शकतात. फाटल्यो यादी काडून खंती जावचे परस सोबीत फुडार येवजुपी चड पिराय जगतात. वाडटे पिरायेच्या लोकांक दोतोर 'Hurry, worry and curry' म्हणल्यार ताकतीक, हुस्को आनी उशण मसालेदार आहार हांचे पसून सादूर रावपाक सांगतात. जाण्टी पिराय आमी नाखोशेन आपणायतात. हे पिरायेचेर कूड थकता, गात्रां दुबळीं जातात, नदर मंदावता, याद उणी जाता आनी सगले तरेच्यो पिडा बादूंक लागतात. जाणटेपण आमी थारावंक शकनांत. पूण भलायकेची काळजी घेवप, वायट वेसनांच्यो सवंयी मोडप, जाय तितली थाकाय घेवप, बरो आहार घेवप अशें केल्यार जाण्टे पिरायेचेर बरी जीण जगूंक शकतात.

म्हातारपणांत वान्सा उण्यो जावंक लागतात. आदलें बळगें सोंपिल्लें आसता. आपले कवितेंत कवी भा. रा. तांबे इश्टां-सोयऱ्यां लागीं मागतात, ''आज मेरेन फुलांच्या दोण्यांतल्यान तुमकां हांवें म्होंव पिवयलें. तुमकां दिवपाक म्हजे लागीं कांयच उरूंक ना. देव पुजे खातीर दुदाची एकच वाटी सांबाळून दवरल्या. जें हांवें तुमचे खातीर केलां ताची याद दवरात आनी म्हाका तुमचो मोग दियात.'' अशे कितले जाणटे लोक आसात जे पिरायेन थकले तरी मनान तरणाटे आसात. साठी सत्तरी पार केली तरी अजूनय पंचवीस तीस वर्सां आमच्या हातांत आसात अशें उमेदीन म्हणीत, नवीं आव्हानां मुखार दवरून सगल्यां वांगडां हांसत खेळत रावन खोशेन जियेतात. बस्स! यही है कमाल की बात । आसा तातूंत सूख मानून घेवप हेंच जिणेंतलें व्हडलें सूख.

कितलें खरें... कितलें फट!

'सर, कॅन्टीनांतल्या भुरग्याचेर सळसळायिल्लें उदक पडलें आनी ताचें आंग बरेंच भाजलां' ऑफिसांतल्या शिपायान म्हाका येवन सांगलें तशें हातांतलें काम तशेंच सोडून कॅन्टीनांत हांव ताका पळोवपाक गेलों. इकरा-बारा वर्सांचो भुरगो बाज्जेर एके कुशीक न्हिदिल्लो. ताचो दावो हात आनी दावी जांग धोंपरा मेरेन काळी निळी जाल्ली. भाजिल्ल्या आंगार मलमपट्टी केल्ली. दुखीन ताका जोर आयिल्लो आनी तो एकसारको परवतालो.

आमकां पळोवन कॅन्टीनाचो कॉन्ट्रेक्टर तारानाथ आमचे सरीं आयलो.

'केन्ना घडली ही गजाल?' हांवें ताका विचारलें.

'आयज दनपरां. बाबू स्कुलाक सावन आयलो, जेवलो. च्याचो तोप गॅसार दवरिल्लो. हो नाका म्हणटा आसतना तोप काडपाक गेलो. ताच्या हातांतली गावी निसरली आनी सळसळिल्लें उदक ताच्या आंगार रकलें. रोखड्या रोखडो ताका हॉस्पिटलांत व्हेलो, आंगा वयले फोड निकते फुलताले. ते निवळ करून ताका टिटेनस इजेक्शन दिलें. मलम आनी गुळ्यो दिल्यात. दोन आठवडे ताका आराम करपाक सांगलां.'

'इतलें जालें आनी तुवें आमकां कळयलेंना?' हांवें विचारलें.

'आमी व्हडलो बोवाळ केलो ना. हांगा वा म्हणल्यार वार्ता जाता आनी लोक कित्याचे कितेंय उलयतात. बाबू म्हजो पुतणयो. बरो शिकचो म्हणून आवय बापायन ताका म्हजेसरीं धाडला. हांव ताका पातयेना. तरी लेगीत कितेंय

ापाक फुडें सरता आनी मागीर हें अपसरण आंगार येता. तुमी कोणाक म्हणू ाकात. बाबू रोखडोच निवळटलो.' ताणें सांगलें.

तो उलयता तें बरोबर आशिल्लें. एकेवटेन ताका बाबूचो हुस्को आशिल्लो. सर वटेन तो ताच्या धंद्याचें चिंततालो. कोणेंय वयर कागाळ केल्यार प्रकरण ाचेरूच शेकपाची भिरांत आशिल्ली.

'नागनाथ सांगता तें सगळें सत मानूं नाका. बाबू ताचो पुतणयो न्हय. गांवांतल्या एका भुरग्याक बरें शिकयतलो म्हणून फुसलावन हाडला. दोन वेळचें जेवण दवन तो ताचे कडल्यान कामां करून घेता.' कोणें कोणें म्हाका येवन सांगलें. आतां कोणूच उलयता तें कितलें खरें आनी कितलें फट हाचो अदमास लागना. नागनाथ येदेंशें तोंड करून सांगतालो. हे लोक ताच्यो चाडयो करताले. पूण सत केन्नाच लिपना. केन्नाय तरी उजवाडांत येता हाचो अणभव म्हाका रोखडोच आयलो.

पांच स म्हयन्यां उपरांत स्कुलांच्या परिक्षांचो निकाल जाले उपरांत एक दीस सकाळीं बाबू म्हाका मेळपाक आयलो. 'सर, हांव पास जालों.' 'अरे व्वा. अभिनंदन.' हांवें ताका परबी दिली. 'सर फाल्यां हांव गांवांत वतां. परतून आनी येवचों ना.' 'कित्याक रे, तूं हांगा शिकपाक आयिल्लो न्हय?' हांवें विचारलें. 'कितें सांगूं! अंदू आवाशिवा करून पास जालों. बरें शिकतलों म्हणून आयिल्लों. हांगा तें जमचेंना. आमच्या गांवांत हेर भुरगे शिकतात तसो शिकतलों. गांवांत आमची शेती आसा. ज्वारी-बाजरी पिकता. आपलें घर आपूण राजा! आयुश्यांत सगळ्यांक अस्तवें मेळना. केन्नाय कुडके कुडके मेळटात. आमी तें एकठांय करून गवतात. तातूंतच जियेवपाची मजा आसता.' चार पावसाळे काडिल्ल्या जाणट्यां भशेन तो उलयतालो.

तो सांगतालो तें शब्दान शब्द खरें आशिल्लें. फट कांयच नाशिल्लें. एकेच नदरेंत म्हाका ताची खात्री पटली.

❀❀❀

नवें सपन.... नवी वाट

बेंगळुरू-गोवा एक्सप्रेस यशवंतपूर स्टेशना वयल्यान सुटली तेन्ना आमचो डबो चडसो भरिल्लो आशिल्लो. म्हाका सकयलो बर्थ मेळिल्लो. मुखा वयलो बर्थ रिकामो आशिल्लो. दनपारचो साडेतीन वरांचो वेळ. भायर मळब भरून आयिल्लें. पावस पिरपिरतालो. पेपर वाचतां वाचतां म्हाका लकणी आयली. निकतो दोळो लागता म्हणटासर गाडी एका स्टेशनार थारली. भितर सरतल्या पॅसेंजरांची गडबड कानार पडटाली. मुखावयल्या सिटार एक तरणाटी येवन बशिल्ली. जनेला वटेन तोंड करून कोणा लागीं उलयताली. हांवें सहज भायर नदर मारली. गाडी 'तुमकूर' स्टेशनार थारिल्ली. हांव उठून बसलां तें पळोवन भायर जनेला लागीं उबे आशिल्ले अस्तुरेन म्हजे वटेन नदर घुंवडायत म्हाका विचारलें 'आर यू गोइंग टू गोवा?' हांवें मान हालयली. 'शी इज माय डॉटर. शी इज गोइंग टू गोवा. शी इज अलोन. प्लीज गाईड हर.' तिणें म्हाका म्हणलें. म्हज्या दोळ्यां वयली झापडी तशीच आशिल्ली. तशेय स्थितींत हांसत हांसत हांवें तिका जाप केली. 'डॉन्ट वरी. आय व्हील हेल्प हर.'

न्हीद काडून उठलों तेन्ना साडेपांच वरां जावन गेल्लीं. हांवें मुखार पळयलें. ती तरणाटी वाचपांत गुल्ल जाल्ली. सामकी कंवळे पिरायेची. तांबसो गोरो रंग. गोल तोंडावळो, सरळ बांकदार नाक. हांवें तिका हटकिली तशी ती हांसली. सुरवातीक ती आंखुडिल्ले भशेन जाली. मागीर थोड्या वेळान संवकळीन म्हजे लागीं उलोवपाक लागली. ती निकतीच एम. बी. ए. पास जाल्ली. गोंयातले

के नामनेचे कंपनींत नोकरेची मुलाखत दिवपाक वताली. अडेच म्हयन्यां आदीं तिच्या बापायक काळजाचे पिडेन मरण आयलें. फाटलो भाव आय. आय. टी. बंगळुरूंत शिकतालो. घरची गरीब परिस्थिती. बापायच्या अकालीक मरणाक लागून तिच्या कुटुंबाचेर कठीण प्रसंग आयिल्लो. घरांत जोडपी कोण नाशिल्लो. बापायन भुरग्यांक शिकोवपा खातीर रीण काडिल्लें. ताका लागून तिका नोकरेची नामकी गरज आशिल्ली. हांवें तिका थोडे भितर गोंयची म्हायती दिली. तशी ती बरीच शिट्रक. आपले एके इश्टिणीक फोन करून गोंयांत एक दीस रावपाची तिणें वेवस्था केल्ली. सकाळीं फुडें गाडी मडगांवां पावली तशी 'बाय बाय' करीत ती आपले वाटेन गेली.

म्हयन्या उपरांत एक दीस म्हाका एक फोन आयलो. 'सर, आय एम भावना.' कोण भावना, हांव याद करूंक लागलों. 'सर व्ही मेट इन बेंगलोर ट्रेन.' म्हजी ट्यूबलायट पेटली. 'सर आय गॉट द जॉब. व्हेरी गूड पॅकेज' ती उमेदीन सांगताली. कितलो वेळ उलयत आशिल्ली. तिच्या भावाक अमेरिकेंत फुडलें शिकप घेवपा खातीर स्कॉलरशिप फावो जाल्ली. मागीर ती आवयक गोंयांत आपले सरीं हाडपाची तजवीज करताली.

काळ हें सगळ्याचेर वखद म्हणटात तें फट न्हय. कितले बेगीन मूळ दुख्खा पसून आमी पयस वतात! ही जादू आमकां कोणें शिकयली? तिच्या बापायच्या मरणाचें दुख्ख ताजें आशिल्लें. तें सगळें सोंसून आपल्या पांयार उबी रावपाक ती धडपडटाली. फुडारचें नवें सपन मनांत बाळगीत... फुडें वचपाची नवी वाट तिणेंच सोदून काडिल्ली. फोना वयलें तिचें उलोवप... आत्मविस्वासान भरिल्लीं तिचीं उतरां केदो वेळ मेरेन म्हज्या कानांत घुमतालीं...

❀❀❀

जियेवपा खातीर...

जीने के लिये सोचा ही नहीं दर्द सम्भालने होंगे..

मुस्कुराएँ तो मुस्कुराने के कर्ज उठाने होंगे..

म्हान कवी गुलजार हांच्या मासूम सिनेमांतल्या गिताच्यो दोन अर्थपूर्ण वळी! जेन्ना जेन्ना हें गीत आयकतां तेन्ना तातूंतलो अर्थ सोदपाचो यत्न करतां.

जगपाक जाय जाल्यार आयुश्यांत दुख्ख सांबाळूंक जाय. हांसपाक जाय जाल्यार हांसपाचें रीण काडूंक जाय! मनांत एक प्रस्न पडटा, जगप इतलें कठीण आसता? मागीर मनीस जगता कसो? सुख-दुख्खाच्या आपालिपाच्या खेळांत निमाणें मेरेन तग धरता कसो?

संतांनी सांगलां, 'सुख पाहातां जवापाडे, दुःख पर्वता एवढें' खऱ्यांनीच दुख्ख पवर्ता येदें आसता? तशें तें नासुंये बी! मागीर तें येदें व्हडलें कित्याक दिसता? जाप सोंपी. सूख सदांच जाय जायशे दिसता आनी तें जर जाय तशें फावो जालेंना जाल्यार जिणेंत एक उदासपण येता. ते निर्शेणेंतल्यान जें मेळटा तें सूख कुस्कुटा समान आनी भोगता तें दुख्ख पर्वता येदें दिसूंक लागता.

कांय खीण अशे येतात जे मनशाक मुखदुर्बळ करतात. कांय अश्यो घडणुको ज्यो अनिश्चीत जिणेची जाणविकाय करून दितात.. तो आडखळटा. आपट्टा.. भितरल्या भितर घुस्मट्टा... आयज मेरेन केलें तें व्यर्थ... सगळें सगळें सोंपलें.. दुख्ख खोल खोल रूतलां... कितें करप? त्यो यातना, ते हुस्के, त्यो पिडा फोंडकुलांतल्या चिखलावरी सांचोवन दवरप काय ताचो मळ उसपून उतरांच्या...

दुकांच्या... उमाळ्यांच्या रूपान तांका भायर वचपाची वाट दिवप? जें म्हज्या हातांत नां ते खातीर खंती जावप काय जें म्हजे मुखार आसा तें जिणें आपणावप? तातूंत नव्यान अर्थ भरप!

खंयच्याय धपक्यान पयलीं मनीस खचता. त्या मानसीक धक्क्यांतल्यान तो सुरवेक नेटान उबो रावपाचो यत्न करता. ल्हवू ल्हवू फुडलें पावल घालता.. एकसुरो फुडें वचपाचो यत्न करता... सोयरे धायरे आपापल्या कामांत.. अपेसाचो पयलो परिणाम लोकां पसून पयस रावपाचो.. तरी लेगीत आपणेंच आपल्याक बळगें दिवपाचो. होच कसवटेचो खीण.. ह्या पडमूर संवसारांत लाचार, बाबडो गरन उपकारना. आपल्याक समजून घेवपी उणे.. तातले तातूंत मेळटात मजतीचो हात फुडें करपी.

..मन शांत दवरून फुडें वचप भोव गरजेचें... दुख्ख कोणाक चुकता? दुख्ख आसा म्हणूनच सुखाक गोडी फावो जाता. ताजी, रसरशीत सुखदिणी फांतोड अणभवपाक काळोकीट्ट रात आसूंकूच जाय आनी रात लेगीत कितली सोबीत? रातराणयेच्या परमळांत धुंद जाल्ली, मंद शितळ वाऱ्यांतली. चान्न्याचे रातीची गोडी तरी धादोसकायेची! नवी सकाळ उदेता हातांत हात घालून नाचतल्या अगणीत किरणां वांगडा... रंगरंगयाळ्या सवणांच्या शिळोवण्यां वांगडा. नव्या दिसाक येवकार दितना जाल्ल्या गेल्ल्या वायट प्रसंगांक विसरून सुखा समाधानाच्या नव्या पर्वाची सुरवात करूंया...

❀❀❀

म्हजें कितें चुकलें?

अचकीत केन्ना मन सुसाट धांवत सुट्टा. वेळाकाळाचें भान दवरिनासतना. यादींतल्या खिणांची उजळणी करीत, एका विशिश्ट कांट्यार येवन थिरावता. दुर्बिणींतल्यान पळयतना पयसुल्ली भोंवतड लागसाराक दिसची तशे वर्सां पयलींचे खीण पटापट दोळ्यां सामकार नाचूंक लागतात... सुदीपाच्या पुताची लग्नपत्रिका हातांत पडली आनी खिणा भितर पस्तीस वर्सां पयलीचे दीस ताजे तट्टटीत जावन धुमशेणां घालूंक लागले... पदवी मेरेनचें शिकप जाले उपरांत नोकरे खातीर मुंबयच्या विशाळ शारांत वचपाचो योग आयलो. नवी सुवात, नव्या लोकां वांगडा ताळमेळ बसयतना नव्यो इश्टागती जोडल्यो. कांय नातीं मना मनांची आसतात. रानफुलावरीं अनवळखी जाग्यार किल्लतात. आपशींच रुजतात. घसघशीत वाडटात. सुदीपाची आनी म्हजी इश्टागत वाडत गेली. वेगळेगळ्या शारांत आमच्यो बदल्यो जाल्यो. ऑफिसाच्यो वाटो बदल्ल्यो, पूण मनाच्यो वाटो सासणाच्यो उरल्यो.

घडणुको अनपेक्षीतपणान घडटात. मुखेल रस्तो ना जाता आनी वेगवेगळ्या मोडणांचेर आमी कशे पावतात तेंच कळना... लजेस्त, थोडेंच उलोवपी सुदीप ऑफिसांतले चलयेच्या मोगांत पडलो... दोन दिसांचो सांगात एके वेगळेच धुंदींत... दोन काळजां एकठांय आयिल्लीं पूण दोन मनशां एक जालीं नांत. घरचेच लोक आड आयले आनी एक मोगाची काणी अर्दकुटी उरली.

पळयतां पळयतां झाडाचीं पानां हळडुवी जातात. भरभर गळून पडटात.

कांय काळ झाड बोडकें बोडकें... मागीर इल्ले इल्ले कुकुले तुरे फुटटात. तांचीं पानां केन्नां व्हडलीं जातात तें कळना. म्हणटा म्हणसर झाड पांचव्याचार पानांनी सरसता. सुदीपाचे जिणेंत नवें पान उगडलें. आज ताच्या संवसारांत तो सुखी आसा... बऱ्या हुद्यार आसा. बंगलो, गाडी... कर्तृत्वी भुरगीं... खांद्याक खांदो लावन वावुरपी घरकान्न. तरी लेगीत एके चुकीची खंत सुदीपाचे नदरेंतल्यान केन्नाय उकती जाता.. आज मेरेन जें भोगलां ताची याद जाता. तातूंतलें बरे वायट याद जाता आनी मन पयसुल्ले अनवळखी वाटे वयल्यान संवकळीच्या वाठारांत वता... जें एका वेळार आपलें आशिल्लें आज परकी परकीशें दिसता. भियेत भियेत उपभोगिल्ले ते ख्रोशेचे खीण, उमाशेंतल्या काजुल्यां सारके भोंवतणी घुंवत रावतात. दोन दिसांच्या सांगाताची गोडी चाखतना अर्दकुटे सांबाळून दवरिल्ले मोर्बीत खीण एकसारके फाटीक लागतात. सोडून दिल्ले वाटे कडेन फाटल्यान पळोवचें न्हयशें दिसता. पूण मन परत परत खाता. अशें कित्याक जालें? म्हजें कितें चुकलें? म्हाका वाट चुकली काय हांवें चुकयली? आज मेरेन जें सुख भोगल्यां ताचे परस जें भोगलें ना हाची दुगदूग जाता आनी मन बेजार जाता.

अशा वेळार याद जाता, मराठी कवयित्री इंदिरा संत हांची कविता,

किती वाटा चुकल्यामुळे चुकलेल्या
चुकवल्याने न भेटलेल्या राहूनच गेलेल्या
किती चुकामूक... हे सगळे एक वेगळे जग
आपलेच पण आपल्या शिवायचे...

❀❀❀

हो कोण चित्रकार?

हालींच मुंबय गेल्लों तेन्ना म्हज्या एका इश्टाक मेळपाक ताच्या घरा गेल्लों. एकोणीस वर्सां पिरायेचो ताचो पूत एक बरो चित्रकार. जे. जे. स्कूल ऑफ आर्ट्स संस्थेंत तो शिकप घेता. शालेय आनी हेर सर्तींत ताका इनामां फावो जाल्यांत. सहज ताचे अभ्यासिकेंत भितर सरलों. थंय ताका कॅनव्हासाचेर काळे थिपके रंगयतना पळयलो. सट्ट करून पळयल्यार अशें दिसतालें की तो चितारता तें कशायकशे ओडिल्ल्या काळ्या तिब्यांचो एक चोंबो कसो! कांय खिणांत ताणें ताचे भोंवतणी कांय आरत्यो परत्यो ओळी ओडल्यो. मदीं अंतर दवरून कांय सल्प विराम घाले. मदल्या सुवातींनी तांबडे, निळे, पाचवे, हळडुवे रंग भरले. आनी कितें अजाप! म्हणटासर ते काळे तिबे एकाएकीं संगीतांतले सोबीत स्वरटिपण कशे दिसूंक लागले. हातांत हात घालून तालांत नाचतल्यो सोबीत नर्तक्यो कश्यो!

चिताऱ्याची चितारपाची कला तोखणाय करी सारकी! वण्टीर चारूय वटेच्यान तरेकवार रंगांतलीं सोबीत चित्रां नदरेक वतालीं. निळ्या निळ्या मळबाचेर सातरंगी इंद्रधोणू, अस्तमेक शांत मंद गाजता तो दर्या, ताचे वयर तांबडो गुंज सुर्या! रसरशीत पाचवेंचार पोरसूं, जंय रूखार बसून गायतात रंगरंगयाळीं शेवणीं. शिळोण्यो घालीत आमच्या काळजामेरेन आनी उडून व्हरतात आमकां कल्पनाशक्तीच्या प्रदेशांत!

व्यक्ती चित्रां तर कितलीं सोबीत! हीं चित्रां हातांतल्या पिशोलान पितारल्यांत हाचेर विस्वासूच बसना. हेंच तर चितारप्याचें कसब! आपल्याक जाय तशें, जाय तेन्ना तो घडयता. हांसऱ्याक रडो करता... रडक्याक हांसरो! सैमाक जाय तशे रंग भरता... केन्ना पाचवीचार रूखावळ, केन्ना वसाड रान, केन्ना उदेंतीचो तांबडो गुंज सुर्या, केन्ना पुनवेच्या आंगणांत चान्याचो शिताडो! खीणभर मनांत आयलें आमची जीण अशीच आगळ्या वेगळ्या रंगानी सजल्या. काळे, धवे, निळे, तांबडे! जाणकार म्हणटात, मनशा, तूंच तुज्या जिविताचो चित्रकार! तशें आशिल्लें जाल्यार मनीस रंगयाळ्या सपनांतच जियेतलो आशिल्लो. सपनां सपनांच उरतात. आपलीं कित्याक जायनांत?

आमचे भोंवतणीं अदृस्य रूपान काळे काळे थिपके घुंवत आसतात. आमकां समजना हे आमचे लागीं येतात कशें? देखीक येवजूंक नाशिल्ल्यो वायट घडणुको. अचकीत मरण, पिडा, यातना, उबगण, अरिश्टां ! ह्यो दुर्घटना वाटावपाक आनी तातूंतल्यान वाट काडपाक आमी आमचो मोलादीक वेळ वगडायतात. ताचे मजगतीं खेरीत अशे जाय जायशे मूख दिणे खीण रंगीत थिपक्यांच्या रूपान आमच्या वांट्याक येतात. देखीक अचकीत दुडवांचो लाव, कुटुंबीक सूख, नोकरींत बडटी, नामना, सण, सुवाळे.

जिविताचें हें कुवाडें म्हाका केन्नाच समजलें ना... खूब फावटी हांव तें सोडोवपाचो यत्न करतां. बरे-वायट प्रसंग अनपेक्षीत रितीन आमचे जिणेंत रिगतात कशे? काळे थिपके... रंगीत थिपके... हो तर चितान्याचे कलेचो नमुनो ! मागीर परमेस्वर आमच्या जिविताचो चित्रकार आसूं येता. वयर बसून तिब्यांची जुळवा जुळव करीत.. बरे आनी वायट खीण सगळ्यां मदीं वांटून घालपाक... काळ्या धव्या आनी रंगयाळ्या थिपक्यांचो चोंबो उस्तून विगड विगड सुवातेर घालता आसतलो. सगल्यांक सारकें मेळचें हो तर ताचो हेत आसुंये !

भोंवडेर एका पोंतार साकून दुसऱ्या पोंतार वतना वाटेर लांबचे लांब दोशीवटेन झाडां-माडांनी भरिल्ले मार्ग पळयतकीच दोळे सुखावतात. गिरेस्तकायेन सोबीत अशी पाचवी रूखावळ, दोशीवटेन लागून माड, मदीं मदीं न्हंयो, खळखळपी वझरे, पयस दिसतात ते दोंगर, पाचवीचार शेतां, तातूंत खेळतात तीं केरांसां! बारीक पळयल्यार दिसता, हुनाळ्यांतल्या कडकडीत वतांत हीं झाडां कुथणेतात. तरी लेगीत वतांत हुलपून शितळसाणेक आशेल्ल्याक आलाशिरो दितात. न्हंयो,

[library stamp]

वझरे आट्टात, पुणून परतून एक फावट उमेदीन खळखळूंक लागतात. झाडां, शियाळ्यांत पानां गळयतात आनी बोडकीं जातात. पूण वसंत ऋतूंत नव्या पालवीसयत परतून उदेतात. तरणीं टवटवीत जावन. आमचे जिणेंत अशेंच कितें घडटा... बरे खीण तशेच वायट खीण... जिणेंतल्या शिंयाळ्यांत आमचीं पाळां मुळां खोलायेन किल्लतात... केन्ना जिणेंतल्या हुंवारांत आमची नासधूस जाता... केन्ना गळिल्ल्या पानावरी आमची जीण विद्रुप जाता... केन्ना जिणेंतली पिकावळ आमकां भरभरून दिता.

जिणेंतले बदल कोणाकूच चुकनांत. उदरगतीचो बदल. एक संद. म्हान नाटककार विलियम शेक्सपियरान म्हणलां, 'मनशाच्या आयुश्यांत अशें एक भरतीचें ल्हार येता तेन्ना फावो तो खीण सादून ताचेर आरूढ जाल्यार तें ताका व्हडले उदरगती मेरेन घेवन वता. पुणून संदीचो तो खीण चुकल्यार ताची जिवित भोंवडी उथळ उदकावरी ल्हान सान दुख्खांतूच अडकून उरता.' अनपेक्षीत बदल केन्ना सोबीत रूपान येतात. अचकीत जेन्ना पयसुल्लो इश्ट, सोयरो मेळटा तो प्रसंग खोशयेचो आसता. बरी खबर दिवपी फोन ना जाल्यार चीट खोस हाडटा. सकाळीं फुडें जनेलांतल्यान उजवाडाचीं किरणां खोशेयेचे खीण कशे हात जोडून उबीं रावतात.

दरेक खीण आगळो! अनिश्चितततायेन भरिल्लो. मनीस ल्हानाचो व्हड जाता. भोंवऱ्यावरी आपल्या भोंवतणी घुवंक लागता. मळबांत काळ्या कुपांनी दाटी केली तसो मोर पिसारो फुलोवन नाचूंक लागता... मनीसूय तसोच अनिश्चितततायेच्या भोंवऱ्या भोंवतणी नाचूंक लागता... परिस्थितीचीं जाळीं ताका आपल्या भोंवतणी गुठलायता. आपल्याक जाय तशीं घुंवडायता. आयुश्याची हीच तर मजा ! मनशाक सगळें जाय जायशें दिसता. मागीर तो आपली तुळा हेरांलागीं करता... ताका चड, म्हाका उणें, तो व्हडलो, हांव धाकलो... हें जर-तर ताचे जिणेंत उदासीनता हाडटा. तो निर्शेता... वाट सांसपीत आनी भुजां गळसणावन थकता. झुजांत मार खाल्लेवरी असंतुश्ट जावन आपलेच जिणेची वाट लायता. ही जियेवपाची तरा न्हयच न्हय! जिवित मनशाक देवान दिल्ली देणगी. जशी जाच्या वांट्याक आयल्या तशी ताणें आपणावपाची ! सैमान मनशाक पांच ज्ञानेंद्रियां-जीब, कान, दोळे, नाक, कात दिली. काम करपाक हातपांय दिले. हेर प्राणीजाती परस खेरीत अशी वाचा, मन आनी बुद्द

दिली. ताच्या बळार मनशान व्हडली उदरगत केली. कितले आविश्कार घडयले... नवे नवे सोद काडले. बरे बरे विज्ञानीक, शास्त्रज्ञ, तंत्रज्ञ, तत्वगिन्यानी जल्माक आयले. आयुश्य जगपाचें कसब मनशानच तर सोदून काडलें. जिद्द साहस आनी चिकाटी हांचे बळार ताणें केदी व्हडली भरारी मारली.

एक लोककथा खंयतरी वाचिल्ली. देवान सृश्ट रचली आनी मनशाक जल्माक घालो. तेन्ना ताका सांगलें, ''पळय, ही भूंय, ही धर्तरी हांव तुजे सुवादीन करतां. ताचो कसो उपभोग घेवपाचो तें तुजेर आसा. हांवें जशे सृश्टींत विविध तरांचे रंग भरशिले, तशीच तुजी जीण रंगय. ती कितली मोलादीक करप हें तुजेरच निंबून आसा. देखून सगल्या पयलीं तूं स्वताक आपणावंक शीक. बरें वायट नियाळपाक शीक. वायटपण कुशीक काडून बरी जीण जियेपाक शीक. तूं आनी हांव. संवसारांत आमचे सारके आमीच! हुबेहूब तुजे सारको संवसारांत कोण जालो ना आनी जावचो ना ! मैमान जें तुका दिलां ताचो पुरय लाव घे. दरेकल्याची कला वेगळी. गूण वेगळे. तुज्यांतलो गायक तूंच गायता, तुज्यांतलो चित्रकार तूंच चितारता. तूं म्हणल्यार तुजो अणभव तुजी भोंवतण, तुजें दायज! तें बरे तरेन जियेवपाचें हीच तुजी कसवटी !'' तेन्ना सावन जल्म ते मरणा मेरेन मनीसजातीची धडपड चल्ल्या. मनीस आशेचेर जगता. मोबीत फुडारचीं सपनां रंगयत कोडू वर्तमान पचयता. अपेस आयल्यार लेगीत भोंवन भोंवन यत्न करीत रावता.

नोबेल विजेतो अमेरिकन कादंबरीकार अर्नेस्ट हेमिंग्वे हाची 'ओल्ड मॅन अॅन्ड द सी' एक प्रसिद्ध नवलकाणी. आयुश्य कशें जगचें आनी आयुश्याच्या निमाणे मेरेन कशें सांबाळून रावचें हें ते नवलकथेंत दाखयलां. जिणेंत धार्यो दिकां कडसून आयकूंक येता ती करंदाय आपणेंच आयकुपाची, वाऱ्या-मोडांची गजबज आपणेंच अणभवपाची. आनी इतलें करून कर्तुबाची तेंगशी आपणेंच गांठपाची ही शिकवण तातूंत मेळटा. हे नवलकाणयेंतलो नायक ओल्ड मॅन दर्यांत वचून व्हडलीं व्हडलीं नुस्तीं धरपाचीं सपनां पळयता. कोणाचोच आदार घेनासतना एक ल्हान व्हडें घेवन पागपाक वता आनी भरिल्ली जाळी घेवनूच परतता. तो एक खारवी ! खारव्याचो धर्म नुस्तें धरपाचो आनी तें तो जिवांत जीव आसा मेरेन तिगोवन दवरता. निमाणें आयुश्य म्हणल्यार कितें? काल, आज आनी फाल्यां. थ्रेड मिलाचेर कसरत करतना मशीनाचेर पांयां सकयलो पट्टो फुडल्यान साकून फाटल्यान मेरेन सरकत रावता. आमी जाका 'आयज' म्हणटात तो पावल

उखलिल्ल्या खिणांक फाटीं वता आनी आमी फुडल्या खिणा सामकार उबे आसतात. अशावेळार आमी जगिल्ले खीण इतिहासांत जमा जाल्ले आसतात. आमी जगतात तातूंतल्यान इतिहास निर्माण जाता आनी इतिहास जर मनशांच्या कर्तुबाची काणी आसा जाल्यार आयचो दरेक खीण जाणविकायेन जगपाक जाय. हें जर आमी सगल्यांनी मतींत घेवन ते प्रमाण आमी वावुरले जाल्यार संवसारांत एक नवी क्रांती घडटली.

एके इंग्लीश कवितेंतल्या कांय कडव्यांची याद जाता.

If you can't be the Sun, be a star;
It is not by size that you win or fail,
Be the best of whatever you are!

शेणिल्ले दीस

आलमारींतलीं पुस्तकां चाळटना आर. के. नारायणाचें 'मालगुडी डेज' हाताक लागलें. आदीं वाचिल्लें पुस्तक परतून वाचूंक खूब मजा आयली. स्वामी उर्फ स्वामीनाथन नवलकाणयेचें मुखेल सवंग. १९३० च्या सुमाराक मालगुडी शारांत आठ-णव वर्सां पिरायेच्या स्वामीचें जिणेंतल्या घडणुकांचें बरोवप्यान सुंदर तरेन वर्णन केलां.

स्वामी आनी ताचे इश्ट मणिराजम, शंकर, सॅम्युएल उर्फ पी. मालगुडीचें आल्बर्ट मिशन स्कूल, धर्मकोल्ली मास्तर सर एबेनजर, मालगुडी क्रिकेट क्लब, स्वामीचें कुटुंब. नवलकथेंतले ल्हान व्हड प्रसंग भोवच सोबीत तरेन मांडल्यात. आठ-णव वर्सांची पिराय... आडसारटी. संवसाराची वळख निकतीच जावूंक लागता. केवळें मन सगळ, निर्मळ अशें. सैम, वारें आनी उदक हांच्या संवसारा परस ताचो संवसार वेगळो नासता. खंयची गजाल खरी आनी फट हें कळपा इतली ताची बुद्द नासता.

वांगड्याचो थाटमाट पळोवन भुरगो भुललुसता आनी तांचें अनुकरण करूंक लागता. मनांत भंय आसता देखून चोरयो करता. एक फट लिपोवपाक तो आनिकूय फटी मारता... धाक धेंगसो घालपाचो होच वेळ! भुरग्यांक धाक आसचो पूण जबरदस्ती न्हय! सदांच भंयाच्या वातावरणांत वाडिल्लो भुरगो फुडें सरूंक पावना... सदांच टिका, निंदा आयकत आयिल्लो भुरगो दरेके गजालीक दोश दिवंक लागता... जेन्ना ताका उर्बा मेळटा तेन्ना ताचो आत्मविस्वास वाडूंक

लागता... ल्हानपणासावन सोंशीक आसता तो फुडें व्हड मनाचो जाता. सुरक्षीत वातावरणांत वाडटा तेन्ना स्वताचेर आनी दुसऱ्यांचेर विस्वास दवरूंक लागता... चार चवगां भितर रावून व्हड जाता तेन्ना आयुश्यांत ताची इश्टागत वाडटा... बऱ्या संस्कारांत वाडिल्लो भुरगो कर्तुत्वी जाता.

संस्कार! कंवळ्या मनाक जाणविकायेन आकार दिवपाचें काम. संस्कार जशे जाणविकायेन जातात तशे अजाणटायेन घडटात. कुमारान चाकार चिखलाचो गुळो घालचो आनी इल्लो इल्लो ताका जाय तसो आकार दिवचो तशें भुरगेपणाचें आसता. सरभोंवतणी भुंयेचो परिणाम जावन न्हंयचें पात्र बदलता तशें भुरगें मन! तें पुराय परतुचे आदीं ताका आडावप गरजेचें. नाजाल्यार हाता भायर वचपाची शक्यताय आसता. संत गोरा कुंभारान म्हणलां, मडक्याक दितात तसो एक हात सदांच भुरग्याक आदाराक दिवचो पडटा आनी दुसऱ्या हातान थापटावचें पडटा. हें थापटावप केन्ना तोखणायेचें तर केन्ना धाकाचें! मडक्याक आकार दिवपाक तें गरजेचें तशेंच भुरग्याचें!

मालगुडी डेज वाचले उपरांत आडांगी मस्त्या भुरगेपणाची याद जाता. सदचे जिणेंतल्या ताणतणावा पसून पयस अशे निश्पाप, निर्मळ आयुश्य खंयच्या प्रौढाच्या वांट्याक येता? काळ फुडें फुडें सरता. सकाळची कळी दनपार मेरेन फूल जाता. भुरगेपणांतले ते सोबीत सुखदिणे दीस काळाच्या ओघांत आमी शेणोवन बसतात...

तुजे विणें

आयजूय ती म्हाका मेळपाक ऑफिसांत आयली.. तींच नमळायेचीं उतरां... तें गोड हांसप... वाडटे पिरायेर तोंडावयली सया बदलिल्ली, पूण तिची केवळी नदर तिच्या व्यक्तीमत्वाक सोबून दिसताली. तिच्या घरकाराचें व्हडलें ऑपरेशन जाल्लें आनी मेडिक्लेमाचीं कागदपत्रां दिवपाक ती आयिल्ली. हय न्हयमो हुस्को तिच्या उतरांतल्यान मुस्कारतालो.

हांव तिका ल्हानपणा सावन वळखतां. ती एक धडाडीची, जिद्दी! शाळा-कॉलेजींत अश्टपैलू, अती हुशार. शिकप आनी खेळांत तिणें विशेश नामना जोडिल्ली. समाजकामाचें बाळकोडू आवय बापायकडल्यान मेळिल्लें. वास्तवीक जिणेंत शिक्षणतज्ञ म्हणून ती फुडें आयली. तेच बरोबर एक व्हड समाजसेविका म्हणून तिणें नांव मेळयलें. समाजांत वावुरतना नव्यो वळखी जातात. इश्टागत एकेच वाटेर चलतल्या वांगडा जाता अशें न्हय! केन्ना तरी खंय तरी वेगळे वाटेन वतना एकामेकांक मेळप जाता आनी इश्टागतीचें बीं किल्लता... रणजीता सारको हुशार, बुदवंत तिच्या आयुश्यांत आयलो.

संवसारांत कांय गजालींचो अतिरेक जाता. एकामेकांची मर्जी सांबाळपाक चडसो वेळ सरता. जे चलयेन आपलें 'करियर' घडोवचें अशें बापायक दिसता तिणें आपल्या मनासारको जोडीदार वेंचप हें फाटले पिळगेंतल्या बापायक सोड आयच्या काळांत लेगीत खटकता. तिच्या आयुश्यांत अशेंय वादळ उठलें... घरच्यांचे इत्सेआड वचून तिणें रणजीताचो हात हातांत घेतलो.

संवसाराच्या दर्यांत तरंगता घोव-बायलेचें तारूं. तें फुडें व्हरपाक दोनय वटानच्यान व्हल्लोवचें पडटा. समान्तर चलतना एकामेकांच्यो वाटो वळखून घेवप सोंपें नासता. सुखी संवसारांत ताची गरज आसता. मळबान आपली सावळी धर्तरेचेर घालची आनी मळबाच्या उजवाडांत धर्तरी लजून पाचवीचार जावची तशें हें घोव-बायलेचें नातें!

'करियर' घडयतना, स्वताची वाट चलतना, केन्ना केन्ना अस्तुरेची संवसाराचेर आडनदर जाता. सादें सरळ आयुश्य मोगाचें, सांगाताचें पूण तेंच साकार जावप कठीण जाता. रगताच्या नात्यां मदले ताण-तणाव वाडटात. वेवसायीक जिणेंतलें अपेस सोंसचे परस सदांचें आयुश्य सोडून एकली... एकदम एकली रावपाची उर्मी येता.... पुणून ही उर्मी, तो जोम कितले मेरेन? निमाणें पयलींच्या आयुश्या लागीं परतुपाची ओड लागता. कूड पयसावली तरी लेगीत एकरूप जाल्लीं मनां परत एकठांय येवंक सोदतात.

'आँधी' सिनेमांतलें कवी गुलजार हांचें तें गीत... 'तेरे बिना जिंदगीसे कोई शिकवा तो नही... तेरे बिना जिंदगी भी लेकीन जिंदगी तो नही.' खूब फावटी दिसता तुज्या खांदार तकली दवरून दुकांक वाट करून दिवची. तुजो मोगाचो स्पर्श म्हाका सदांच मेळचो. तुज्या मोगांत येदी शक्त आसा की हे खीण गोठेतले, काळ थांबतलो... आनीक कितलें आयुश्य उरलां कोणाक खबर? हो चंद्रीम अस्तमचो ना अशें समजून कांय खीण सांगातान घालुया.....

तिनसांज

मिरामारचे दर्यादिरेर तिनसांजेर वरं देडवर लांबची लांब पासय मारप हें संवयेचें जाला. आयज कितलीं वर्सां जालीं. वत आसूं नाजाल्यार पावस. केन्नाच खंड पडलो ना... आनी पावस आसलो म्हणून कितें जालें? पावसांतली सांजवेळ भोंव लक्तूबायेची... खिणांत पावस, खिणांत वत! घटके आदी चकचकपी सुर्या कुपां आड दडून बसता. पयस खंय तरी दडी मारून बशिल्लें वारें आंगांत भार आयिल्लेवरी झाडां पेडांक हालयत नाचूंक लागता... चोंय कडेन मिट्ट काळोख आनी एक अशी वावझड येता... सगळ्यांक नाका पुरो करता.

आयज शांत न्हिदिल्लो दर्या! काल पयर मेरेन पावसाच्या दडकां वांगडा हातांत हात घालून नाचतालो. कोणाचीच पर्वा करिनासतना एक सारको हरंधारां वांगडा ल्हारां खेळयत मळबा मेरेन उसळटालो. मार खावून ओरगी पडिल्ल्या ल्हान पोरावरी आयज तो थंड जाला. कालचें ताचें रूप... तो दर्या, तो पावस, तीं कुपां... कोणाचीच पर्वा, भीड, मुर्वत नाशिल्ले भाशेन... जाता, अशें घडटा... आमच्या तुमच्या घरांत लेगीत घडटा... वाद जाता... तोंडाक तोंड लागता. म्हणून कितें तें सदांच घेवन बसपाचें? कांय गजाली सोंसनात... सगळें मना सारकें जावचेशें दिसता. पूण अशें थोडेंच जाता? सगळ्यांचेच विचार एकसारके खंय आसतात? खंय तरी जुळोवन घेवंक जाय.

आमीच भुरग्यांक स्वतंत्र आयुश्यां दिलीं. तांच्या संवसारांत तीं रमलीं जाल्यार ताचो हुस्को कित्याक? आवय बापायचें कर्तव्य तांच्या पांखांक बळगें दिवपाचें.

तांची उडी, तांची झोंपय हाचे आड येवपाचें न्हय! जिणेंत घडये एक वेळ असो येता.. उमाळे, कळवळे सोंपतात. फकत कर्तव्य उरता. आपल्या हातांत तरी सगळें खंय आसता? आमचेंच आंग सदांच आमकां सांगात दीत म्हणून खात्री आसा? केन्ना तें तिडकता. केन्ना फुगून बसता. केन्ना हातापांयांक सणसण मारता. केन्ना पांयांत कडकडो, केन्ना आंगार कांटो उबो रावता, केन्ना ओंठ धवे पडटात. दोळे भगभगूंक लागतात. काळीज भरून येता. आमचीच कूड सदांच आमकां सांगात दिना जाल्यार दुसऱ्यांक शिणप कित्याक?

उमेदीची एक गजाल सांगतां. आयज आयुश्याचे तिनसांजेर घरांत आमच्या धादोसकायेचो लामणदिवो पेट्टा. पूत सुनां नातरांनी भरिल्लें आमचें घर. तांचे खातीर जीव वयर सकयल जाता. अपुरबायेच्या ह्या घरांत सूख सोदतां ल्हान ल्हान खिणामदीं. त्या ल्हानश्या सुखांत गुंग जातां. सुखाच्या भितरल्या गाबाक सोदीत ताचो स्पर्श, ताचो परमळ काळजांत सांठोवपाचो यत्न करतां. ह्या ल्हान-सान सुखांच्या खिणांची दिवली पेटयले उपरांत आयुश्यांतले खुशालकायेची, परम सुखाची वाट दोळ्यां सामकार येता आनी जिवीत सार्थक जाल्ल्याचो दिश्टावो जाता.

ओड तुज्या सांगाताची

फांतोडेर ताका जाग आयली. रातीं न्हीद सारकी जावंक नाशिल्ली. एके तरेची निर्शेणी जाणवताली. आयज परत वचपाचो दीस... सात दर्या पलतडीं. कितले बेगीन दोन म्हयने सोंपले कळ्ळेंच ना. येतना कितले उमेदीन आयिल्लों!... खूब कितें कितें येवजिल्लें.

रातभर पावस पडून थांबलो. घडयें विसव घेवपाक थारलो. खीणभर ताका दिसता, मनांत घुंवता तें मोड पावसा मेरेन पावोवचें. पावसाक आडून सांगचें. 'तूं थारनाका. पड आनिकूय नेटान पड. असो हुंवार काड की सगळी येरादारी ठप्प जातली. म्हाका म्हज्या बायल-भुरग्यांच्या सांगातांत आनिकूय खीण मेळटले!'

संवसाराची ओड मनशाक कितली आकूळ-पिकूळ करता. ताका याद जाता, तरणे पिरायेर सौदी अरेबियाक नोकरे खातीर वचपाचें नक्की जालें तेन्ना उमेदीन तो तयार जालो. घरच्यांपसून पयस वचपाक तो फाटीं फुडें जातालो. काळीज निबर करून तो फुडें सरलो.... चार वर्सां उपरांत राणी ताचे जिणेंत आयलें. कांय वर्सां एकोडो रावन आयिल्ल्याक संवसाराच्या सुखाचो अर्थ समजूपाक वेळ लागता... दोन दिसांचो सुखदिणो सांगात सोंपून जेन्ना परत वचपाचो वेळ आयलो, तेन्ना तो पिरपिरलो, पिरंगलो. ताणें स्वताक समजायलें! फुडले फावटी राणीक म्हजेसरीं घेवन वतलों.

केन्ना केन्ना घर संवसाराचें जें सूख आमकां जाय आसता तें आमच्या यत्नाचे पलतडीचें आसता. कितें ना कितें तरी कारण फुडें येवन रावता आनी ज्या

विशयाचो आमी विचार करतात तो विशय आपले आपूण पुसून वता. पयलीं राणीची नोकरी, मागीर भुरग्यांचें शिकप, अशें करतां करतां अठरा वर्सां भुर्र करून कशीं उडून गेलीं हें ताचें ताकाच कळ्ळेंना.

रांदचे कुडींत आयदनाचो आवाज येता. राणी उठून केन्नाच कामाक लागिल्लें आसता. ताका याद जाता, लग्न जाल्लें तेन्ना राणी कंवळे पिरायेचें. कॉलेजांतलें शिकप सोंपोवन निकतें नोकरेक लागिल्लें. अल्लड, लजेस्त! म्हणटां म्हणटासर संवसाराचो सगळो भार ताणेंच उबारलो... ताचीं नाजूक नाजूक पावलां काळाच्या ओघांत निबर जाल्लीं. ऑफिसांतली नोकरी सांबाळून घर संवसार, भुरग्यांची जतनाय सगळी जबाबदारी ताणें एकल्यान पेल्ली. नातीं उतरांनी बांदूक येनांत. केन्ना केन्ना उतरांतल्यान राणीची खंत उक्ती जाताली. मनांत दुगदूग, ओंठार उश्णो राग आनी वाटेर दोळे लावन घोवाची वाट पळोवपांत एके तरेची खोस आसता. पुणून कितली पळोवं वाट?... हांव ताका सदाच समजायतां, आमी जरी पयस आसलीं तरी आमचीं काळजां मोगाच्या धाग्यान बांदिल्लीं आसात. केदीय व्हडली दुराय आमच्या मोगाचे आड येवची ना. सोशीकसाणेन आयज मेरेन आमी एकामेकांक सांबाळत आयल्यांत. तातूंत केन्नाच आडखळ येवची ना.

...सट्ट करून तो बाज्जे वयलो उठ्ठा. अजून थोडी बांदाबांद करपाची उरल्या. वचपाची तयारी करूंक जाय... भायर पावस शिडशिडटा.

❀❀❀

देव तुज्यांत म्हज्यांत

किन्याक कोण जाणा, हालींसरक खूब फावटी दिसून येता, भुरगे आनी तरणाट्यांचो कल अध्यात्मा लागीं वचूंक लागला. हांव केन्नाय म्हजे म्हाकाच विचारतां, भुरगें पिरायेर लांबचे लांब रांकेत रावन तूं देवाची भेट घेतालो? नित्यनेमान देवळांत वतालो? सरगीत चिंतन, मनन, प्रार्थना करतालो? हांवच म्हाका हय न्हयशी जाप दितां. तशें जाल्यार देवा विशीं श्रद्धा, जागृताय आतांच कशी वाडली?

ह्या प्रस्नाची जाप दितना एका जाणकारान सांगलां, हालीं हालीं समाजांत निर्शेणी खूब वाडल्या. संवसारांत चडशे लोक मोख बाळगून जियेतात. शिकपी जांव वेवसायीक, दरेकल्याचो यत्न आसता, येस मेळोवप आनी नांव जोडप! तें जर साध्य जालें ना जाल्यार ताचे भितर एक उदासपण येता. तें उदासपण पयस करपाक चिंतन, मनन, प्रार्थना. ताणें मनाक थाकाय लाबता. अस्तल्या जगान जरी न्हयकारलो तरी देवाचें नांव घेवन मनीस फुडें वचूंक लागता. समाजशास्त्राच्या नियाळा प्रमाण अध्यात्मीक लोक वास्तवीक लोकां परस बरी मानसीक जीण जियेतात. हें ताचें एक कारण आसूं येता. सगळेच जाण निर्शेणेंतल्यान देवा लागीं धांवतात अशें न्हय! संवयो संस्कारांतल्यान घडटात. आमी घरांत देवाक दिवो लायतात. देवाची पूजा करतात. देवाच्या नांवान केन्नाय उपास करतात. देवळांत वचून देवाक पांयां पडटात. वाडवडिलांनी घालून दिल्ले नेम आयज इतलीं वर्सांभिरेन पाळत आयल्यात. मनांत देवा विशीं श्रद्धा आसा, ती जपत

आयल्यात. जाणकार म्हणटात, अध्यात्मीकतायेक पोसवण दिवपा खातीर देवळांची गरज लागना. देव आमचे भितर आसा.

तांच्या म्हणण्या प्रमाण देव भायर खंयच नासून आमच्याच मनांत वसला. आमकां खऱ्यांनीच खबर नासता, आमकां ताची जाणविकाय केन्ना जातली आनी खंयच्या रूपांत तो आमचे मुखार प्रकट जातलो. जेन्ना जेन्ना आमी त्रासांत पडटात तेन्ना तेन्ना आमचे भितरली एक दैवी शक्त जागी जाता आनी देवाच्या रूपान फुडें येवन आमकां सांबाळटा. देव एक कारण जावन उरता.

'देव्हाऱ्यांत देव नाही देवालयी' सुधीर फडकेच्या स्वरांतल्या गितांतल्यो वळी खूबशें कितें सांगतात....

'देव मुर्तिंत ना मावे, तीर्थक्षेत्रांत ना गावे,
देव आपणांत आहे, शरीर झुकवोनीया पाहे
तुझ्या माझ्या जड देही, देव भरोनिया राही'

काळजांतलो देव आमकां शिकयता, कोणाकूच दुखोवचें न्हय. जी कितें खोस आमचे लागीं आसा ती दुसऱ्यांक वांटत वच्ची. जाता तितलो मजतीचो हात फुडें करचो. कोण जाणा, तांतुतल्यान कोणा बाबड्याचो काळजाचो घावो पेखूं येता! आमच्याच अडी अडचणीच्या वेळार असोच हात फुडें येतलो.... केन्ना तरी... खंय तरी... पुणून सगळेच देवाचें खंय आयकतात?

फायच्या भांगरा सपना खातीर

खूब खूब वर्सांनी म्हणल्यार चाळिशेक वर्सां उपरांत ताका मेळप जाल्लें. इन्स्टीट्यूट ऑफ रिस्क मॅनेजमॅण्टान घडोवन हाडिल्ल्या दोन दिसांच्या प्राशिक्षणाक हांव दिल्लीक गेल्लों. फायनान्शियल रिस्क मॅनेजमॅण्टाचेर लेक्चर दिवपाक एक ज्येश्ठ शिक्षणतज्ञ आनी अर्थशास्त्रज्ञ डॉ. डि. आर. प्रभु आशिल्ले. तांचें खणखणींत उलोवप, स्पश्ट उच्चार, विशया वयलें प्रभुत्व, स्पश्टीकरण करपाची पद्दत... लेक्चर आयकुपाक मजा येताली. गोरोपिट्ट, सुडसुडीत, माथ्या वयले केंस पातळ जाल्ले, मदीं मदीं विनोद करपाची तरा, हांसतना उजव्या पोल्याक पडटा ती खळी, भुंवयो विरळ जायत एकामेकांक तेंकिल्ल्यो. अश्या लोकांक भाग्यवान म्हणटात.

कित्याक कोण जाणा म्हाका एकसारकें ताका पयलीं खंय तरी मेळिल्ले वरी, ताचे लागीं खूब उलयिल्ले वरी दिसतालें. प्रस्नोत्तराच्या वेळार ताणें म्हाका म्हजें नांव विचारलें आनी हांव गोंयकार म्हणून कळना फुडें उमेदीन तो म्हजे सरीं आयलो. मागीर उलयतां उलयतां वळखी जाल्यो आनी म्हज्या दोळ्यां मुखार इस्कोलांतले पांचवें-सवेंचे वर्ग आयले... तातूंत तो चुणचुणीत भुरगो, सदांच पयलो नंबर घेवपी, सगळ्यां वांगडा मेळून मिसळून वागपी, शिक्षकांचो आवडटो... द्वारकानाथ. म्हाका यादी जाली, ताणें 'म्हजें घर' हो सुंदर निबंद बरयिल्लो आनी टिचरीन वर्गांत वाचून दाखयिल्लो. सातवी पास जाले उपरांत द्वारकानाथ इस्कोलाक येना जालो. कोणें सांगलें तो फुडें शिकपाक मुंबय गेला.

आठवेच्या वर्गांत सुरवातीक कांय दीस आमकां तो चुकिल्ले वरी जालो. फुडें ताचे लागीं संपर्क आयलोना.

दर्याक मेळिल्ले न्हंयेचे लोट जशे परतून येनांत तशे रात आनी दीस मनशाचें आयुश्य सातत्यान. कणाकणान घेवन वतात. पन्नाशी हुंपिल्ल्या डॉक्टर द्वारकानाथांत हांव धा इकरा वर्सांचो मस्तो, हुतहुतो द्वारकानाथ सोदतालों. मनीस पिरायेन आनी जापसालदारकेन वाडले तरी एक मस्तो पोर आयुश्यभर ताच्या काळजांत वावरत आसता. मुखावयलीं केदींय व्हडलीं दुरगां ताका आडखळ जायनांत. अचकीत केन्ना ताचीं पोरकटपणां कुयकूय करून चाळयत रावतात.

येदो व्हडलो अर्थशास्त्रज्ञ, ग्लोबल स्टडी ॲण्ड रिसर्च कंपनीचो संचालक म्हज्या खांदार हात धरून आशिल्लो... पोरणे इश्टागतीच्या रूपान. तशींच फकांडां, मस्करी करपाची तीच तरा. पूण दिसतालें ताच्या विनोदांत एका तरेचो उणाव आसा. घडये उंचेल्या पांवड्यार पावतकच मनीस बदलता जावये! त्या हांसऱ्या मुखामळा फाटल्यान कसली तरी खंत लिपल्या अशें दिसतालें. आमी मनशाक वळखतात असो आमचो भ्रम आसता. पूण तशें नासता. आमी ताका वयलेवयर वळखतात. भितरल्यान तो कसो आसा हें वळखुपाक कळाव लागता.

मनीस दोट्टी जीण जियेता. एक जगा खातीर, दुसरी आपल्या खातीर. जगाक हांसयता तो विदुशक निजी जिणेंत घडये रडत आसता. द्वारकानाथा विशीं म्हजो अंदाज खरो आशिल्लो. शाळेंत भुरगेपणांत ताच्या वैयक्तीक आयुश्याचेर हांवें केन्ना लक्ष दिलेंना. तशी गरज लागलिना. आयज इतल्या वर्सांनी ताणें काळीज उकतें केलें. हांव ताका संवकळीचो दिसतालों जावये! काळजांतली खंत उकतावपाक हांव ताका आपलोसो दिसलां जावये!

आग्रो करून ताणें म्हाका घरा व्हेलो. तीन बॅडरूम, प्रशस्त हॉलाच्या फ्लॅटांत तो एकलोच रावतालो. आयुश्यांत कुटुंबीय सूख ताणें केन्नाच भोगलेंना. एकदम सान पिरायेचेर मोटार अपघातांत ताचीं आवयबापूय भायर पडलीं. कांय वर्सां मामान सांबाळ केलो. फुडें मुंबय शारांत सोयऱ्यांगेर रावून नोकरी करून शिकलो. बरें नांव मेळयलें. लग्न जालो पूण बायले वांगडा ताचें केन्नाच पटलें ना. देड-दोन वर्सांच्या पुता वांगडा रीतसर काडीमोड घेवन, बायल ताका सोडून गेली. ताचो पूत ताचे भशेन हुशार जालो. वायुसेनेंत फस्ट लॅफ्टनण्टाची बडटी मेळिल्लो आपलो पूत केन्ना तरी आपले म्हऱ्यांत येतलो हे आशेन राविल्ल्या द्वारकानाथाक

आयुश्यांतलो आनीक एक धक्को बसलो. एका विमान अपघातांत ताच्या पुताक मरण आयलें. ताचे उपरांत ताणें फाटल्यान घुंवून पळयलेंना. एकसुरी जीण आपणावपाचो विचार केलो.

... कोणूय ल्हान पोर आपणाली आवडटी वस्तू शेणले उपरांत हुंडक्यांनी रडटा तसो द्वारकानाथ भरिल्ल्या दोळ्यांनी ताची व्यथा उक्तायतालो. "जे पिरायेर भुरगे आवयबापाय कडल्यान अपुरबाय करून घेतात, ते पिरायेर हांव मोनेपणान दुकां गळयतालों. जिविताच्या शियाळ्यांत मोगाचे उबेक आशेल्लों तेन्ना एकसुरेपणांत कुडकुडटालों. हांवें आयुश्यभर सपनांच पळयलीं..... सुखी संवसाराचीं, सोबीत मुरडामळांचीं, खोशयेन भरिल्ल्या घराचीं, म्हौंवाळ उतरांचीं, फुलून आयिल्ल्या माळका भशेन, पाचव्या चांफ्या भशेन सदां परमळींत उरपाचीं... सपनफुलां म्हज्या हातांत येवचे पयलीं पिसुडलीं... हांवें सपनां भोगलीं, तातूंतली वेदना सोसली तरी लेगीत म्हजीं सपनां केन्नाच म्हजीं जालींनात. सत्याची ऊब घेवन तीं चलत म्हज्या दारांत आयलीं. हांव तांकां सांसपीत उरलों... तीं इल्लीं इल्लीं बावत गेलीं...

द्वारकानाथ आकुळपिकुळ जावन उलयतालो. हांव ताका तिरायता वरी पळयत उरलों. ताका कशें समजावप म्हाका कळनाशिल्लें. निमाणें मनीस तो मनीसूच! आपल्या अपेसाचें खापर तो कोणाच्या तरी माथ्यार घालून मेकळो जाता. ताणें सगळो दोश सपनांक दिलो. सपनां... हीं खंयच्यान येतात? न्हिदेंतल्यान येतात अशें न्हय! दिसासपनांय आसतात... कथा कवितांनी तांचें वर्णन केलां... तीं रंगीत आसतात, सोबीत आसतात, भांगराळीं आसतात. तांकां आकार आसता. दुनिया गोल आसता! तशीं तीं वाटकुळीं जावन घुंवत आसतात. जिविताचें गूढ सदांच उरचें देखून सपनांक वाटकुळें जावचें पडटा.

दर्या कितलोय खोल आसलो तरी ताका अंत आसा. तळ आसा! देखून सपनां दर्यांत जल्मनात. अंतराळाक अंतपार नासता देखून तीं मळबांत उदेतात. इंद्रधोणूवरी चकचकतात. नखेत्रांवरी लकलकतात. फकत नदरे पुरतीं! हाताक केन्नाच लागनांत. तांच्या नादाक लागून आमी जितलीं ताचे म्हऱ्यांत वचूंक सोदतात तितलीं तीं पयस वतात. सपनांचे आंकूर अशेंच आदारशुन्य आसले तरी खंय तरी घट्ट रोमून बसतात... केन्ना तरी वडाचो रूख जावपाची वाट पळयत! सपनांक आसपी भिरमुट्यांचीं पांखां ताका मळबाक तेंकूंक दिनांत कारण

भिरमुटेक पाखांचें त्राण सोंपले बरोबर मातयेंतूंच लोळचें पडटा.

द्वारकानाथाचें म्हणणें म्हाका पट्टालें. हांव चिंत्तालों, सपनां आपलीं केन्नाच आसनांत? मागीर सपनां पळोवचीं तरी कित्याक? तीं आपूण जावन येतात.... खंयच्या तरी आडवळणांनी... ध्यानांत मनांत नासतना. कल्पनाशक्तीच्या प्रदेशांत तीं जल्मतात. कोणेंय तांकां आदारशुन्य म्हणून चाळयलें तरी तीं येतात. धर्मग्रंथ आमकां सांगतात, काल्पनीक गजालींचें तत्वगिन्यान खऱ्या गजालीं इतलें पवित्र आसता. जें अस्तित्वांत ना तें काल्पनीक आनी अस्तित्वांत आसा तें वास्तवीक. काल्पनीक विचार वास्तवीक विचारां इतलेच म्हत्वाचे आसतात. शाळेंत शिकतना गणितांत काल्पनीक प्रमाण घेवनूच आमी सुरवात करतात. अर्थशास्त्र अनुमानाचेर, अंदाजाचेर अवलंबून आसा. साहित्य खऱ्या तशेंच काल्पनीक गजालींचेर निंबून आसता. काळ आनी अंतराळ हांचे वांगडा ज्यो घडणुको घडटात तांचो संबंद आमचे जिणेकडेन आसता. आमची जीण वास्तवतायेन आनी कल्पनाशक्तीन थारिल्ली आसा. जें आमी सपनेतात तें काल्पनीक. मनीसजातीक सपनेवप साहजीक आसता. म्हणुनूच सपनां हो जिणेचो एक वांटो. सपनां विणे जिणें रंगहीण! कसल्याय गणितांत अदमासान घेतिल्ले संख्येक खरी संख्या लावन आमी उतर काडटात तशें आमचे जिणेंत सपनांच्या आदारान आमी मोख दवरतात आनी पुराय करून दाखयतात. हातपांय हालयनासतना जो सपनां रंगयता तो कांयच करूंक पावना. सपनां फट आसतात. कल्पना अर्थ नाशिल्ल्यो आसतात पूण वास्तवीकतायेचो आनी कल्पनाशक्तीचो सांगड घेवन जो फुडें वता, ताची जीण अर्थपूर्ण आनी सुखी जाता.

थोड्याशा वेळा भितर म्हज्या मनांत कितलेशेच स्फूर्तदिणे विचार आयले. पूण हें सगलें द्वारकानाथाक सांगप कशें? संवसारांतले सगले कश्ट सोंसून येद्‌या व्हडल्या हुद्यार पाविल्लो मनीस! आयुश्यांत सगलें येस संपादन केल्लो दिग्गज! सगलें सगलें... नामना, कीर्त, संपत, येस, भांगर-शिंगर. सोदून लेगीत ताका सांपडलिंनांत तीं सपनां आनी सपनांतलें विश्व. त्या विश्वांत राबितो करून राविल्लें संवसाराचें सूख. ताणें सपनां पळयलीं. सोदलिंनांत. सपनां म्हणून सोदतात? आसता असोय कोण सपनां सोदपी. 'द आलकॅमिस्ट' नवलकथेंतल्या सांतियेगो वरी... व्हडलीं व्हडलीं सपनां काळजांत घेवन आनी तीं सफळ करपाचे इत्शेन जगभर भोंवपी.

काणी एका भुरग्याची. स्पॅनीश लेखक पावलो कुयेलोचे नवलकथेंतली. शाचें सपन आनी तें मेळोवपाचें साहस! सपनां खऱ्यांनीच साकार जातात ही शक्यताय जिणेंत कितलें अजाप आनी उमेद हाडटा! कसलेंच फाटबळ नासतना शकुनाच्यो कांय कुरू, कांय खुणो लक्षांत घेवन सांतियेगो सपनांतल्या गजालींचो फाटलाव करीत वता आनी त्या कुरवांच्या आदाराचेर इजिप्तांतल्या पिरॅमिडा लागीं लिपिल्लो खजानो सोदून काडटा.

हे नवलकथेंत आशावाद दिसता जो आमकां सुचयता जें कितें मेळोवपाचें आमच्या मनांत आसता तें सदांच साध्य जाता. जाका तें मेळोवपाचें धाडस ना तो रितेपण आनी अपूर्णतायेंचें जिणेंत शेणटा. आयच्या युगाच्या तत्वगिन्यानांत हें आयकुपाक सादें दिसता पूण साद्यो गजालीच मोलादीक आसतात आनी खरो समजुपीच तें समजूंक शकता.

अचकीत मोबायल वाजलो आनी विचारांचे तंद्रेंतल्यान हांव जागो जालों. द्वारकानाथाक कोणाचो तरी 'कॉल' आयिल्लो. तो उलयता ताचे वयल्यान कसल्या तरी नव्या प्रोजॅक्टाची येवजण चलताली. अधिकारपूर्ण आत्मविश्वासान जे तरेन तो उलयतालो तें पळयल्यार खिणा पयलीं ताणें उकतायिल्लो खेद, पश्चात्तापाचीं उतरां कांयच न्हय असो दिश्टावो म्हाका जातालो. व्हड मनाचीं मनशां केन्नाच पराभवान खचनांत. जिवांत जीव आसासर येस आनी अपेस पचयत तांचें झूज चालूच आसता. अपेसा उपरांत नव्या तान्यान, ताठरपणान नव्या झुजाक तीं तयारेक लागतात. जें मेरेन कूड धडधाकट आसता तें मेरेन सगली शक्त एकवटावन आपल्यो इत्सा पुराय करपाक तीं रातदीस धडपडटात. केद्राय व्हडल्या हुंवारांत वडाचो रूख जसो तायट मानेन उबो रावता तसो काळीजवंत केदींय व्हडलीं अरिश्टां, संकश्टां हुपून फुडें वता.

द्वारकानाथाक हांव ल्हानपणा सावन वळखतां... मदल्या तपांचें अंतर पुर्शीत ताचे लागीं पावप हो लेगीत एक योगायोग! ताचें मोबायलाचेर उलोवप चालू आशिल्लें. सहज म्हजी नदर टिपॉयाचेर आशिल्ल्या एका पुस्तकाचेर गेली. पुस्तक दिसलें की चाळले बगर म्हज्यान रावूंक जायना. अमेरिकी कादंबरीकार मार्गारिट मिशॅलाची 'गॉन विथ द विण्ड' कादंबरी ती.

१८६१ ते १८६८ ह्या वर्सां मजगतीं जाल्ल्या अमेरिकी यादवी झुंजाचे फाटभुंयेर आदारिल्ली मोग आनी देशहानी हांची एक इतिहासीक काणी. सोबीत, सुंदर

तितलीच निबर काळजाची स्कार्लेट ओहारा आनी तडफदार सैनीक रॅट्ट बटलर हांची प्रेमकाणी. स्कार्लेट हें नवलकाणयेंतलें मुखेल पात्र. वाडवडिलां कडल्यान मेळिल्लें दायज जॉर्जिया गांवांतल्या 'तारा' भाटाची धनीण. झुंजांत तिचे मालकीचीं भाटांबेसां उध्वस्त जातात. कितें सोंपलां कितें उरलां हाचें थावठिकाण उरना. तिचे जिणेंत तीन पुरूश येतात. रॅट्ट तिचो तिसरो घोव. तिचेर मना पसून मोग करता. निमाणें निमाणें तिचे चंचल वागणुकेक बेजारून तो तिचे पसून पयस वचपाचो निर्णय घेता. तेन्ना ताका कसोय करून आपले सरीं हाडपाचो आनी उध्वस्त जाल्ल्या 'तारा' भाटाची पुनर्बांदणी करपाची ती निश्चेव करता. 'टुमारो ईज अनादर डे' ह्या स्कार्लेटाच्या उतरांनी कादंबरी सोंपता. गॉन विथ द विण्ड आनी टुमारो ईज अनादर डे हीं दोन एकमेका आड वाक्यां. त्या दोन वाक्यांतल्यान एक नवो अर्थ घडटा. उध्वस्तांतल्यान नव्या जगाची उबारणी जाता. कांदबरेची लेखिका आमकां हेंच सांगता. तिच्या साहित्यांतल्यान हो संदेश दरेका वाचप्या मेरेन पावता.

येस आनी अपेस हांचे हिशोब सादे आसतात. मानसन्मान, संपत, कीर्त हांचे तागडेंत मनशाक जोखतात. पूण ताचें वजन जावंकूच शकना. झुजांत हारिल्लो झुजारी आनी खेळांत हारिल्लो खेळगडो केन्नाच हारिल्लो नासता. ताच्या येसाचो सुर्या दिगंताचेर घट्ट पांय दवरून उबो आसता. ताका अस्त नासता. ताची नदर फुडल्या झुजाचेर, खेळाचेर आसता. उद्देगाच्या मळार संवसारांत हारिल्लो द्वारकानाथ नव्यो नव्यो अर्थीक येवजण्यो आंखून चालीक लायता. नवे नवे प्रोजॅक्ट आकाराक हाडटा. वैयक्तीक जिणेंतूय ताणें कितल्योश्योच येवजण्यो आंखल्यात. शिक्षणीक संस्था, चॅरीटेबल ट्रस्ट, अनाथाश्रम, वृद्धाश्रम अश्या कितल्याश्याच संस्था-प्रतिश्ठानां खातीर तो फुडाकार घेता. तांकां मार्गदर्शन करपाक वावुरता आनी हांकां दुडवांची मजत करता. आपल्या सर्गेस्त पुताची घरकान्न आनी तिचो एका वर्साचो सानुलो हांकां आपणा सरी हाडपाची ताची खटपट चल्ल्या. संवसारांचें एक नवें सपन! घडये सपनांतल्यान नवीं सपनां घडटात.

येस हें भिरमुटे वरी आसता. कोणूय ताका धरूंक वता तितलें तें फुडें फुडें उडत वता. नाजाल्यार अचळय ताच्या खांदार येवन बसता. आज मेरेन सपनां फाटल्यान धांवतालो द्वारकानाथ ! आतां सपनां चलतूच ताचेसरीं येतलीं अशी एक सुलूस म्हाका लागली. म्हज्या मनांतलें ताका उलोवन दाखोवचें अशें

देसतालें. पूण धीर जायनाशिल्लो. समाजांत ताचो पांवडो, ताचे अधिकार प्रत्यक्ष पळोवन हांव भारावन गेल्लों.

ताचें मोबायला वयलें संभाशण सोंपिल्लें आनी म्हजें चिंतपूय! हांव हळूच वचून गॅलरींत ताच्या म्हऱ्यांत उबो रावलों. भायर देखाव खुबूच सोबीत दिसतालो. खिणा पयलीं धुमशेणां घालतालीं तीं काळीं कुपां आतां पयसावल्लीं आनी मळब निळें निळें हांसतालें. पावसाची वावझड निकतीच येवन गेल्ली. पाचवेचार सृश्टीचेर सात रंगांचीं सपनां घेवन इंद्रधोणू जसो सात सुरांच्या तालार नाचतालो.. ही नव्या पर्वाची सुरवात न्हय मूं? हांवें हांसत हांसत विचारलें. म्हजो हात दामीत तो मुमुरग्यांनी हांसलो. ताच्या दोळ्यांत म्हाका वेगळोच चकचक दिसलो.

❀❀❀

खिणा-खिणाची सांखळी

पयलेच फावटी म्हाका तो मेळ्ळो तेन्ना तो शाळकरी भुरगो. म्हाका नवीच नोकरी लागिल्ली. बस स्टॉपार देवलों तेन्ना पावस पडटालो. हांव आडवाटेर येवन रावलों. ऑफिसांत पावपाची ताकतीक. कोणूय दिसता जाल्यार ताचे सत्रेंत घुसतलों म्हणून कांय वेळ रावलों. पयसुल्ल्यान एक आडसाटो भुरगो येता तो दिसलो. हांवें ताका थांबयलो आनी ताचे वांगडा चलूंक लागलों. सत्री सारकी धरपा खातीर हांवें ताच्या खांदार हात घालो आनी ताचे लागीं उलयत चलपाक लागलों.

'तूं कितली शिकता?'

'हांव धावेंत आसां.'

'आयज स्कुलाक वचूंक ना?'

'ना, आयज नागपंचमीची सुटी'

'फाटले परिक्षेंत कितले टक्के मार्कस मेळ्ळे?'

ताका हांवें एकदम विचारिल्लें आवडलें ना जावये.. ताणें सट्ट करून जाप दिली ना.

'तितले बरे मार्कस मेळ्ळे नांत.' ताणें सांगलें.

'अंदू धावी. बरो अभ्यास कर. अंदूचें वर्स म्हत्वाचें.' हांवें ताका शिटकायलो.

'तसो अभ्यास करतां. ट्युशन बी घेतां. पुणून जेमतेम मार्कस मेळटात.' तो खरेपणान सांगतालो.

'घरांत कोण कोण आसात?'

'म्हजे फाटलीं दोन भावंडां, आई, बाबा. आमचो कपड्यांचो मांड आसा.'

पावस आतां थांबिल्लो आनी हांव ऑफिसाचे लागीं पाविल्लों. ताचे उपकार मानून हांव फुडली वाट चलूंक लागलों.

सात-आठ वर्सां उपरांत म्हाका तो असोच मुंबय सावन गोंयांत येतना बशींत मेळ्ळो. तोच म्हजेसरीं आयलो. ताच्यांत बरोच बदल जाल्लो.

'दुकानाचो म्हाल व्हरपाक मुंबय आयिल्लों.' तो सांगतालो.

'सद्या कितें करता?' हांवें विचारलें.

'बारावी पास जाले उपरांत टेलरिंग कोर्स केलो. बापायच्या धंद्यांत लक्ष घालतां. दुकानाचो आवाठ वाडयलो. सूट, पॅन्ट, शर्ट शिवपाचो वेवसाय सुरू केलो. ते भायर रेडिमेड कपडेय बी आमी विकतात. पयलीं सावन चलत आयिल्लें तेंच तेंच घेवन बसप उपकरना. जग बदलता. लोकांच्यो रूची बदलतात. रीण काडून भांडवल उबें केलें. धंद्यांत वयर सरतलो जाल्यार 'रिस्क' घेवचीच पडटा.' तो सामको वेवसायीक नदरेन उलयतालो.

'मुद्दाम यो दुकानार. बरे पैकीं शिवून दिवया.' एक पॅन्ट ताचे कडल्यान शिवून घेतली. मागीर हांव ताचें सदांचें गिरायक जालों.

सादारण सत्तावीस अठ्ठावीस वर्सां उपरांत एका 'लेडीज रेडिमेड गार्मेंट' दुकानांत भितर सरलों. धुवेक ड्रेस घेवपाचो आशिल्लो. नवेंच दुकान सोबीत तरेन सजयिल्लें. भितर सगळो झगझग दिसतालो. पांच-स्सा कर्मचारी थंय वावुरताले. गिरायकांची गर्दी आशिल्ली. गल्ल्यार तो बशिल्लो. आमकां पळोवन बेगीबेगीन आयलो.

'हें आमचें नवें दुकान. हालींच उगडलां.'

'आनी तुमचें तें दुकान?' हांवें विचारलें.

'तें आसाच. हें म्हज्या पुता खातीर उगडलां. ताणें फॅशन टेक्नॉलॉजीचो कोर्स केला. आतां नव्यो नव्यो फॅशनी येतात. लोकांच्यो रूची बदलतात. गिरायकांक जाय तसो म्हाल दिवपाची तयारी दवरची पडटा...' तो कितें कितें सांगतालो.

मनीस तोच, खीण वेगळे वेगळे. गल्ले खीण... नवे खीण. दोक खीण फाटल्या फुडल्या खिणां वांगडा गुंथिल्लो... ही तर खिणा खिणाची सांखळीच कशी

मनशां वांगडा खिणांचें रूप बदलता. मनशा कणकणी विंगड विंगड वाटांनी धांवपी हो अनंत काळ!

आयुश्याचे वाटेर चलतां चलतां एक वाट सोंपता... दुसरी येता... तिसरी येता. आयुश्याची भोंवडी सोंपना... मनशां सोंपतात... पोरणी पिळगी वता.. नवी येता.. नवे विचार नवे समज घेवन... हाकाच इतिहास म्हणटात.

❀❀❀

मम्मी आयलीच ना

मोटार अपघातांत सोंपिल्ल्या लोकांचे नातेवाईक वा अपघातांत दुखापत जाल्ल्यो व्यक्ती लुकसाण भरपाये खातीर कोर्टांत दावो करतात. कोर्ट असले दावे बेगोबेग निकालांत काडपा खातीर लोक अदालत घडोवन हाडटा. विमां कंपनीचे वतीन केन्ना केन्ना म्हाका कोर्टांत हाजीर रावचें पडटा. थंयच म्हजी एक लिगल ऑफिसरा लागीं वळख जाली. ताची पिराय तिशेक वर्सांची. दिसपाक स्मार्ट, उलोवप स्पश्ट मुद्देसूद. कायद्याचो अभ्यास बरे पयकीं. बसकेंत वांटो घेवपा खातीर तो मुजरत येतालो. दरेक केस तो सहजतायेन हाताळटालो आनी प्रतिपक्षाक योग्य रितीन पटोवन दितालो. खूबश्यो केसी निकालांत काडपाक ताचो व्हड वांटो आसतालो.

लोक अदालता मुखार एक फावट एक केस चलताली. एके आवयक अपघाती मरण आयिल्लें आनी तिचे पुताचे वतीन ताचो वकील बाजू मांडटालो. आवयचे बरे बरे गूण तो उलोवन दाखयतालो आनी तिच्या अकालीक मरणाक लागून तिच्या घरच्यांच्यो कितल्यो हाल-अपेश्टा जाल्यो हें तो बारकायेन सांगतालो. युक्तीवाद मांडटना तो लिगल ऑफिसर एकाएकी उलोवपाचो थांबलो. ताची आवाजाची धार मंदावली. चड भासाभास जायनासतना ती केस तितल्यारूच सोंपली.

मदले सुटयेंत उलयतां उलयतां हांवें ताका विचारलें, 'असले वाद-विवाद तूं सदांच आयकता, मागीर आयज तूं इतलो आकूळपिकूळ कित्याक जालो?'

ताणें लांब स्वास सोडलो आनी थंड आवाजांत एक एक उतर तो उलयत गेलो... अचकीत कोणूय पोरणे दुखेस्त खीण उचकून काडटा तेन्ना मन निर्शेता आनी अपेसाच्या भोंवऱ्यांत घुंवत उरता. एके आवयच्या मरणाचो प्रसंग आयकतां आयकतां म्हज्या आयुश्यांतलो एकुणीस वर्सां आदलो दुखदिणो प्रसंग दोळ्यां मुखार आयलो. आमी तेन्ना बोरिवली रावतालीं. पप्पा, मम्मी, हांव आनी म्हजे परस पांच वर्सांनी ल्हान सात वर्सांची म्हजी भयण, वेपाराक लागून पप्पाक रातचो घरा येवपाक उशीर जातालो. चर्चगेटाक मम्मीचें ऑफिस.. सप्टेंबर १९९३ तली ती काळीकिट्ट रात! आमचें आयुश्य उध्वस्त करून गेली. ती रात सोंपली तरी मनांतली फांतोड केन्नाच उदेली ना. पांच पंच्चावन्नाची चर्चगेट-बोरीवली महिला स्पेशल. सदां येता तशी मम्मी येवपाक भायर सरली. बोरीवली स्टेशना आयल्यान गाडी क्रॉसिंगाक रावली. खूब फावटी गाडी क्रॉसिंगाक रावता पुणून ते दिसा चड वेळ रावली. कोणें बोवाळ घालो, डब्यांत बॉम्ब दवरल्यात. लागसराक धुंवर दिसतालो. काचाबूल जावन डब्यांतल्या बायलांनी फाटलें फुडलें येवजिनासतना सकयल देंवपाक उडयो मारल्यो. दुसरे वटेन गाडी येताली. आठ-णव बायलो गाडये पोंदा सांपडून आक्ताक सोंपल्यो. कांय जाणांक गंभीर दुखापती जाल्यो... मम्मी साडेसात मेरेन घरा पावताली. रातीं धा-साडे धा मेरेन आमी तिची वाट पळयली. मम्मी आयलीच ना... आयलो तो तिचो छिन्नविछिन्न देह!

मोव-मोव पिसांच्या घोटेरांत चोंच उगडून चिंव चिंव करीत पिलां वाडटात तशीं आमी दोगांय मम्मी पप्पाच्या सांगातांत वाडटालीं. आमच्या हांसता, खेळटच्या संवसारांतल्यान मम्मी आमकां सासणाची सोडून गेली.... पप्पान आमकां तळव्या वयल्या फोडावरी जपलीं. मायेमोगान वाडयलीं. पुणून मम्मीचो तो मोगाळ स्पर्श... तीं कळवळयान भरिल्लीं उतरां परतीं केन्नाच केन्नाच आमच्या वांट्याक आयलीं नांत...'

खिणभर तो उलोवपाचो थांबलो. लेंसान तोंड पुशीत ताणें म्हणलें. 'चला दनपारचें सत्र आतां सुरू जातलें फुडल्या कामाक लागुया. वेळ-काळ कोणा खातीर थांबना....'

अर्दें – अपुरतें

ऑफिसाच्या कामा खातीर हांव पुण्याक वतां तेन्ना कॅम्प गेडार कंपनीच्या गेस्ट हावसांत म्हजो मुक्काम आसता. गेस्ट-हावसाचे आशीकुशीक बरींचशीं घरां, बंगले आसात. थंयच्यान येतले वतले लोक दिश्टी पडटात. अनवळखी जागो, अनवळखी लोक, मुद्दाम तशी कोणा लागीं वळख करप जायना. तरी लेगीत आपूण जावन वळख करपाय कांय जाणां आसतात.

अशाच एका सदगृहस्था लागीं म्हजी आपसूक वळख जाली.. सादारण साटींतलो.. लांब,गोरो, मध्यम बांदो, माथ्या वयले केंस पातळ जाल्ले, फ्रेंचकट धवें फुल्ल खाड. पळोवपाक तरतरीत दिसतालो. एक फावट म्हाका पळोवन तो थांबलो. म्हजे म्हऱ्यांत आयलो.

'हॅलो, मी नेरूरकर. तुम्हाला इथं कुठंतरी पाहिल्या सारखं वाटतं.'

हांवें म्हजी वळख करून दिली.

'हो हो तुम्ही गेस्ट-हावसमध्ये उतरलांत, त्याच्या एकदम समोर आमचं घर आहे बघा.' ताणें सांगलें.

हांव गोंयकार म्हणना फुडें तो खुशालभरीत जालो. गोंयचें आनी ताचें खूब आदलें नातें... आज्या-पणज्या पसून.. एक एक गजाल तो सांगत गेलो. उलयतां उलयतां ताणें आपली वळख करून दिली... तो भारतीय वायुसेनेंतलो निवृत्त अधिकारी. एन. डी. ए. त शिकप घेतल्या उपरांत पायलट ऑफिसर म्हणून भारतीय वायुसेनेंत रूजू जालो... कठीण परिश्रम, जिद्द आनी धिटायेच्या बळार

विमान उड्डाणांत कुशळटाय मेळयत गेलो. हवाई दळांतलें बरेंचशें आयुश्य मळबाक भोंवताडो घालपांतच गेलें. प्रोमोशन घेत घेत विंग कमांडरच्या हुद्या वयल्यान निवृत्त जालो.

दरेक वेळार ताच्या वेगळ्या वेगळ्या पैलुंनी ताची वळख वाडत गेली. हांव दिसना फुडें मुद्दाम येवन मेळटालो, खीणभर उलयतालो. जिणेंतले बरे वायट अणभव सांगतालो. ताचें उलोवप आयकुपाक बरें दिसतालें... एक फावट आग्रो करून म्हाका आपल्या घरा घेवन गेलो. हड्डयार झळकतल्या मानचिन्नां सयत युनीफॉर्मांतले ताचे रूबाबदार फोटे, शो केसींत मांडिल्लीं पदकां, तस्त्रिपो, यादस्तिकां ताच्या तडफदार व्यक्तीमत्वाची गवाय जावन आशिल्लीं. विमानांतलो तो सम्राट आनी मळब ताचें साम्राज्य. वयर वयर उडपाची ताची इत्सा पुराय जावंक नाशिल्ली... संद मेळ्ळ्यार परत एक फावट.. दुस्मानां वांगडा झुजतां झुजतां कितले फावटी मरणाचे देगे वयल्यान सुखरूपपणान परत आयिल्लो... मनांतलें सगळें उलोवन दाखयतालो.

ताचे उपरांत वर्सान सुमार हांव पुण्यांत गेल्लों. सदां भशेन भायर सरतना हांव नदर दवरून आशिल्लों.. तो म्हाका दिसलोना. हांवें गेस्ट-हावसकिपरा लागीं ताची वासपूस केली. 'तुम्हाला माहीत नाहीं चार-साडेचार महिन्यां पुर्वी पुणे-मुंबई महामार्गावर मोटार अपघातात त्यांचे निधन झाले. ते जागीच ठार झाले. त्यांच्या मिसेसना किरकोळ जखमा झाल्या. सद्या त्या मुंबईला मुलीकडे असतात. नेरूरकर साहेब एक देवमाणुस! अशी माणसं फार कमी असतात.' हावसकिपर कळवळून सांगतालो.

भायर पावस पडटालो. पावसावरी म्हजेंय मन भरून आयलें. हीं अशीं सहज मेळिल्लीं व्हड मनाचीं मनशां अचकीत ना जातात आनी मनाक चुरचुरे लावन वतात. ताचो विशय घेवन कथा बरोवपाचें म्हज्या मनांत आशिल्लें. मदले कितले तरी धागे जुळोवपाचे आशिल्ले. ते खातीर ताका परत मेळपाक जाय आशिल्लें.

... एकाद्या चिताऱ्यान हातांत घेतिल्लें चित्र अर्दें अपुरतें पडून उरचें तश्यो म्हज्या मनांत ताच्यो यादी अर्दकुट्योच उरल्यो...

शब्द शब्द पुंजायतना

'तुज्या येसाचें रहस्य कितें?'

खंयच्याय कलाकाराक जेन्ना हो प्रस्न विचारतात, तेन्ना तांची जाप आयकुपाची उमळशीक लागता. ताचे कले विशीं एक व्हड अदमास आसता. एक उत्सुकताय आसता.

सप्टेंबर म्हयन्यांतली गोड सकाळ. एका निमसरकारी कार्यालयांत हिंदी दिसाच्या सुवाळ्याक एक नामनेची हिंदी लेखिका मुखेल सोयरी म्हणून खासा आयिल्ली. म्हाका थंय उपस्थित रावपाचो योग आयलो. ते निमतान तिचे लागीं उलोवपाची आनी तिचें मनोगत आयकुपाची संद मेळ्ळी.

'भुरगेपणा सावन म्हाका वाचपाची आवड.' ती सांगताली. 'णव वर्सांचें आसतना म्हज्या मामान म्हाका एक सोबीत डायरी हाडून दिल्ली. ताचेर हांवें वाचिल्लें, कोणें कितेंय सांगिल्लें तें बरोवन दवरतालें. तातूंतल्यान म्हाका बरोवपाची गोडी लागली. जयशंकर प्रसाद, रघुवीर चंद्र, प्रेमचंद ह्या व्हड लेखकांच्यो कथा हांव आवडीन वाचतालें. ॲनी फ्रॅंकाचें 'डायरी ऑफ यंग गर्ल' पुस्तक हांवें धा-बारा फावटी तरी वाचून काडलें. तेरा वर्सांचें ॲनी नाझींच्या अत्याचारा पसून पयस रावपा खातीर दोन वर्सां मेरेन बंद घरांत रावता. आपलीं सगळीं चिंतनां, उमाळे, कळवळे डायरीचेर बरोवन दवरता. ह्या पुस्तकाचो म्हज्या मनाचेर खूब प्रभाव घडलो. ती स्फूर्त घेवन हांव शाळा-कॉलेजीच्या नेमाळ्या खातीर बरोवंक लागलें. ताचे उपरांत सरीता, सारीका ह्या नेमाळ्यांनी हांवें

बरयिल्ल्यो कथा छापून आयल्यो. आपले विचार अणभव ती सोबीत तरेन मांडटाली. ‘लेखन ही एकल्यानच एकलेपणांत करपाची करणी. मनांतलीं चिंतनां आनी कल्पना शब्दांचे चिमटेंत पकडपाचो खेळ. सुरवेक हो खेळ एकल्या पुरतो आसलो तरी तो खेळ जेन्ना अनवळखी वाचप्यां मेरेन पावता तेन्नाच त्या खेळाची खऱ्या अर्थान संपन्नताय जाता. माचयेर वावुरतल्या नटाक आनी गायकाक रसिकांची दाद जशी थंयचे थंय मेळटा तशी बरोवप्याच्या वांट्याक केन्ना येना. आपणें बरयल्लें कोणें कोणें वाचलां हेंवूय ताका खबर नासता. पुणून केन्ना तरी आपल्या लेखनाची मोलावणी ताका कळ्ळे बगर रावना.’

कोणे एकल्यान तिका विचारलें, ‘समाजसेवा आनी घर सांबाळून लेखन करपाक तुमकां वेळ कसो मेळटा.’ ह्या प्रस्नाचेर जाप दितना ती सांगूंक लागली, ‘लेखन म्हणल्यार एक वेसन. शब्द शब्द पुंजावपाचें आनी साहित्यांतल्यान ते साकार करपाचे. साहित्याकाराची कल्पना कल्पवृक्षावरी आसता. तातूंत कितल्याय तरांच्यो आकृत्यो घडटात. मनांतल्या उमाळ्यांक मुर्तींचें रूप येता. कलेची निर्मणी घडटा. सुंदरकायेची भर पडून संस्कृताय आनी इतिहास घडटा. साहित्य कला तिगोवन दवरपाक जिद्द आसची पडटा. निजाचो साहित्यकार जे मेरेन जाता ते मेरेन बरयता, बरयत रावता.’

ती आपले विशीं सांगताली. लग्ना उपरांत तिचें बरोवप बरेंच उणें जालें. तरी लेगीत तिणें चिकाटी सोडली ना. वेळ मेळटा तशी बरोवंक लागली. ऑल इंडिया रेडियो कडल्यान संवाद लेखना खातीर तिका ऑफर्स येवंक लागल्यो. कांय फिल्मां खातीर आनी टीव्ही सिरियलां खातीर पटकथा बरोवपाची संद मेळ्ळी. आनी एक बरी कथाकार म्हणून तिचें नांव जालें. आयज मेरेन तिचे आठ कथां झेले, दोन निबंध संग्रह, प्रवास वर्णन आनी कांय एकांकी उजवाडा आयल्यात. दोन साहित्य पुरस्कार तिका फावो जाल्यात.

कार्यावळ सोंपले उपरांत ती वचपाक उठली. तिच्या हातांतली दाट गुबगुबीत डायरी सट्ट करून नदरेंत वताली. इतलीं वर्सां मेरेन ती तें सांबाळीत आयल्या. ‘ही म्हज्या येसाची कुरू!’ ती हांसत हांसत सांगताली.

मन मेकळें मेकळेंशें

काळोख वांटयाक आयलों जाल्यार मोन्यांनी आपणावप सोंपें, पुणून काळजार फातर दवरून उजवाडाक पयस दवरप कितलें कठीण? आमचे दीसपट्टे जिणेंत बऱ्या वायट प्रसंगांचे अणभव येतात. कांय घट्ट यादींत उरतात.

कांय वर्सां आदीं पंचावन्नेक वर्सां पिरायेचो बापूय आनी ताची बावीस-तेवीस वर्सांची धूव म्हज्या ऑफिसांत आयलीं. बापूय थंडपणान उलयतालो. धूव खूब दुख्खी कश्टी दिसताली. तांच्या आयुश्यांत एक दुख्खी घडणूक घडिल्ली. धुवेचें स्कुटरीक अपघात जाल्लो. पावसाची वावझड चुकोवपाक तिणें एकदम स्कुटरीची गती वाडयली. फाटल्यान तिची आवय बशिल्ली. एका मोडणार वोल्त घेतना तिचो तोल गेलो आनी रस्त्याचे देंवतेर स्कुटर सकयल वचून माडाक आपटली. धूव वाटावली, पुणून त्या अपघातांत आवयक मरण आयलें. स्कुटरीचें लुकसाणीचो दावो करपाक तीं आयिल्लीं. धूव मंगळुरांत फिजियोथेरपीचें शिकप घेताली. सुटयेंत आयिल्ले कडेन हो अपघात घडिल्लो. आवयच्या मरणाचो धुवेच्या मनाचेर खूब परिणाम जाल्लो. आवयची याद आयिल्ल्या खिणाक ती हुडक्या हुडक्यांनी रडटाली. वरांचीं वरां काळखांत बसून रावताली. बापूय पयलींच खचिल्लो. तातूंत आनीक धुवेच्या हुस्क्यान सामको वाजेल्लो.

मनशाची जीण कितले अनिश्चीततायेन भरिल्ली आसता! अचकीत अशे खीण येतात जे ताका भयभीत करून सोडटात. तो आडखळटा, आपट्टा. सगळें

सगळें व्यर्थ दिसता. स्वताक शेणोवन बसता. अश्या वेळार कोणाचोय आदार, आपलेपणाचीं धीर दिवपी उतरां जाय जायशीं दिसतात. अचकीत घडिल्ली दुखदिणी घडणूक. तातूंत तांचें कुटुंब विचित्र मानसीक अवस्थेंत सांपडिल्लें. धुवेचें कॉलेजींतलें म्हत्वाचें निमाणें वर्स. तिचे फाटलीं कॉलेजींत शिकपी भयण, भाव. बापूय एकलो जोडपी. त्या संकश्टांतल्यान तांकां भायर काडपाची सामकी गरज आशिल्ली. दुसऱ्या दिसा हांवें बापायक आपोवन हाडलो. ताका समजायलो. जें कितें जाल्लें तें चुकून घडिल्लें. ताका लागून धुवेक गुन्यांवकारी समजप बरोबर नाशिल्लें. लोक कितेंय उलयतात. तांचे कडेन आडनदर करप केन्ना केन्ना हिताचें आसता. जें कितें घडिल्लें तें विसरून तांणी सगळ्यांनी एकठांय येवन तिका समजावप आनी समजून घेवप हीच काळाची गरज आशिल्ली...

ताच्या अडेच वर्सा उपरांत तीं बापूय-धूव म्हाका मेळपाक आयलीं. तिच्या हातांत कार्ड आशिल्लें. तिच्या फिजियोथेरापी क्लिनिकाच्या उक्तावणाक आपोवणे दिवपाक तीं आयिल्लीं. तिच्या मुखामळार प्रसन्नताय जाणवताली. बापूय चड उलयनाशिल्लो. तीच उलयताली. घडये मन मेकळें करताली. ‘मम्मीची खूब इत्सा आशिल्ली. हांवें डॉक्टर जावचें म्हजें स्वताचें क्लिनिक आसचें. आयज ती सगळें पळोवपाक जाय आशिल्ली.’ पट्ट करून तिच्या दोळ्यांतल्यान दुकां गळ्ळीं. मेकळेपणान उलयल्लीं तिचीं सरळ, सादीं उतरां तिचे निशपापतायेची गवाय जावन आशिल्लीं.

मंद जालीं पावलां

म्हज्या घरा मुखार बांदिल्ल्या नव्या अपार्टमॅण्टांत रावपाक आयल्यार तांकां वर्सभर तरी जालें आसतलें. तें एक जाणटें पिरायेचें जोडपें. म्हज्या अदमासा प्रमाण तांची पिराय सत्तरीच्या घरांत आसूंये. त्या मानान तो पळोवपाक फिट दिसता. तिका 'पार्किन्सन्स' पिडेचो रोग जडला. सदां सांजचो तो तिचो हात धरून तिका भोंवडावन हाडटा. घरांतूय तिची सेवा करता. तांच्या दोगांय भायर घरांत एक वावराडी आसा. केन्ना केन्ना तांची धूव, जावंय तांकां मेळपाक येतात. एक दादलो मनीस बायलेची इतली सेवा करता तें पळोवपाचो म्हजो अणभव तरी खूब उणो आसा. दोगांय वांगडा चलतना हांव तांकां दोळेभर पळयतां. तो तिका कितें कितें सांगता, समजायता, खावयता, पिययता. तिचे हात कडकडटात, उलोवप सारकें जायना. ती मान हालोवन जाप दिता. खूब फावटीं तांकां पळयल्यार दिसता, तांचें नातें घोव बायलेचें आसलें, तरी ताचे परसूय वेगळें शें! कोणाय शिक्षक आनी विद्यार्थ्यां वरी, डॉक्टर आनी पेशंटा वरी.

तांकां पळयना फुडें म्हाका जयवंत दळवींच्या 'संध्या छाया' नाटकांतल्या नाना-नानीची याद जाता. नाना-नानी दोगांय जाणटीं जाल्यांत. तांचो एकसुरो पूत परदेशांत आसता. दोगांय जाणटेलीं घरांतूच आसतात. एकसुरेपण तांकां कश्टांचें जायत वता. म्हातारपणांतल्यो पिडा हात धुवन तांचे फाटीक लागिल्ल्यो आसतात. दीसभर एकामेकांचीं तोंडां पळयत बशिल्ल्यान दोगांय बेजारतात. ल्हानसान कारणांक लागून पिरपीर करतात. वेळ वचपा खातीर सदींच फोनाचो

खंयचोय नंबर घुंवडावन अनवळखी मनशां लागीं उलयत बसतात. पेइंग गेस्ट म्हणून कोणाकूय घरांत दवरतात. तीं सोडून गेलीं तशीं परत बेजारतात. पूत सुटी घेवन आयलो तशीं खोशी उरतात. सुटी सोंपून तो परत गेलो तशें परत तांचें रडगाणें सुरू जाता. हातपांय थकल्यात, मनां वाजेल्यांत. एकमेकांक सांबाळटां सांबाळटां आयुश्य सरत आयलें.

घोव आनी बायल एकठांय आयुश्य जियेतना संवसारांत ल्हान-व्हड, बऱ्योवायट कितल्योश्योच सुवातो आसतात. एकामेकांच्या सांगातांत त्यो जगप सोबीत करतात. खंयूय कोणूय चुकलो जाल्यार ताची रिती सुवात दुसरो/ दुसरी भरून काडटा. तातुंतूच जियेवपाची गोडी आसता.

आयुश्याची सांजवेळ वेगळेच दिकेन येता. कंवळी पिराय सोंपून लग्नाची पिराय जाली तशें एक-एक करून सगळे हात जोडून मुखार रावता. संवसार, भुरगीं, तांचें शिकप, तांचो फुडार, म्हणटां म्हणटां वर्सां अशींच धांवतात. सगळीं आपापल्या मार्गाक लागतात... ती धांवपळ, तो गजगज अचकीत ना जाता. मागीर सगळें कशें शांत शांत! जाणटेपणांत एकामेकांच्या सांगातांत दीस पासार जातात.

अचकीत केन्नाय घरा पसून पयसुल्ले सुवातेर एकसुरो आसतना तिच्या फोनाची नाजाल्यार चिटयेची उमळशीक लागता. जिचे वांगडा संवसार केलो तिका म्हऱ्यांत बसोवन सदचे जिणेचो हिशोब दिवपाचो आसता. केन्ना कितें चुकलें, सांगपाचें उरलें, उकत्या मानन उलोवपाचें आसता. अडी अचडचणीक मळब जावन तिचेर सावळी घाली. मळबाच्या उजवाडांत पांचवीचार धर्तरी लजता, तशें तिचें रूप पळोवन काळजांत खातखुतल्यो जाल्यो.

अस्तंमतेचो थंड वारो कानांत कुरू करून हें सगळें सांगून वता. मागीर घुसमटमार जाता. एकसूरपणांतले भोग, तळमळे कोणाक तरी सांगीन दिसता.

एक खबर वाचिल्ली. महाराष्ट्रांत वरिश्ठ नागरिकां खातीर 'मैत्र' नांवाची संस्था कार्यरत आसा. संस्थेचे हॅल्पलायनीर कोणाकूय कितेंय उलयन दिसता, मन मेकळें करीनशें दिसता अशा खूबशा जाणट्या लोकांचे फोन येतात.... आयुश्यभर नातीं तिगोवन दवरिल्ल्या मनशांक पलतडची नदर लागतना मनांतलें उलोवन दाखोवपाक कोण नासता. कांय जाणांक असाध्य पिडेक लागून नाईलाजान भुरग्यां वांगडा रावचें पडटा. कांय जाणांची पिरंगण आसता. एकठांय

गावतना भुरगीं-नातरां सारकीं वागनांत. कांय जाणां जांचीं भुरगीं परदेशांत आसतात तीं दुसऱ्यां लागीं तांची याद काडीत जियेतात. कांय घरांत नोकरेंत वयल्या पदार वावरून आयिल्ल्या मनशांक सेवानिवृत्ती उपरांत घरांत बायल-भुरग्यांक हुकूम सोडपाची संवय सुटना. आपणाली बदलिल्ली सुवात आपणावंक तांचें मन तयार नासता. ताका लागून घरांत वयलेवयर वाद-झगडीं सुरू जातात. कांय जाण भावार्थी जावन फाटलें फुडलें चिंतु नासतना कसलेय निर्णय घेतात. पूण आयुश्यांत हें म्हारग पड्टू येता. कालांतरान मनशां बदलतात. मनशां जरी बदलनांत जाल्यार तरी परिस्थिती बदलता. नसत्या वेळार कित्याचें कितेंय जावूं येता.

शेक्सपियरचें 'किंग लियर' नाटक -एक शोकान्तिका. राजा आपल्या दोगी व्हडल्या धुवांक राज्य वांटून दिता. ह्योच धुवो फुडें बापायक धांवडावन घालतात. आशिल्लें-नाशिल्लें सगळें सोंपोवन राजा वादळ-वाऱ्यांत वणवण भोंवता. नाटकाचो विशय थोडे भितर असो आसा. ह्याच विशयाचेर मराठी नाटककार वि. वा. शिरवाडकारांचें म्हान नाटक 'नटसम्राट'. ह्या नाटकांत अप्पासाहेब बेलवलकाराचो 'नटसम्राट' म्हणून व्हड भोवमान जाल्लो आसता. चाळीस हजारांची थैली तांकां फावो जाल्ली आसता. नाटककारांची सगळी भास तांच्या ओंठार आसता. उतरां प्रचंड दोंगरा वरी, तुफान दर्या वरी, हांसऱ्या निळ्या मळबा वरी, रंगीत शेवण्या वरी, सोबीत फुलां वरी. धादोसकायेच्या खिणांत म्हणटां म्हणटां बेलवलकर आयुश्यभराची सगळी जोड भुरग्यांच्या नांवार करून मेकळे जातात. एका नटा वांगडा संवसार केल्ले तांचे घरकार्नीचें वेव्हारी मन तांकां आडायता. पूणून बेलवलकर आयकनांत. म्हजीं भुरगीं म्हाका केन्नाच अंतर दिवचीं नांत हाचो तांकां सामको विस्वास आसता. फुडें मागीर वेगळेंच घडटा. भुरगीं तांकां घरा भायर काडटात अशें न्हय. पूण जायत्या घडणुकांक लागून तांचो स्वाभिमान दुखावता आनी तेच घर सोडून वतात. एक वेळा वयल्या नटसम्राटाक अक्षरशा भणंग जावन 'माळा वयल्या म्हाताऱ्याक कोणूय घर दिता घर' म्हणून आड्डपाची पाळी येता. सगळें कितें मेळयिल्लें तें व्यर्थ, निश्फळ दिसता. ''तुफानाक म्हाल नाका, पदवी नाका, हार नाका, थैली नाका. एक ल्हानशें घर जाय, दोळे धापून पडपा खातीर. एक वोल्तेर जाय शांत बसपा खातीर! अशें म्हणीत दारादारार भोंवपाची पाळी येता.

आयुश्याची वाट मोडणां मोडणांची. खंयूय केन्नाय सादी सरळ जाल्यार केन्ना वांकडी तिकडी. ही वाट चलतना घोड्याच्या टापा वरी एकाच तालार चलप जायना. जिणेंत नवे नवे बदल घडत आसतात. वैजकी विज्ञाना प्रमाण मिण्टा मिण्टांक कुडीच्यो पेशी मरतात आनी नव्यो तयार जातात. सादारण म्हयन्या भरांत मनशाचे कुडींत रंगताचो थेंब थेंब बदलता. कात नवी येता. केंस गळटात, नवे येतात. पिराय वाडटा तशी कूड थकता, स्नायू दुबळे जातात. याद उणी जाता.

सगल्या तरांच्यो पिडा बादूंक लागतात आनी नाखोशयेन वाडटी पिराय वांट्याक येता. पिराय वाडत वता तशें एक दीस म्हातारपण मुखार येवन बसता. म्हातारपण आसता तरी कशें? एका लेखकान ताचें सोबीत तरेन वर्णन करतना म्हणलां, तरणेपणाचो तरतर आयुश्याचे वाटेर सोंपतां सोंपतां रूप बदलून मंद मंद पावलां घालीत येता तें म्हातरपण! सगळ्यांत पयलीं चंवरता तें पिकून गोड फळ जावन हातांत येता तें म्हातारपण! जुवानपणाची मस्ती आसता तेन्ना कुडींत बळगें आसता. तें बळगें सदांच फाटल्यान उबें रावना. वाऱ्याच्या झोतार मारिल्लो कागदाचो बाण जसो वाऱ्याच्या नेटार खंयचे खंय उडून वता तशें हें तरणेपण आयुश्याचे वावझडींत शेणटा.

वाडटी पिराय सुखी दवरप, उण्यांत उणी दुख्खी दवरप हें सगळें शिकोवन येना. मनीस अणभवानूच सादूर जाता. ते खातीर मानसीक, शारिरीक आनी घडटल्या बदलांक परिस्थिती प्रमाण तोंड दिवपाची तयारी दवरची पडटा. खूबशे जाणटे पिरायेचे लोक विंगड विंगड धंद्यांनी वेळ घालयतात. सामाजीक आनी शिक्षणीक कामांत मन लावन काम केल्ले दिश्टी पडटात. ना म्हणल्यार आंबट तोंड करून कुरकुरत रावपीय आसतात. संवसाराचो पसारो आटापांत आयलो, भुरग्यांचीं वेवस्थीत लग्नां जावन तीं संवसाराक लागलीं, ज्या गजालीं खातीर आयुश्यभर धडपड केली तें साध्य जालें तरी लेगीत फुडलो काळ सगळ्यांचो सुखाचो वता अशें न्हय! आसा तातूंत सूख मानप हेंच जिणेंतलें व्हडलें सूख! सूख कशें मानून घेवप हें जण एकल्याच्या सभावाचेर आसता.

एकसुरेपणांत केन्नाय मन उचांबळीत जाता. फाटल्या गोड कोडू यादींक साद घालीत रावता.... कुडकुड्याच्या शिंयांतल्यान कडकडीत उबाळी मेरेन आनी उबाळांतल्यान भिरीभिरी पडटल्या पावसा मेरेन पावपाचो जिणेंतलो एक

सोबीत रस्तो! ह्या रस्त्या वयल्यान मनशां सदांच येतात आनी वतात. हो रस्तो सदांच सूखदिणो आनी थाकायेचो खंय आसता? केन्ना पांयां पोंदा फातर लागले, केन्नां कांट्यांकुट्यांतल्यान चलचें पडलें. फांतोडेर काळोख उजवाडांत भरसून वता तो पळयलो तसोच तिनसांजेर उजवाड काळखांत पुसट जायत वता तोवूय पळयलो. दनपारच्या रखरखांतल्यान ल्हवू ल्हवू मोव जायत गेल्लें वत तितलेंच गोड आसता. मागीर केन्ना दिसता आयुश्य अशेंच आसचें. निळ्या निळ्या उजवाडा वरी मंद मंद. दोळ्यार येवपी भगभगीत उजवाड नाकाच नाका. निळ्या मंद उजवाडांत यादींचीं किर्णां झळकतात. धांपिल्ले ओंठ अचकीत उगडटात.... आयुश्यांत काडी बडी जमोवन घोंटेर बांदचो तशीं नातीं बांदलीं. कांय हातांतल्यान रेंव भशेन निसरून गेलीं. कांय गोमा भशेन दसून रावलीं. केन्ना काळजाचे धागे जुळ्ळे, केन्ना सुवार्थाचो अणभव आयलो. आयुश्यांत मोग-इश्टागत केली. कांय नातीं उरलीं. कांय शेणलीं.

आतां खीणभर फाटीं सरून फांटले जिणे लागीं कुरू करून उलयन दिसता.... काल मेरेन हांवें तुका आंगा खांदार खेळयली. म्हज्या बोटाक धरून चलतां चलतां तुजे कंवळे हात आज निबर जाले. आयज म्हजे हातपांय थरथरतात. तुज्या आदाराक आशेतात. अचळय तुवें येवचें, घट्ट धरून म्हाका बळगें दिवचें.

कवी गुलजारच्या उतरांतल्यान सरळ तुका उलो मारून सांगीन दिसता. 'ए जिंदगी, गले लगाले ! हमने भी तेरे हर एक गमको गलेसे लगाया है। है ना?'

❀❀❀

साथ सांगात

हालींच 'यू टर्न' नांवाचें एक बरें नाटक पळयलें. सबंद नाटक दोनच पात्रांचेर आदारून आसा. तो घटस्फोटीत, निवृत्त लश्करी अधिकारी. ती फारपेटांत सोंपिल्ल्या पुलीस अधिकाऱ्याची बायल. अचकीत तीं दोगांय मेळटात. 'कंपेनियन्स' म्हूण एकठांय रावपाचो निर्णय घेतात. दोगांयचीं भुरगीं आपापल्या संवसारांत सुखी आसात. ताका फाटल्या यादींचो तिटकारो येता. ती पावला पावला पावलाक फाटल्यो यादी काडून सुखावता. दोगांयच्या भुरग्यांक तांणी एकठांय रावप नाका आसता. भुरग्यांचे इत्से-खातीर तीं वेगळीं जातात.

सांगात मनीस जातीचो मुखेल घटक ! फुलां-पानां, झाडां-पेडां, शेतां-कणसां खेळटात, किटकिट्टात कशीं सैमा वांगडा आनी फुलतात, फळटात. मनशां तशींच एकठांय येतात आनी जियेतात. एक-दुसऱ्याच्या सांगातान. एकसुरेपणाच्यो कितल्योय व्हडविको गायल्यो तरी साथ सांगाताची गोडी कित्यांतूच मेळची ना. घरपण कुटुंबांतल्यान जल्माक येता. घर म्हणल्यार फकत चार वण्टी न्हय. ल्हान-व्हड प्रसंगांच्यो सगळ्यो खुणो घरभर पातळिल्ल्यो आसतात. ल्हान ल्हान खिणांत मेळिल्लें सूख, एकामेकांच्या सांगातांत फावो जाल्लो स्पर्श, परमळ, रूप तनामनांत सांठून उरिल्लें आसता. कुटुंबीक फास्केंत घालून दवरिल्लें मन केन्नाच मेकळें नासता. आयुश्यांतल्या दरेक मोडणार मनांक खूब घडयो घालून घेवच्यो पडटात.

मनशाची पिराय कितलीय वाडली तरी मनांत ती सुखी संवसाराची नगरी, लग्ना पयलींचो आपालिपा जितो तट्टीत आसता. आयुश्यांतल्यो सगळ्यो गजाली एकमेकाच्या सांगातान करतना घोव-बायलेच्या मोगाचो नाजूक धागो फुडले पिळगे मेरेन सासणाचो उरता. पुणून अचकीत केन्ना वयर वयर उडटना तुटून पडिल्ल्या पतंगावरी, आयुश्यांतल्या सांगाताची दोरी नकळटां तुट्टा. आयुश्याचे वाटेर चुकिल्ले सोबीत खीण हटकून मनांत जागे जातात आनी खंय तरी कितें तरी शेणलां असो दिश्टावो जाता आनी मन दुखावता. सपनां पसून पयस रावपाक शिकिल्लें मन दोळ्यांक पट्टी बांदून घेता आनी घाण्यार वाटकुळें भोंवत रावपा ख्यातीर पाचव्या, निळ्या, तांबड्या यादींक वेंगेंत घेता.

केन्नाय एकलोच आसतना चिंतनाच्या भोंवऱ्यांत मन आकूळ-पिकूळ जावचें आनी कोणाच्याय आवाजाची सुलूस लागना फुडें वाचतां वाचतां पुस्तक धांपचें तश्यो त्यो यादी मनाच्या पुस्तकांत मोरपिसांवरीं धांपून उरतात. भरिल्ल्या संवसारांतल्यान एकसुरेपण वांट्याक येवप, आयुश्यांतलो कसवटणेचो खीण! मातयेंत चलतल्या पावलांक उदकाची ओड लागची तशें एकसुरेपण खावंक येता तेन्ना जीव सांगाताक आशेता. एकसुरेपणाचें दुख्ख न्हिवोवपाक जाय आसता अपुरबायेची बारीकशी फूक. मायेची ओलसाण! निमाणे घटके मेरेन आपल्या वांगडा कोण तरी आसा ही शक्यताय जिणेंत कितलीच उमेद हाडटा. फाटलें विसरून दोन तोंकां वयलीं दोन मनशां सगळीं बंदनां तोडून एकठांय येवंक सोदतात तेन्ना तांकां समजून घेवप खूब गरजेचें ! एकसुरेपणांत स्वताक सावरतना दुसऱ्याकूय सुखी दवरपाची जापसालदारकी बरे तरेन फळादीक जावं येता.

❁❁❁

असली काणी, राजा राणी

एक काणी बरोवंक बसलों. कोणाचेर बरोवप? विशय सुचलो राजा राणीचो. सुरवात कशी करप? आटपाट नगरांतल्या राजाची? ते परस एकाद्रो सिनेमांतलो प्रसंग घेवन सुरवात केल्यार कशी?... कुडकुड्याचें शीं... धुक्याच्या पड्ड्या फाटल्यान दोंगर दर्या लिपल्यात. पानां, फुलां दंवान थपथपल्यांत. अश्या सपनाळ्या वातावरणांत राती पारार एकलोच हेडटना मोगिकेची दुराय कशी सोंसूंक जातली?... रात चडटा... संवसार गाढ न्हिदेंत... पयस खंयचें एक जनेल उगडटा... भितर मोगिका उबी... खिणा उपरांत होलमता तो एक भास... मागीर चुरचुरे.... परत सोदपाक वणवण... काणी हांगा सावन सुरू जाता. तो २७-२८ वर्सांचो देखणो, रूबाबदार नावीक अधिकारी... सिमला कुलू मनालीचे भोंवडेर आयला. थंय ती ताचे नदरेक वता. पयलेच नदरेंत ती ताच्या मनांत भरता. ती आवय-बापाय वांगडा आयल्या. तो तांचे लागीं वळख करता. तिचे लागीं उलोवंक सोदता. ती फाटीं फुडें येता. ताका तिचे बगर रावूंक जायना. तिच्या मोगान पिसो जाला. भोंवडेर तांची चुकामूक जाता. नामो सोदीत तो तिच्या घरा वता. तिच्या बापाय लागीं तिका लग्नाची मागणी घालता. बापूय धुवेची मान्यताय आसतली अशें समजून लग्नाक हयकार दिता. फावो त्या वेळार तांचें थाटामाटांत लग्न जाता आनी राजा राणयेचो नवो संवसार सुरू जाता.

काणयेची सुरवात तर बरी जाली. फुडें कशी व्हरप? सरळ वच्चे परस आडवाटेन गेल्यार मजा येतली... नोकरेक लागून चडसो वेळ राजा भायर उरता. राणी

घरांत एकली. ताच्या मनांत तिचे विशीं कसलोच दुबाव नासता. नेमा प्रमाण कडक शिस्तीचो आसलो तरी तिचेर तो मनापासून मोग करता. घोव-बायलेचें नातें विस्वासाचें नातें! त्या नात्याक वेर वचूंक फावोना! आपले बगर दुसऱ्या कोणाय वांगडा तिचे संबंद आसत हें तो सपनांत लेगीत चिंतना. एक फावट घरा आयिल्ल्या वेळार राजाक 'तो' मेळटा. कसलें एक नातें सांगून ती पचोवन व्हरता. दोन तीन फावटीं अशेंच घडटा. तो तांचेर बारीक नदर दवरता. तांच्या इश्टागतीचें लागसारणपण समजूंक ताका कळाव लागना. ताचें मन बदलता. तें तिच्या लक्षांत वता. ती सावर्चीत जाता. तो दाव धरून आसता. असोच एक फावट 'तो' तिका मेळपाक येता. 'तो' घरा भितर येना फुडें राजा त्या दोगांयचेर रिव्हॉल्वर चलयता आनी तांकां जिवानिशीं मारून वडयता.

केस सुप्रीम कोर्टा मेरेन वता. राजाक ताच्या गुन्यांवा खातीर इंडियन पिनल कोडाच्या ३०२ कलमाखाला मरण ख्यास्त जाता. राष्ट्रपती कडल्यान मरण ख्यास्त जल्मठेपे मेरेन उणी जाता. काणी हांगा सोंपता.

पन्नाशेक वर्सां आदीं मुंबयच्च्या शारांत जावन गेल्ली अशीच एक घडणूक. त्या वेळार खूब गाजली. बरयतां बरयतां काणयेच्या रूपान ताजी जाली. एक गजाल खरी. काणयेचो शेवट सदांच गोड जाता अशें न्हय!

❀❀❀

काळीज जेन्ना भरून व्हांवता

गोंयचे म्हान कवी बाकीबाब बोरकार हांचे एके कवितेंतल्यो वळी अचकीत केन्नाय म्हज्या मनांत घोळटात... ‘हृदयच जेव्हा घनी बहरते जिणें नाचतें बनुनी मोर, हृदयच जेव्हां भरूनी वाहते गंगेहुनी तें थोर.’

मनाशाचें काळीज कितलें संवेदनशील! केन्ना फुलता, केन्ना बावता... केन्ना घसघसता केन्ना आट्टा. मन आनी काळीज कितें तांचें नातें! मन सगळ्या इतल्याक हेड हेड हेडटा आनी काळजांत येवून थिरावता.

काळीज तेंच, मन तेंच आनी अंतस्करण तेंच! मन आनी बुद्द, विचार उमाळे हांचो रिमोट कंट्रोल कशें! जे मेरेन मन आनी बुध्द थीर आसता ते मेरेन मनीस सर्वशक्तीमान. मन आनी बुद्द भश्ट जाली जाल्यार मनीस मनीस उरना, सैतान जाता.

एक मुलाखत वाचिल्ली, केरळांतल्या एका नावाडग्या ड्रग्स स्मगलराची. ताची जीण म्हणल्यार गुन्यांव आनी पश्चातापाची काणी! १९८० वर्सा घुंवळी वखदांच्या व्यसनाचे भकीक पडिल्ल्या सत्तावीस वर्सांच्या रेनीन दुडवां खातीर आपल्या मामा-मामीचो खून केलो. ताका जल्मठेपेची ख्यास्त जाली. बंदखणींत लेगीत ताचीं नावाडगीपणां उणीं जालीं नात. पुणून अचकीत ताचे भितर एक बदल घडून आयलो. एक फावट प्रार्थनेक बशिल्लो आसतना एक दैवी शक्त ताचे भितर जागी जाली आनी ताचें सगळें आंग पश्चातापान तापूंक लागलें. देवा मुखार ताणें पुराय तरेन सुदारपाचो सोपूत घेतलो. तेन्ना सावन तो बऱ्या

कामा खातीर वावरूंक लागलो. बंदखणींत ख्यास्त भोगतल्या गुन्यांवकारांक एकठांय हाडून ताणें तांकां बरी शिकवण दिली आनी चवदा वर्सांनी बंदखणींतल्यान सुटले उपरांत धर्मप्रचारकाचो वावर उंचायेर पावयलो.

मनशाच्या सभावांत खूब व्हडले बदल जाल्ल्याच्यो देखी इतिहासांत आसात. खडपावरी घट्ट काळीज लेगीत झेलावरी वितळटा. आयकुपाक अजाप दिसता पूण अशें घडटा. मनीस जान्याच वायट नासता. विपरीत परिस्थिती, वायट संगत आनी दुश्ट संवयेचो ताचेर परिणाम जाता. वायट प्रवृत्ती बऱ्या गुणांचेर मात करता आनी मनीस वायट मार्गान वचूंक लागता. पूण केन्ना तरी ते प्रवृत्तीचो अतिरेक जाता. मनशाचो वसवस उणावता आनी तो सुदारूंक लागता.

व्ही शांतारामाच्या 'दो आँखे बारह हाथ' सिनेमांत दाखोवन दिलां, दरेका मनशा भितर (मागीर तो केदोय व्हडलो गुन्यांवकार आसूं) कांय बरे गूण आसतात आनी योग्य वेळार ते मोदून काडल्यार वायटांतलो वायट मनीस बऱ्यांतलो बरो जावं येता.

जितलीं मनशां एकामेकांच्या लागीं येतात तितले तांकां तांचे गूण-दोश वळखूंक येतात. लागसारपणांत दुसऱ्याचे बरे वायट गूण आपले मदीं येवपाची शक्यताय आसता. बरे गूण वळखूंक शिकूंक जाय. तांची तोखणाय करूंक जाय. ते शिकून घेवंक जाय. पूण नदर वायटाचेर आसता. ताका लागून बरे गूण नदरेंतल्यान सुटतात. बरें मेळोवपा खातीर वायटाचेर आडनदर करप हिताचें. तशें जालें जाल्यार जिणें जातलें गोड गाणें!

❀❀❀

विश्व कोंकणी ग्रंथालय MANGALORE

मळब हांसता निळें

मिर्गाच्या पावसाची म्हाःका लक्तुबाय. खिणांत पावस खिणांत वत. ही सैमाची नवलाय. पाचव्याचार सृश्टीचेर अवतरता एक मनभुलयणो देखाव. घटके आदीं चकचकपी सुर्या कुपांआड दडून बसला. मळब काळ्या काळ्या कुपांनी गच्च भरून आयलां. पयस खंयतरी दडी मारून बशिल्लें वारें आंगांत भार आयिल्लेवरी झाडां पेडांक हालयत नाचूंक लागलां. चोयकडेन मिट्ट काळोख. धर्तरेची भियेवन गुळी जाल्या... खंयच्याय खिणांक दडक पडुंयेता...

नेटाची वावझड येता. आख्ख्ये धर्तरेक बडोवन काडटा... आंगभर भिजयता. तानेल्ले सृश्टीक पोशेता, सांसपिता आनी आयिल्ल्या वाटेन परतता. काळीं कुपां पयसावतात खिणांभितर. फुलांपानांतल्यान गळटा ओथांब्याचो टपटप. धर्तरी पर्थून एक फावट ताजीतवानी जाता आनी मळब निळें हांसूंक लागता.

पावसांतल्या मळबावरी मनशाचे जिणेंत लेगीत मळब दाट्टा. नात्यां नात्यांत, आपलेपणांत लागसारांत. कुटुंबांत, इश्टागतींत वेव्हारांत. एकाचे चुकीक लागून दुसऱ्याचें काळीज दुखावता. एकामेकालागीं गैरसमज जातात, दुबाव नसते वाडटात आनी मिर्गांतल्या पावसावरी मनांतलें मळब दाटून येता. दुबावाचीं काळीं कुपां धुमशेणां घालतात आनी लागसारपण इल्लें इल्लें पयसावता. पिसुडलेल्या फुलावरी मनाची अवतिकाय जाता. चुकीचें कारण सोदतना मन त्या घडणुकांचेर परत परत भोंवरी मारता. घुस्मटमार सोसूं नजो जाता. एका वेळार दिसता, एकमेकांची चूक समजून घेवची.... मेकळेपणान उलोवन मन उक्तें करचें. पुणून

जाय ते दिकेन पावल घालूंक मन भियेता, कांचवेता. मनशाचे वेगवेगळे स्वभाव, दोगां भितरलें मानसीक अंतर आनी एकामेकांक समजून घेवपाचो उणाव समजिकायेचे आड येता. ताळी एका हातान वाजना....

पुणून खंयतरी कोणेंतरी पावल घालूंक जाय. दोन तुटिल्लीं मनां एकठांय जोडूंक जाय. गैरसमजरूपी कुपांच्या गडगडा उपरांत उतरांच्या आनी दुकांच्या रूपांनीं विस्वासाच्यो पांवळ्यो व्हावूंक जाय, तरच हें मनाचें मळब पर्थून उक्तें जातलें, मेकळें जातलें, निळें निळें हांसतलें.

मनाच्या निळ्या निळ्या मळबांत समजिकायेचो इंद्रधोणू उदेवचो. सात रंगांचीं सपनां घेवन सात सुरांच्या तालार नाचचो. नडी-दुबावाचीं कुपां पयसावत खुशालकायेचो उजवाड पातळचो. मोग-इश्टागतीचीं जोडीत नातीं, भांगराच्या किरणांनी धर्तरेचो सर्ग हांसचो...

❀❀❀

ते सूर, त्यो यादी

पयस खंयच्यान वळखीचे सूर कानार पडटात. तातूंतल्या संमिश्र मंद आवाजान काळीज सुखावता. तातूंत मिसळत वता तें शब्दांचे अत्तर आनी ताचो धुंद दरवळ... पोरणीं पदां जेन्ना हांव आयकतां तेन्ना तीं म्हाका मदलें तपांचें अंतर पुशीत जे वाटेवयल्यान हांव आयलां ते वाटेर परत व्हरतात. भुरगेपणांतले, शाळा-कॉलेजींतले दीस टवटवीत जावन बिरमुटेवरी भोंवरी मारतात. जावन गेल्ल्या खिणांचें आनी आमचें नातें अजून लेगीत शाबूत अशिल्ल्याचो दिश्टावो जाता. एक आपुलकेचें... इश्टागतीचें... खेळीमेळीचें नातें जागें जाता.

जिवीत भरलां तरेकवार सुरांनी. जुळून आयिल्ल्या स्वरसंगितांतले राग आगळे वेगळे. सूर, ताल, लय वेगळी वेगळी. कांय सूर नाचपाचे, मुरगुटपाचे. कांय खंतीचे, विरहाचे. विरहाच्या गितांची लेगीत गोडी अनवळखी... काळजाक तोंपपा सारकी... यादींच्या वाठारांत तिगून उरपाची. दोन दिसांचो सांगात... एके वेगळेच धुंदीत.. उपरांत जाल्ली ती ताटातूट... तो विरह... मन आकूळ-पिकूळ जाता... तेन्ना तुजी याद येता.

खीणभर कानार गुंजता गुलाम अलीची दर्दभरी गजल. तातूंत उक्तायिल्लो मुग्ध म्होंवाळ पिरायेंतलो मोग... नीट काळजा मेरेन पावयिल्लीं तीं उतरां... 'चुपके चुपके रात-दिन आसूँ बहाना याद है। हमको अब तक आशिकीका वो जमाना याद है।' मोगांत दुकां गळोवपाचे... मोगान पिशीं जावपाचे ते दीस.

आयज लेगीत याद जातात. तूं म्हजे जिणेंत आयलें आनी म्हाका एक बळगें मेळ्ळें. चोरून मेळपाचीं तीं गुपीत थळां... त्यो सुखदिण्यो यादी घट्ट काळजांत रोमून उरल्यात. अशेंच एक विरह गीत पेईंग गेस्ट सिनेमांतलें 'चाँद फिर निकला मगर तुम न आए'... ती गायता तिची व्यथा, 'ये रात कहती है वो दिन गए तेरे, ये जानता है दिल कि तुम नही मेरे. खडी हूँ मैं फिर भी निगाहें बिछाये कि तुम नही आए...'

केन्ना नातीं अनपेक्षीतपणान तुट्टात. केन्ना जमनींतली ओलसाण ओडून घेत टवटवीत उरतल्या आंकरां वरी वाडत वतात. तें तुटप, फुलप कशें घडटा, कोणाक खबर? वाऱ्याच्या झोतान रूखा वयलें अमकें पान केन्ना गळून पडत हें कोणाच्यान सांगूंक जाता? अशा वेळार एकाद्रे खांदयेर नवीच फुटिल्ली कंवळी पालवी नदरेक वता आनी आयुश्या विशीं परत एक फावट आस्त दिसपाक लागता.

हें अशेंच आसता. आयुश्याच्या एकसुरेपणांत इतल्या वर्सां उपरांत मनाची दुगदूग मळबांतल्या काळ्या कुपांवरी यादींचे उमाशेंत घुस्मटून उरता. सुखदिण्यो यादी धल्या फुल्ल कुपांवरी भरभरून येतात आनी मनमळब निवळ करतात. सुधीर फडकेच्या आवाजांतल्या गितांत कवी यशवंत देव निमाणे कडेन समजायतात. 'संजीवन मिळता आशेचे, निमिषांत पुन्हा जग सावरले... किमया असली का केली कुणी। स्वर आले दुरूनी, जुळल्या सगळ्या त्या आठवणी.'

❀❀❀

घर खासगी न्हय मनशाळें आसचें

संवसारांत सुवात फावो करपाक सगल्यांक अधिकार आसा. दीसभराच्या धकाधकी उपरांत थकिल्लो भागिल्लो प्राणी विसव घेवंक आलाशिरो सोदता. ताजोतवानो जाता आनी परत भायर सरता. जण एकल्याक जाय आसता आपलें स्वताचें घर. सगल्यांपरस खेरीत अशें एक त्रिभुवन! आपल्या घरांत आपूण राजा कसो, आपखोशयेन वावुरतलों आपल्याक जाय तसो. एका इंग्लीश जाणकाराच्या उतरांनी, 'House of every one is to him castle and fortress, for this his defence against injury and violence, as well as for his repose.'

अनादीकाळासावन घर एक खासगी संपत अशेंच चलत आयलां. घरांतलो कारभार फकत घरांतल्या लोकांखातीर आसा. घरांतले वाद, घराभितर मिटोवप, हेरांनी तातूंत पडचें न्हय असो एक समज समाजांत चलत आसा. इतिहासाचीं पानां चाळ्ळ्यार अशें दिसून येता की, संवसारांत पयलींसावन घर ही एक बळिश्ट आनी अधिकार चलोवपी संस्था जावन आसा. घरांतले अधिकार कुटुंबाचो मुखेली म्हणल्यार कर्ता हाचेलागीं आसताले आनी सगळे निर्णय ताणेंच घेवप अशें थारायिल्लें आसतालें. मुखेल्याचो निर्णय बंदनकारक आसतालो आनी घरांतल्या लोकांनी आपखोशयेन जावं नाखोशयेन तो मानून घेवचो पडटालो. हाचे परस वेगळें अशें त्या वेळार गावांगावांनी कांय जाण्टे आनी अणभवी लोक एकठांय येवन पंचायत चलयताले आनी साबार लोकांच्या दीसपट्ट्या वेव्हाराचेर नियंत्रण दवरताले. घरांतल्यो बारीक मोटच्यो बाबी घरगुती प्रकरणांत

आस्पावताल्यो आनी तांचो न्याय निवाडो गावांतल्या चवाठ्यार जातालो.

आर्विल्या काळांत एकठांय कुटुंबाचें आस्तित्व उणें जावंक लागलें तशीं आदलीं बंदनां उणीं जायत गेलीं. इतलें आसूनय घरा-घरांत जे गैरवेव्हार घडटाले, चड करून बायलांचेर अन्याय अत्याचार जाताले, तातूंत व्हडलोसो फरक जावंक पावलोना. आयज कम्प्युटर युगांत लेगीत बायलांचेर हात उबारप, तांकां वायट वागणूक दिवप, हुंडोबळी सारकेल्यो घडणुको सातत्यान जातात. ना म्हणपाक असल्या गजालीं आड झुजपाक, बायलमनशेक बळगें दिवपाक आपवावुरपी समाजीक संस्था फुडें आयल्यात, आनी नव्या कायद्याच्या आदारान समाजांत एक नवी जागृताय निर्माण जावंक लागल्या.

घर समाजापसून वेगळें न्हय! समाजाचो एक वांटो. आज म्हज्या घरांत घडटा तें फाल्यां तुगेर जावं येता. हे खातीर घराच्या खासगीपणाक समाजाचें संघटीत बंदन आसप गरजेचें! कायदो हें एक ताचें स्वरूप. देखून समाज आनी घर हांचे संबंद सुदारपाक जाय. जिणेंत कांय गजाली खासगी आसतात तरी लेगीत कितें खासगी दवरप आनी कितें जाहीर करप हें दरेकल्याच्या विचारांचेर आसता. गरज आसता तेन्ना फुडें येवन अडचण मांडल्लेबगर योग्य मार्गदर्शन मेळूंक शकना. घोव बायलेचे मतभेद ही गजाल पयलीं पयलीं खासगी आसता पूण वेळ वता तशी ती भौशीक जाता. मगळेकडेन ताची फांफूं जाता. ताचो परिणाम अख्ख्या कुटुंबाचेर जाता. भुरग्यांबाळांचो फुडार इबाडटा. अशावेळार अन्याय जाल्ल्या लोकांची पुनर्वसणूक करपाची जापमालदारकी समाजान घेवची अशें आमकां दिसता. देखून घरांतले गैरवेव्हार चार वण्टी भितर दवरिनासतना फावो त्या ठिकाणार पावोवंक जाय. वेळार जर मतभेद पयस केले तर घरांतले गैरसमज, झगडीं संपुश्टांत येतलीं. हे खातीर समाजांत लोक जागृताय हाडची पडटा. लोक शिक्षण दिवचें पडटा.

रशियन क्रांती फुडारी लॅनीनान म्हणलां, 'देशाची संस्कृताय थंयच्यो बायलो आनी भुरगीं हांकां मेळटल्या साबार वागणुकीवयल्यान थारायिल्ली आसता.' लग्न जावन नवी सून परक्या घरांत येता. लग्ना उपरांत न्हवऱ्या बांगडा नवें जोंडपें घराचो एक गाभो जाता. ताचे उपरांत जरी चार लोकांमदीं एकठांय रावलीं तरी दोगांचेंय मानसीक घर बदलता. घरांत रूळपाक, घरालागीं जुळपाक अस्तुरेक वेळ लागता. अशा वेळार तिका सांबाळून घेवन, तिचो संवसार सुखाचो जावंक

जाय जाल्यार घरांतल्या ल्हान व्हडांचो मोग आनी आदार लागता.

जाणें ताणें आपापल्या घरांत आपलीं भुरगीं सांबाळप ही एक समाजीक वेवस्था आसा. पूण आज समाजांतल्या सगल्याच भुरग्यांक ती सुविधा मेळना. कितलीशींच भुरगीं ल्हानपणांसावन अनाथाश्रम, बालग्राम, रिमांड होम अशे सुवातेर ल्हानाचीं व्हड जातात. आवय-बापूय हक्काची सुरक्षितताय दिवपी आनी अर्थीक गरज भागोवपी आसले तरी मानसीक गरजां खातीर भुरग्यांक हेर मनशांचो सांगात लागता. इश्ट, सोयरीं, नातीं गोतीं, शिक्षक, शेजारी पाजारी हांचेपसून तांकां एक तरेची माया मेळटा. घर ही फकत निवाऱ्याची सुवात नासून मायेमोगाचें घरकूल जावं येता. ज्या संस्कारांत भुरगो वाडटा तातूंतल्यान ताच्या फुडाराची पोसवण जाता. आत्मविस्वासाचें देणें आवय बापूय, गुरू आनी नात्यांतल्या हेर मनशांकडसून फावो जाल्लो भुरगो येसाचे तेंगशेर पावता हाची देख आमकां पावला कणकणीं दिसून येता.

घरांत जावं समाजांत सगळीं जाणा आपल्याक जाय तशीं मेळनांत. जांचे वांगडा रावन वावुरपाक जाय तांच्यो चुको विसरून तांच्या हातांत हात मेळोवपाचें धारिश्ट्य आसूंक जाय. घरांतल्या आनी समाजांतल्या लोकांवांगडा आदल्या अन्याय अपमानाचीं कुतां काडून जियेवचेपरस पोरण्यो कोडू यादी विसरून वर्तमान परिस्थितींत एकमेका वांगडा बरें नातें, बरी इश्टागत जोडपी घरां चड सुखी आसतात.

एक खाशेली वळख

रेल्वेन वतना पयसुल्ले भोंवडेर एकलोच भोंवपाक म्हाका आवडना. म्हज्यांत उलोवपाक कोणूय मेळना जाल्यार दीसभर भायलो सैम पळयत नाजाल्यार पुस्तक वाचीत बसचें पडटा. पुस्तकां वयले वयर चाळून पळयलीं तरिकूय पुराय वाचले बगर तांची वळख जायना. मनशांचेंय तशेंच आसता. कांय जाणां तोंडा पुरतीं उलयतात. फाटीं राजधानी एक्सप्रेसीन आमी दिल्ली वतालीं. आमच्या डब्यांत मुखार एक जोडपें बशिल्लें. तो निवृत्त ब्रिगेडियर राजाध्यक्ष. ती ताची घरकान्न! तिका उलोवपाक जाय आशिल्लें. त्या मानान तो थोडेंच उलयतालो. तीं गोंयचे भोंवडेर आयिल्लीं. तिचे वाडवडिल मुळचे गोंयचे. ल्हान पिरायेर आवय बापाय वांगडा गोंयांत आयिल्ल्याची तिका याद जाताली.

भरती जावन गेले उपरांत दर्यादिरेन ल्हारांचे यादींत रमून वच्चें तशीं तीं उलयतां उलयतां भुरगेपणांतल्यो गजाली सांगपांतूच गुल्ल जालीं. तीं अश्या कुटुंबांत वाडिल्लीं जंय फाटल्या फुडल्यान समाजकारण आनी देश भक्तीचें वारें व्हांवतालें. तिच्या बापायन आनी बापोलयान देशाचे सुटके झुजांत वांटो घेतना बंदखणीची ख्यास्त भोगिल्ली. 'ते दिसूच तशे आशिल्ले' ती सांगताली. १९४२ चें उर्बेवंत भारत छोडो आंदोलन, महात्मा गांधीजींन मागिल्लो उलो, आपणालें सुरक्षीत शिक्षण आनी बऱ्यो बऱ्यो नोकऱ्यो सोडून कितलेशेंच तरणाटे चळवळींत घुसले. स्वतंत्रतायेच्या ध्येयान झपाटून कितल्याश्याच जाणांनी फाटीं फुडें पळयनासतना स्वतंत्रतायेच्या होमखणांत उडी घेतली. तातूंत कितले शेणले, कितले तरले

हाचो हिशोब उरलो ना. साडेतीन शेंकड्यांचो पारतंत्र्याचो शेक सोंसले उपरांत उदेली स्वतंत्रतायेची फांतोड. श्रीमती राजाध्यक्षाच्या जल्मा आदींची घडणूक. तरिपूण तोच तिचे जिणेचो सोबीत खीण! तिचो घरकार एक तडफदार सैनिक! कारगील झुजांत ताच्या दाव्या पांयाक गुळी लागिल्ली. चलतना तो बरोच कुट्टालो. तिचो व्हडलो पूत कॅप्टन आशिश. तीन वर्सां फाटीं श्रीनगरांत जाल्ल्या फारपेटांत हुतात्मो जाल्लो. प्रजासत्ताक दिसा राष्ट्रपतीकडल्यान पुताक फावो जाल्लें 'वीरचक्र' आपणावपाचो भोवमान ते वीरमातेक मेळिल्लो. तो फोटो तिणें सांबाळून दवरिल्लो. तो दाखयतना तिचो गळो भरून येतालो, पूण मुखामळाचेर कसलीच खिन्नताय दिसनाशिल्ली. पुताच्या मरणाची खंत तिका आशिल्ली पूण तिची दुख्ख सोंसपाची तरा वेगळी आशिल्ली. तिचो दुसरो पूत भारतीय नावीक दलांत लॅफ्टनण्टाच्या हुद्द्यार आसा हें ती उमेदीन सांगताली.

आमी आमच्या भुरग्यांक कितलेय पयशे खर्चून बऱ्या उंचेल्या वेवसायिक कोर्साक धाडटात. तांकां मिलिटरींत धाडपाचें जाल्यार फाटीं फुडें येतात. हांगा म्हजे मुखार आवय बापूय आशिल्लीं जीं कसलींच आडमेळीं मनांत हाडिनासतना आपखोशेन आपल्या भुरग्यांक लश्करांत धाडटालीं. देशा खातीर जगप आनी देशा खातीर मरप हेंच एक ध्येय तांचे मुखार आशिल्लें. एके ल्हानशे भेटींत तिचीं कितलींशींच रूपां हांवें प्रत्यक्ष अणभविल्लीं. वीरकन्या, वीरपत्नी, वीरमाता! दोन आगळ्या व्यक्तीमत्वांची एक खाशेली वळख फावो जाल्ल्याची खोस म्हाका ते भोंवडेर मेळिल्ली.

परसुवादीन

मनशाचें आयुश्य म्हणल्यार वत-सावळेचो खेळ. केन्ना वत जाल्यार केन्ना सावळी. पिराय जाण्टी जाता तितली आयुश्यांतली सांजवेळ दाटूंक लागता. कांय जाणां खातीर तार्कतिकेन येता आनी खिणां खातीर तांचे जिणेचो पर्जळीत उजवाड काळखाचे सुवादीन करून वता... केन्नाय फावल्ल्या वेळार प्रोफेसर सॅम म्हाका जिणेचें तत्वगिन्यान विस्कावन सांगतालो. ताच्याच तोंडांतल्यान आयिल्लीं उतरां ताकाच लागू जाल्ल्याचो विचित्र अणभव म्हाका ताची अपंगूळ अवस्था पळोवन आयलो.

प्रोफेसर सॅमा लागीं म्हजी वळख योगायोगान जाली. मुंबय बदली जाले उपरांत हांव अंधेरी गावपाक आयलों. म्हज्या बिराडा मुखा वयल्या इमारतींत प्रोफेसर रावतालो. बाल्कनींतल्यान ताचें येवप-वचप म्हाका दिश्टी पडटालें. कसल्या ना कसल्या विचारांत फाटीक कोण लागिल्ले बरी ताचें चलप आशिल्लें. ताचे विशीं खूब आयकल्लें. मुंबयचे नांवाजिल्ले कॉलेजींत अर्थशास्त्र विभागाचो मुखेल ही ताची मुळावी वळख आसली तरी एक व्हड समाजकारणी, नामनेचो साहित्यिक, ज्येश्ठ शिक्षणतज्ञ, बरो वक्तो अश्यो कितल्योशोच उपाध्यो ताच्या नांवाक जोडिल्ल्यो. इंग्लिश मासिकांनी, दिसाळ्यांनी ताचे लेख उजवाडा येताले.

सदां सकाळीं जॉगिंग पार्कांत आमचें मेळप जातालें आनी ताका लागून आमची दाटी जाली. ताच्या लेखाचेर हांव केन्ना म्हजे विचार मांडटालों ते तो थंडपणान आयकतालो आनी ताची फोडणिशी करतालो. ताचें खरें रूप हांवें

पळयलें डिसेंबर १९९२ चे बाबरी मशीद मोडतोडी उपरांत घडिल्ले मुंबयचे दंगली वेळार. आख्खी मुंबय तेन्ना पेटील्ली. वेगवेगळ्या जमातींतले लोक एकामेकांक जिवे मारपाक फुडें सरिल्ले. तो सांवार, ती अशांतताय आळाबंदा हाडपाक मुंबय शारांत आपवावुरप्यांनी फुडें येवन 'पीस कमिट्यो' घडोवन हाडिल्ल्यो, तांतूंत प्रोफेसराचो व्हडलो वांटो आशिल्लो.

कांय वर्सां उपरांत म्हजी मुंबय सावन बदली जाली तेन्ना आमचो संपर्क बरोच उणो जालो. ना म्हणल्यार मदीं मदीं फोन करप, सणा सुवाळ्यांक परबीं दिवप जातालें. हालींच मुंबय गेल्लों तेन्ना ताका मेळपाक गेल्लों. ताका पळयना फुडें म्हजो आवरो उडलो. प्रोफेसर म्हाका न्हय, कोणाकूच आपल्याक लेगीत वळखनाशिल्लो. तो अल्झैमर पिडेचो शिकार जाल्लो. खूब वर्सां पयलींच्यो गजाली ताका याद जाताल्यो. पुणून आयज-काल कितें घडटा ताची ताका सुबूद्द नाशिल्ली. कसली ही असाध्य पिडा? वैजकीशास्त्राक केन्नाच सुटनाशिल्लें कुवाडें? आनी प्रोफेसर सॅमा सारक्या देवमनशाक जाणें आयुश्यभर निसुवार्थीपणान लोकांची सेवा केली. साहित्याचेर मना पसून मोग केलो. शिक्षणाच्या मळार येदें व्हडलें योगदान दिलें.... आज तोच मनीस परसुवादीन जाल्लो. निमाणें नियती फुडें कोणाचेंच कांय चलना. प्रोफेसराची अवतिकाय पळोवन म्हजी खंत उक्तावपाचीं उतरांच गोठेलीं. हांवें मोन्यांनी ताचे फाटीर हात ओडलो आनी जड अंतस्करणान थंयच्च्यान भायर सरलों.

❁❁❁

पावला कणकणी

नंदाचो पोर भोवच मस्तखोर!

गवळणींच्या घरांत वचून नंदकिशोर धंयाचे हंडे फोडून घटाघटा पितालो आनी उरफाटें तिच्याच पदरान तोंड पुसून पपा काडटालो. असोच एक फावट यशोदामातेन केल्ले बुंदीचे लाडू कुक्कुल्ल्या कृष्णान एकेक करून सगले खावन उडयले. आनी आवयन दुबाव घेतकूच आपूण साव म्हणून दाखोवपाक तोंड उगडलें आनी कितें अजाप.... बाळकृष्णान आं... केल्ल्या तोंडांत यशोदेक आख्खी धर्तरी घुंवता असो भास जालो.

आजच्या काळांत आमकां घरा बसून टेलिविजनाच्या माध्यमांतल्यान सगळ्या संवसाराची जाणकारी मेळटा. ताका लागून घडयें आमकां यशोदेन पळयल्ल्या अजापाचें व्हडलेंशें दिसना जांवये. पुणून कितेंय जालें तरी पयसुल्ली गजाल पळोवप, आयकुवप वेगळें आनी अणभवप वेगळें! वयल्यावयर पळोवन जर मनशाचें अंतर्मन आमकां कळत आशिल्लें जाल्यार कितलें बरें जातलें आशिल्लें? एकवेळ मुखार उब्या शिंगांनी मारूंक येतल्या बैला वा पिसावल्ल्या सुण्यापसून आमच्यांनी सादूर रावंक जाता. पूण गोड गोड उलयतल्या सभाग्यांकडल्यान धोको केन्नाच जावचोना हाची खात्री कोण दीत? मनीस कितलोय बुदवंत आनी अणभवी आसलो तरी फिशाल केन्नाच न्हय! देखून मनीस हो सगळ्यांपरस फटोवपाक सोंपो प्राणी! वर्सांसकींनी चलत आयिल्ल्यो फटोवपाच्यो चाली चिरंतर आसात. तातूंत कांय एक फरक पडूंक ना.

देखीक... 'तुजीं कागदपत्रां सकयल पडल्यांत' म्हणून सांगून नदर चुकोवन पैशाचें बॅग उखलून व्हरप, घरांत वचून बायलांक भांगर पॉलीश करतां म्हूण सांगून भांगराच्यो वस्ती ना करप, रस्ते का माल सस्ते में म्हणून नकली माल पदरांत घालप असल्या घडणुकांचो हातूंत आसपाव आसा.

आमी आमच्या सदांच्या वेव्हारांत बेत आंखतात, तजवीज करतात. पूण सगळेंच घडून येता अशें खंय आसा? खंय ना खंय कसलीय असुविधा सामकार येता आनी आमचीं कामां तडीक वचूंक पावनांत. उदाहरणां दिवपाचीं जाल्यार आमी वेळार पावपाक जाय म्हणून भायर सरतात आनी अचकीत गाडयेचो टायर पंक्चर जाता, बरी कार्यावळ चालू आसतना अचकीत विजपुरवण बंद जाता, विम्याची नोटीस वेळार मेळना जावन गाडयेचो विमो वेळार भरपाक चुकता आनी जुस्त तेन्नाच गाडयेक अपघात जाता, ऐन वेळार कांय कारणांक लागून रेल्वे वा विमानाची भोंवडी रद्द जाता... असल्यो घडणुको हांतूत आसपावतात. आतां ह्या असुविधांक लागून आमी कोणाकूय दुशण दिलें तरी लुकसाण आमचेंच! जाणां जावन लेगीत आमी असल्यो गजाली टाळूंक शकनात ताचेर उपाय म्हणल्यार तकली थंड दवरून तातूंतल्यान भायर सरपाची वाट काडप वा आसा ते परिस्थितींत सांबाळून घेवप!

आमच्या पावला-पावलाक धोको आसता. धोको जिणेचो वांटेकार म्हणल्यार अतिताय जावचीना. फुडें कितें जातलें हाचें आमकां भान नासता. सदांभशेन आमी भायर सरतात आनी अचकीत कितेंय अवचिन्न घडटा. हाकाच अपघात म्हणटात. मुंबयच्या गोरेगांव शारांत फांतोडेर पासयेक गेल्ल्या वकिलाक वाग मारून उडयता, कॉलेजींतल्यान घरा वचूंक रस्त्याकुशीक उबे राविल्ले चलयेच्या तोंडार कोण येवन ॲसिड ओंतता, प्रजासत्ताक दिसाची कार्यावळ ऐन रंगांत असतना भुंयकांपान शाळा आनी तातूंतलीं भुरगीं उध्वस्त जातात! असल्यो कांय घडणुको म्हणल्यार हाचें उदाहरण. अशें सगळें घडटा म्हणून कितें आमी सगळें सोडून घरा बसपाचें? कोणेंतरी म्हणलां, 'सुस्त बसता तोच फसता.' देखून दरेका कामांत जोखीम घेवचीच पडटा. वेवसायीक मेजून जोखीम घेतात. जोखीम घेतलेबगर कामाचे परिणाम मेळनांत. जिणेच्या दरेका पावंड्यार निर्णय घेवचो पडटा. चंद्रीम जसो कलेकलेन वाडत वता तसो एक अभ्यासू उमेदी आपले जिद्दीन आनी कश्टान कलेचें सार्थक करता. जिणेंत मोंख दवरून

आपल्यो इत्सा साकार करून घेता.

ल्हान वयांत बरे संस्कार जाल्ले भुरगे जाबाबदार नागरिक जातात. संस्कारा वांगडा, सांगात आनी सहवासाचो परिणाम भुरग्यांच्या फुडाराचेर जाता. बऱ्यांमदीं राविल्लो बरो जाता आनी वायट संगतीक लागिल्लो पाड जाता. जसो रोंपो वाडटा तशी ताका जाय तशी माती, सारें मेळ्ळें की तो फुलता. मनीस येवजिता, बेत आंखता पुणून निमाणें ताज्या हातांत कांयच नासता. केदोय व्हडलो बळिश्ट लेगीत सैमामुखार हार मानता. विधात्यान प्राणीजातीक सगळ्यो सुविधा दिल्यो, हक्क दिले पुणून नियती आपले लागीं दवरली म्हणून तर आयज आमचे जिणेंत जें किते घडटा तें नियतीचे इत्सेप्रमाण!

❀❀❀

घडटां घडटां

म्हणटां म्हणटां मार्च सोंपलो. म्हयनो सुरू जालो तेन्ना दिसतालें, एकतीस दिसांचो म्हयनो, हातांत जायतो वेळ आसा. आर्थीक वर्साच्या पयल्या इकरा म्हयन्यां परस निमाणो म्हयनो धांवपळीचो. वर्सभर ज्यो येवजण्यो आखल्यो, जें टार्गेट थारायलें तें पुराय करून दाखोवपाचो होच म्हयनो. आयज मेरेन तें घडत आयलां. इतलें आसून निमाण्या वेळार जी धडपड जाता, जो ताण येता, तो कसोच चुकना. ह्या म्हयन्याचे निमाणे दोन-तीन दीस म्हणल्यार पिकून फुटूंक आयिल्ले केंसोळे सारके. सगळें सारकें जालें तसो जीव सूऽ जाता. ही धांवपळ सोंपली तशें मागीर वर्साचें जमाखर्चपत्रक वेळार मांडपाचें टॅन्शन. हें सगळें सोंपोवन मागीर चार दीस आपले खातीर दवरपाचे. वेळाकाळाचें भान दवरिनासतना वेव्हारीक संवसारा लागीं फाट करून दोन दीस मेकळेपणान उधाण वाऱ्यावरी उडपाचें. फाटलीं कितलीं वर्सां सावन हें संवकळीचें जालां.

इतल्या वर्सांत कितले कंपेनीयन्स बदल्ले. कितले बॉस आयले आनी गेले. प्रमोशन्स मेळ्ळीं. कामां वाडलीं, वेव्हारीक वेवसायीक नातीं जोडलीं-वाडलीं. बरे इश्ट मेळ्ळे. कांय विरोधक मेळ्ळे. ऑफिसाच्या वातावरणांत समरस जायत गेलों. नकळटां ऑफिसाच्या राजकारणांत घुस्पलों. कदेलार बसून जनेलांतल्यान दिसतल्या मळबा कडेन पळयतां पळयतां फुडल्या वर्साचे बेत आंखले. मेळिल्ल्या येसान खुशालभरीत जावन भराभर फुडल्यो-फुडल्यो येवजण्यो आंखल्यो. अचकीत आयिल्ल्या अपेसान निर्शेलों. केन्ना जुनियरांचेर तापलों. केन्ना बॉसाची

उलोवणीं खालीं. कामाच्या बोवाळांत कॅबिना भायर वेगळें जग आसा हें विसरूनच गेलों.

वेवसायीक जिणेंतले विंगड विंगड टप्पे अणभवले. एकाधिकारशाय पसून जागतिकीकरणा मेरेन आनी राष्ट्रीयकरणा सावन खासगीकरणा मेरेन. आयचो काळ जागतिकीकरणाचो, सर्तीचो काळ. 'परफॉर्म ऑर क्विट' ह्या धोरणाचेर आदारिल्लो. तेय सर्तींत देंवलों. जें कितें मेळपाचें तें मेळोवपाचो यत्न केलो. तीर केन्ना लागलो, केन्ना चुकलो. सर्त पराकाश्टेची आसता. दोगां भितर एकल्याक मेळप साहजिकच आसता. हें जाणा जावन येसाच्यो दिको सोदूंक उमेदीन वावुरलों. जें कितें वगडायलें, ताची खंत केली ना. जें मेळ्ळें, फावो जालें, तीच सासाय समजून धादोशी रावलों.

काळा वांगडा सगळें बदलता. मनीस फुडें फुडें वचत रावता. दर वर्सा नवी मोख नवें लक्ष्य! जितली 'टार्गेट' वाडटा तितलीच ताची पुर्णताय जायत आसता. उदरगतीचें बीं किल्लता ताचो गोंपो जाता, कांय तेंपान ताचो म्हान रूख जाता. मनशां येतात, मनशां वतात, 'कंपनी' सासणाची जावन उरता. तिका म्हातारपण नासता. कंपनीच्या आस्थापना वांगडा कामगार वाडटा. कंपनींत मेळिल्ल्या अणभवान, गिन्यानान गिरेस्त जाता. कंपनीच्या नांवा वांगडा एक नातें जोडटा. घडटां घडटां कंपनी आपल्या वांगडा कामगारांक घडयता. हें घडप, हें जोडप एकामेकां बगर साध्य जायना.

कोणाक म्हणूं नाका

ऑफिस सोंपल्या उपरांत सगळ्यांक घरा पावपाची ताकतीक जाता. इंडस्ट्रियल इस्टेटीच्या थांब्यार सांजवेळार बशीची वाट पळयत ताटकळत उबीं राविल्लीं कितलींशींच जाणां दिश्टी पडटात. कांय जाणां येतल्या-वतल्या गाडयांक हात दाखयतात. काल अशीच हांवें गाडी थारायली. तिगां-चवगां बेगीबेगीन येवन गाडयेंत भितर सरलीं. फाटल्यान बशिल्लीं दोगां तिगां कुचूकुचू करून कितें उलयत आशिल्लीं. घडये तांचें संभाशण कांय वेळ चलतालें. कांय उतरां मदीं मदीं म्हज्या कानार पडटालीं. तीं तांच्या ऑफिसांतल्या सांगात्यांविशीं उलयतालीं. 'शी इज फिट फॉर नथिंग' एकले म्हणटालें. 'डेफिनीटली' दुसरें ताका पुश्टी दितालें. म्हाका तांच्या उलोवण्यांत उस्तूकताय नाशिल्ली आनी तीं कोण, खंयच्या ऑफिसांत काम करतात जें जाणा जावन घेवपाची इत्साय नाशिल्ली. पुणून कोणाचेय योग्यतायेचेर, लायकेचेर दुबाव घेवन ताचेर टिका करप हें बरोबर न्हय!

चडश्या लोकांक दुसऱ्या विशी वांकडें उलोवपांत, तांची तासमपट्टी करपांत मजा येता. मनीस खंयचे वटेन गेलो तरी आपलो मूळ स्वभाव सोडना. तो मागीर पुराणांतलो आसूं, कथा काणयेंतलो आसूं नाजाल्यार जेट युगांतलो आसूं. आपल्या कलसांव-खोमसाच्या बोल्साक पडिल्लो बुराक तो लिपयता. दुसऱ्यालो पळोवन हांसता. दुसऱ्यान ताचो ताका दाखोवन दिल्यार ताका राग येता. मागीर तूं... तूं हांव... हांव सुरू जाता. संवसारांत जण एकलो आपुणूच हुशार आनी

शाणो समजता. ताका लागून तो ताची उदरगत हेरांक उणें लेखपाचे शिमे पुरती राखून दवरता. आपणे केल्ल्यो चुकी तो सहजपणान मान्य करना आनी केल्ल्या चुकींचें समर्थन करपाक कितलींशींच निमित्यां दिता. कारण चूक जाल्या हें बरेंपणान मानून घेवपाक एक वेगळेंच पुरायपण आनी प्रामाणीकपण लागता.

चाडयो-चुगल्यो करप मनीसजातीची वायट संवय! एकामेका विशीं वायट कितेंय सांगप आनी इतलें करून आपूण तातूंतलो न्हयच अशें दाखोवन दिवप. ताका लागून गैरसमज जातात. कोणाय विशीं आमच्या मनांत आदर आसता. एक विशिश्ट नातें आसता. दुसऱ्याचे सांगणेवेल्यान केन्ना केन्ना तो आदर, तें नातें विस्कटून वता. त्या मनशा विशीं मन बदलता. स्पश्टपणान ताका विचारपाक मुर्वत दिसता. घुस्मटमार वाडटा. ताची अडचण पावला-पावलाक जाणवता. मना वयलें वजें जड जाता. फावो त्या वेळार सरळ मनान उलोवन गैरसमजुतीचें बंदन तोडून उडोवप गरजेचें!

चाडयाळो चाडयो करून मेकळो जाता. चाडयो आयकुपी तातूंतलें कितलें खरें, कितलें फट हें सोदून काडपाक वचना. तें करपाक ताका वेळ नासता. ताका लागून चाडयाळ्यांचें फावना. लोकांच्या तोंडाक लागचे परस 'आपलें नाशे जगाचें हांशें' येवजून कोणूय बाबडो लोकलजेखातीर परतें विचारचे परस तोंड धांपून रावता. पुणून कसल्याय गजाल फां फां करप्याक आपल्या पांयां कडेन पळोवपाची बुद्द केन्नाच कशी येना हें एक कुवाडें!

❀❀❀

तुमच्या कर्तुबांचो परमळ पातळचो

देवान जेन्ना सृष्ट निर्मिली आनी प्राणीजात जल्माक घाली तेन्ना मोनजाती परस खेरीत अशी मनीसजात घडयली आनी सगळे गूण तिकाच दिले. विचारशक्त, वाचा, बुद्द, तर्कगिन्यान, आकलन शक्त, सभ्यताय हे सगळे गूण मनशांच्या वांट्याक आयले. हे गुणवत्तेच्या आदारार मनशान उदरगत करतना मोनजातीचे गुणदोश आपणा लागीं ओडून घेतले. देखून मनीस जनावरां सारको क्रूर, रानटी वागूंक लागलो. बऱ्या कर्मा वांगडा वायट करण्यो करूंक लागलो आनी मागीर ताचें उजूपण उणें जायत गेलें आनी दुश्ट वृत्ती वाडूंक लागल्यो. इंग्लिश कादंबरीकार आर. एल. स्टिवन्सन हांच्या डॉ. जॅकल ॲण्ड मिस्टर हायड हे नवलकथेंत मनशाच्या बऱ्या आनी वायट प्रवृत्तीचें सोबीत चित्रण केलां.

मनीस जात्याच वायट नासता. विपरीत परिस्थिती, वायट संगत आनी दुश्ट संवयीचो ताचेर परिणाम जाता. वायट प्रवृत्ती बऱ्या गुणांचेर मात करतात आनी मनीस वायट मार्गान वचूंक लागता.

शेक्सपियरान म्हणलां तशें संवसार ही एक माची आनी आमी सगळीं मनशां ते माचयेवयलीं सवंगां. नाटकांत जसो नट विंगड विंगड सवंगां सोबयता तशींच सवंगां आमी जिविताचे माचयेर करतात. वास्तवीक नदरेन पळयल्यार हीं नाटकीपणां आमच्या आंगांत भरसल्यांत. सभ्यतायेच्या बुरख्या आड चार-चवगांत आमी आमचें खरें स्वरूप धांपून दवरपाचो यत्न करतात. आमी केल्ल्या चुकांचें समर्थन करपाक आमी कितलींय निमतां दितात. कारण चूक जालां तें

बरोबर सिद्ध करपाक एक आगळें पुरायपण आनी प्रामाणीकपण लागता. हेच खातीर आमी सोंपे मार्ग आपणायतात. वेव्हार कामाचो जावं नात्यांतलो, नाकाशिल्ले तडजोडींक आमी एकमत जातात आनी तश्यो तडजोडी आपणायतात ज्यो आमची अनिश्चितताय आनी उणेपणाच्यो भावना खिणभर लिपोवन दवरता आनी आमका सुपरस्टार म्हणून चडोवन घालतात.

आमी सुवार्थ, लोभ-नांव, कीर्त जोडपाक इतले आशेल्ले आसतात की, त्यो साध्य जाल्यो ना जाल्यार जिणेंत उदासपण हाडटात. खूब फावटी आमी वाट सांसपीत आनी भुजां गळसणावन चलतात की आमच्या आमकांच हारशांत आमचें पडबिंब पळोवपाक भिरांत दिसता. कारण भायल्यान आमी आमचें चित्र इतलें सोबीत आनी आकर्शक केल्लें आसता जी आमची खरी वळख जावकच शकना.

आमचे सरभोंवतणी दिसपट्ट्या जिणेंत खूबशा रागीट लोकां लागीं आमचो संपर्क येता. जेन्ना शारिरीक हानी जावपाची भिरांत ना जाल्यार आपल्या हक्काची हानी जावपाची भिरांत आसता, तेंय राग येवपाचें मुखेल कारण. घुस्मटून फुगार जाल्लो राग एक दीस सांवार आनी हिंसेच्या रूपांत भायर फुट्टा. रागाचे परिणाम वायट आसतात. एकामेकांविशीं गैरसमज वाडटात. दुस्वास आनी खुनशी वान्सा वाडूंक लागता. दुस्मानकी मूळ घेवंक लागता.

मॉब व्हायलन्स म्हणल्यार हिंसक जमाव. हें एक रागाचें उदाहरण. एकल्या दोगांचे तिडकीक आनी संतापाक लोक जेन्ना फाटीं फुडें चिंतनास्तना अविचारान तेंको दितात तेन्ना हिंसक जमाव तयार जाता.

तिडक कशी आनी केन्ना येता हें आदीं कळना. मनामागकी गजाल जेन्ना जुळून येना तेन्ना आपशींच एकाग्रताय शेणटा आनी मनीस खुबळटा. भगवदगीतेंत सांगलां ते प्रमाण रागांतल्यान भ्रम निर्माण जाता आनी खीणभर मनशाची याद उणी जाता. त्या उणावांतल्यान सारासार विचाराची गती मंद जावंक लागता आनी तिडकल्लो मनीस कांयचे कांय करून बसता. कुरूक्षेत्राच्या झुजा मळार श्रीकृष्णान अर्जुनाक उपदेश केलो. 'मनशाची नासाडी जावंक हाव, लोभ आनी क्रोध ह्यो तीन गजाली पुरो जातात. ह्या तिनांचोय त्याग करप गरजेचें.'

राग ना येवप ही एक दैवी संपत. तरी आसतना आपणाल्या हक्काखातीर जण एकल्यान झगडूंक जाय. मागीर ताचे आड तांचे सोयरे आसूं, इश्ट आसूं,

गुरू आसूं ना जाल्यार भावंडां आसूं. राग येवप सभावीक आसा. पूण ताचेर संयम कसो दवरप आनी तो कसो वश करून घेवप हें म्हत्वाचें! जेन्ना जेन्ना अधर्म, अन्याय, अत्याचार जाले तेन्ना देव लेगीत क्रोधिश्ट जाले आनी त्या रागांतल्यान तांणी अधर्म, अन्यायाचेर मात केली. देखीक महिषासुरान जेन्ना निष्पाप, भोळ्या लोकांची हत्या केली तेन्ना महादुर्गेन संतापाच्या भरांत मर्दिनीचो अवतार घेतलो.

रागाचो अतिरेक जाल्यार परिणाम वायट जावंक पावतात. पूण संयम दवरल्यार राग एक बळिश्ट अस्त्र जावंक शकता. वायट संगत आनी पाड्या संवयींक लागून जर आयचे तरणाटे बुरश्या कामांत वावरूंक लागले जाल्यार मनीसजीण एक शोकांतिका जावन पडटली. देखून तरणाट्यांक मार्गदर्शन करून बरी शिस्त लावन तांच्या विनाशकारी रागाचेर मात करप हातूंत जनसामान्य लोकांचें हीत आसा.

खंय आनी कोणागेर जल्म घेवप, आमचें लिंग कितें आसप असल्यो परिस्थिती आमी वेंचूंक शकनांत. पूण हेंवूय खरें की आमी आमचे विचार थारावंक शकतात आनी आमच्या नशिबाक बरो आकार दिवंक शकतात. बऱ्या विचारांतल्यान बऱ्यो संवयी लागतात जाका लागून आमी उमेदी रावूंक शकतात. बरे विचार चालीक लावप कठीण. कसल्याय गजालींत सुदारणा हाडप आनी ताचें समर्थन करपाक तन, मन आनी आत्मो हांकां आळाबंदाक हाडून साधना आपणावची पडटा. संस्कृत कवी कालिदासान सांगलां तशें 'शरीरम आद्यं खलु साधनम्' म्हणल्यार कुडीचेर ताबा मेळोवप ही सगळ्यांत व्हडलीं सिद्धी जावन आसा. शारीरिक शिस्त, जायतो आदार आनी वेवस्थीत जगपाची पद्दत मनशाचे जिणेंत शास्त्रीय बदल हाडटात आनी तांची विचारशक्त खूब प्रमाणात प्रभावीत करतात. उंचेल्या विचारांनी मनशाचे वागणुकीचेरच न्हय तर ताच्या व्यक्तीमत्वाचेर आनी चालचलणुकीचेर प्रभाव पडटा. जिणेंतल्या चारूय वाटांनी ताचें नातें वाडत वता आनी नांव जाता.

फूल भोवव्यापी आसा कारण ताचेलागीं ताचे नाजुकसाणेन सैमाचो सोबीत अंश ओडून घेवन कंवळ्या पाकळ्यांच्या रूपान पर्थून उत्पन्न करपाची तांक आसा. ताचे भितर सुवासीक परमळ आसपावन घेवन वाऱ्या वांगडा धाय दिका पातळावपाची तांक आसा. ताचे लागीं खिणां खिणांक, थेंब्या थेंब्यान एकठांय

केल्लो गोड सुगंध सगळ्यां लागीं वांटपाची शक्त आसा.

संवसाराचे सर्तींत दरेकल्यान धांवत रावपाचें, आपलें अंतस्करण सोदून काडपाचें आनी बरे गूण उजवाडांत हाडपाचे. तशें केल्यार आमकां भोवव्यापी फुलांवरी जगपाची आनी संवसारा वांगडा मनसोक्त आनी रचनात्मक नातें जोडपाची संद मेळटली. रजनीश ओशो हांच्या उतरांत फूल हें गुलाब, साळीक काय जायो हें विशेश न्हय, ज्याचो परमळ चोंयवशींनी दरवळटा ताकाच फूल म्हणटात. 'भोवव्यापी फुलावरी तुमच्या कर्तुबांचो, कलेचो आनी गिन्यानाचो परमळ असोच पातळचो ही इत्सा!

❀❀❀

दिश्टांत

कितलो वेळ ती तशीच बसून आशिल्ली. दोळे धांपून, दोनूय पांय दोडून, दोनूय हातांचो पोसो करून अल्ला लागीं दुआ मागताली. तिका कसलीच साबुद्द नाशिल्ली. हॉस्पिटलाच्या त्या वॉर्डांत तिच्या घरच्यांची आकांतान धांवपळ चलिल्ली. रमीझाक, तिच्या नातवाक मोटरसायकलीचेर अपघात जाल्लो. ताचे तकलेक मार लागिल्लो आनी रक्तबंबाळ बेशुद्ध अवस्थेंत ताका हॉस्पिटलांत हाडून 'आयसीयूंत' दवरिल्लो. चोवीस वरां भितर शुद्धीर आयलो जाल्यार ताची वांचपाची शक्यताय आशिल्ली.

पिडेस्ताची परिस्थिती हाताभायर वता तेन्ना दोतोर लेगीत देवाक विनवणी करतात. असल्या खिणाक सामकार वचप मोट्या धिराचें काम! आज मेरेन तिणें, नजीमा बीन जिणेंत कितलेशेच चड उतार अणभविल्ले. दरेका प्रसंगाक ती खंबीरपणान उबी रावली. घरांतल्या ल्हान-व्हडा खातीर दीस-रात वावुरली.

शेजारपणाक लागून फाटलीं कांय वर्सां म्हजो तिच्या कुटूंबियालागीं संबंद आयिल्लो. आमचे हावसिंग कॉलनींत ती रावताली. तिचो घरकार तिजुल्यांचो वेव्हार करपी. ताका चार पूत, चार धुवो. घरकाराच्या अकाली मरणा उपरांत नजीमा बीन व्हड कश्टान भुरग्यांक वाडयलीं. तांकां बऱ्या मार्गाक लायलीं. धुवांचीं लग्नां करून दिलीं. आयच्या काळांत लेगीत एकठांय कुटूंब कितलें सफळ जावंक शकता हाची एक बरी देख ह्या कुटुंबान दाखोवन दिल्ली. दोग पूत जरी वेगळे रावताले तरी तांचें आवय म्हऱ्यांत येवप-वचप आसतालें. सणा-

परबांक आनी सुटयेच्या दिसांनी तांचें घर भरिल्लें आसतालें. दोन कुडींच्या घरांत वीस-पंचवीस लोक आरामांत रावूंक शकतात हें एक अजापच दिसतालें.

फाल्यां चवथीचो दीस. चोयवशीन चवथीचे वेध लागिल्ले. घड्याळीचे कांटे झपाट्यान घुंवताले तितली सगळ्यांची अस्वस्थताय आनिकूय वाडटाली. ब्यान्नर-त्र्यान्नर वर्सांची आजी आपल्या नातवाच्या आयुश्याची भीक देवालागीं मागताली. ''देवा, अल्ला ईश्वर सगळीं तुजींच रूपां. फाल्यां घराघरांनी गणपतीबाप्पा येतलो. देवा तुजेलागीं मागतां. म्हजो नातू म्हज्या पदरांत घाल. म्हजें उरिल्लें आयुश्य ताका दी. म्हाका आनीक कांय नाका.''

विचारांचे तंद्रींत तिचो दोळो लागलो. फांत्या पारार कोणतरी तिका हालोवन उठयतालो. तिका सांगतालो, नजीमा, उठ. रमीझ बरो जातलो. ताचो हुस्को करूं नाका. ती खडबडून जागी जाली. आशीकुशीक तिका कोण दिसलो ना. एकाच जाग्यार बसून आंग दुखतालें. नजो जाता करून वण्टीक हात तेकयत ती चलपाक लागली. बल्बाच्या अंधूक उजवाडांत फुडल्यान तिचो पूत बेगीबेगीन येता तो तिका दिसलो.

"अम्मा रमीझ को होश आया!"

फांतोडेच्या प्रसन्न वातावरणांत वाऱ्याची मंद झुळूक येवची तशीं तीं उतरां कानार पडना फुडें ती उर्बेभरीत जावन नेटान चलपाक लागली....

आपल्याच जगात

चवथीचे दोन दिसांचे सुटये उपरांत ऑफिसाक वचपाक एके तरेची सुस्ती येता. तातूंत आनी सकाळच्या वेळार येरादारीची कोंयडी, गाडयांची लांबचीलांब रांक, सगळ्यांक कामार पावपाची ताकतीक. ते गर्देंत पयसुल्ल्यान सुदन म्हाका दिश्टी पडलो. व्हडलीं व्हडलीं धेंपा मारीत वतालो. हांवें गाडयेंतल्यान हात दाखयलो. एक दोन फावटी हॉर्न मारलो. ताचें लक्ष नाशिल्लें. तो फुडें चलत आशिल्लो. सिग्नल मेकळो जालो तसो हांव म्हजे वाटेन गेलों. मोबायलार ताचो नंबर घुंवडायलो. मोबायल 'ऑफ' आशिल्लो.

दरवर्सा चवथीक तो येता. पांच सात दीस रावन वता. म्हाका मेळ्ळे बगर वचना. दोन दीस ताच्या फोनाची हांव वाट पळयतालों. आयज कामाचे गडबडींत विसरूनय गेलों. सांजचो घरा आयलों तसो ताचो नंबर घुंवडायलो. ताचो आवाज आयकूंक आयलो.

'खंय रे तूं? केन्ना सावन तुजो नंबर घुंवडायतां. केन्ना मेळुया?' म्हजे एका फाटल्यान एक प्रस्न.

'अरे, हांव गोंयांत ना. मुंबय पावलों.' ताची जाप.

'पूण सकाळींच तुका पळयिल्लो मरे!' म्हजो परत प्रस्न.

'फाल्यां एक अर्जन्ट मिटिंग आसा. ती चुकोवंक जायना. ताका लागून आयजूच परतलों. दोन दीस चवथीक आयिल्लों. एक सारके कॉल येवपाक लागले. कटकट नाका म्हणून मोबायल बंद करून उडयलो. दिवाळे कडेन परत

येतलों. तेन्ना मेळुया.' तो म्हाका थातारतालो.

सुदन म्हजो ल्हापनणांतलो इश्ट. आमी कॉलेज मेरेन बरोबर शिकले. फुडें मुंबय वचून ताणें सीएचें शिकप पुराय केलें. थंयच प्रॅक्टिस सुरू केली. स्वताचें ऑफिस घालें. वेवसायांत खूब उदरगत केली. मुंबय जावं गोंयांत आमचें एकामेकांक मेळप आसता. तो गोंयांत मदीं मदीं येता. चवथीक तर तो येताच. तेन्ना येवून मेळटा. मेळना जाल्यार म्हाका चुकिल्ले वरी जाता. कित्याक कोण जाणा. अंदू म्हाका तो मेळनासतना गेलो. सादो फोन लेगीत केलो ना हें म्हज्या मनाक लागलें. चवथीचे गडबडींत ताका वेळ मेळ्ळो नासुये! ऑफीसाच्या कामाचो ताण आसुये! हांवें मन घट्ट केलें.

खीणभर चिंततालों. काळ कितलो बदल्ला! मोबायल, लॅपटॉप आमच्यो गरजेच्यो वस्तू जाल्यात. सप्तकांतले स दीस धा-धा, बारा-बारा वरां काम करपाचें. आयतारचे सुटये उपरांत सोमारक परत गाड्याक लागपाचें. हे सगळे धावपळींत जाय तसो सुसेग, विसव घेवप जायना. मानसीक ताण वाडटा. नव्यो नव्यो सुविधा येतात तितल्यो आशा-इत्सा वाडटात. ल्हान-सान गजालींत जें सूख पयलीं मेळटालें तें आयज मोटवें दिसता. ह्याचो परिणाम आमच्या सभावाचेर जाला. जो तो आपल्याच जगांत आशिल्लेवरी वावुरता. ही काळाची गरज म्हणून ओग्गी बसप काय काळ बदल्ला म्हणून खंती जावप? तुमकां कितें दिसता?

❁❁❁

म्हजें आयुश्य मेळूं ताका

'तुमकां कोण मेळूंक सोदता.' ऑफिसांतल्या शिपायान म्हाका कॅबिनांत येवन सांगलें तशें हांवें त्या मनशाक भितर आपोवन हाडलो. जाण्टो मनीस. सत्तरेक वर्सांचो. वया मानान घटमूट दिसतालो.

'म्हाका एक मेडिक्लेम पॉलिसी घेवंक जाय.' ताणें सांगलें.

'तुमकां पॉलिसी घेवपाक दोन-तीन मेडिकल रिपोर्ट दिवचे पडटले.' हांवें ताका समजावणेच्या सुरांत सांगलें.

'पॉलिसी म्हाका न्हय. म्हज्या पुता खातीर.' ताणें जाप दिली.

'ताका वर्सां कितलीं?'

'चव्वेचाळीस.'

'तशें जाल्यार ताकाच हांगा येवूं दीं. सोंपें जातलें.'

'तो येवंक शकना. तो बरो ना. ताका ब्रेन ट्युमराची पिडा जाल्या. सद्या पयली स्टेज आसा. रोखड्या रोखडी ऑपरेशनाची गरज आसा. डॉक्टरान फिफ्टी-फिफ्टी आशा दाखयल्या. ऑपरेशनाचो सगळो खर्च चार-पांच लाख तरी जातलो. कोणें म्हाका सांगलें, मेडिक्लेम पॉलिसी घेतल्यार ऑपरेशनाचो खर्च मेळटा.' तो मनांतलें उलोवन गेलो.

'ताणें पयलीं केन्ना मेडिक्लेम पॉलिसी घेतल्या?' हांवें विचारलें.

'ना. तशी गरज लागली ना. धडधाकट तो. केन्ना कसली पिडा ताका जालीच ना. आनी भलायकेचे नदरेन आमी फुडलें फुडलें केन्ना चिंतलें ना.'

हांव ताचें आयकत उरलों.

'मेडिक्लेम पॉलिसी भलायकी बरी आसतनाच घेवची आसता. कसलीय

पिडा जाल्या उपरांत पॉलिसी घेतल्यार ते पिडे खातीर केल्ल्या उपचाराचो खर्च पॉलिसींतल्यान फारीक जायना. प्रिएक्सिस्टिंग सिकनेस म्हणल्यार पयलीं सावन आशिल्ली पिडा ह्या नेमा खाला ती भायर पडटा.' हांवें ताका समजायलो.

येदेंशें तोंड करून तो वचपाक उठलो.

'म्हज्या पुताचो जिणे-मरणाचो प्रस्न आसा. मनांत उमेद बाळगून हांव तुमचे सगी आयिल्लों. आतां हाका ताका पांया पडून दुडवांची वेवस्था करची पडटली. देवा लागीं एकूच मागतां. म्हज्या पुताक वता थंय सांबाळ. म्हजें उरिल्लें आयुश्य ताका दी. ताका पर्थून उबो कर.'

उदास पावलां घालीत तो वतालो. वतां वतां व्याकूळ नदरेन ताणें फाटल्यान घुंवून पळयलें. ताचे दोळे भरून आयिल्ले.

ताचे सात-आठ म्हयन्यां उपरांतची गजाल. एक विमोधारक ताची मेडिक्लेम पॉलिसी व्हरपाक आमच्या ऑफिसांत आयिल्लो. पॉलिसी सये खातीर म्हजे लागीं हाडिल्ली. हांवें ताका बसयलो. सय करून पॉलिसी ताका दिली. ताणें म्हजे उपकार मानले.

'विम्यांच्यो पॉलिसी आसतात हें आमकां खबर आसता. त्यो वेळार घेवंक जाय हाचें आमकां भान नासता. आमचें जिवीत बऱ्या-वायट घडणुकांनी गजबजिल्लें आसता. दुखदिण्यो घडणुको फाटोफाट घडटात तेन्ना आमकां तांची जाणविकाय जाता. म्हजें व्हडलें ब्रेन ट्युमरांचें ऑपरेशन जालें. खूब टेन्शन आयलें. देवादयेन हांव तातूंतल्यान बरो जालों.' तो थोडें भितर सांगतालो.

सट्ट करून म्हाका जाणट्या मनशाची याद जाली.

'कांय म्हयन्यां आदीं एकलो मनीस ताच्या पुता खातीर पॉलीसी करपाक आयिल्लो. असलेंचशें दुखणें.' हांवें म्हणलें.

'तो म्हजो बाबा. ताका म्हणटा आसतना तो तुमकां मेळपाक आयलो. म्हज्या ऑपरेशना खातीर खूब कश्ट काडले ताणें. म्हज्या फाटल्या फुडल्यान आसतालो. अडेज म्हयन्यां आदीं न्हिदेंतच ताका मरण आयलें. हाय ना हुय ना. असलें मरण येवपाक पुण्याय लागता.' ताचो आवाज कांपतालो.

देव सगळ्यांच्यो इत्सा पुराय करता काय ना हें कुवाडें! पूण आपलें आयुश्य पुताक दी म्हणून मागपी त्या बापायचें निरागस मुखामळ एक सारकें म्हज्या दोळ्यां मुखार येतालें.

❀❀❀

सूर आयले जुळून

कांय वर्सां पयलीं मुंबयंत आसतना एका अशिलाक मेळपाक गेल्लों. रिसेप्शनिस्टान सांगलें, 'साहब बाहर गये है। मॅडम है।' मॅडमीक मेळपाक तांच्या कॅबिनांत गेलों. भायर नांव वळखीचें दिसलें. तिच्या आदल्या नांवा मुखार घोवाचें आडनांव जोडिल्लें. कॅबिनांत प्रसिद्ध संगीतकारांच्या हातांतल्यान पुरस्कार घेतना तिचे एक दोन फोटू आशिल्ले. एकेच नदरेंत हांव तिका वळखलों. ती एक बरी गायिका. तिणें गायिल्लीं कोंकणी आनी मराठी भावगितां, भक्ती गितां खूब फामाद जाल्लीं.

वेव्हाराचीं उलोवणीं जाले उपरांत हांवें तिची वळख काडली.

'तुमी गायतात न्हय!'

ती गोड हांसली.

'गायतालें, सद्या ना.' तिणें म्हणलें.

कांय वेळ थांबून ती सांगूंक लागली.

'गायन, एक साधना. ती आत्मसात करपाक सरावाची गरज आसता. सेगीत रियाज करचो पडटा. मदीं कांय वर्सां कांय कारणांक लागून खंड पडलो आनी ल्हवू ल्हवू संवयच मोडली.'

तिची जाप आयकून, कित्याक कोण जाणा, ती मनांतलें कितें तरी लिपयता अशें म्हाका दिसलें. कलाकाराची कले वयली निश्ठा सदाकाळाची आसता. कला केळोवपाचो, फुलोवपाचो ताचो ध्यास आसता. तांतले तातूंत मुंबयक

कलेचें कुळार म्हणटात. खंयचोय कलाकार ह्या शारांत येवन नांव कमायता. तिणें तर संगितांत नांव मेळयलां. मागीर फुडें वचपाची इत्सा तिका कित्याक जाली ना? घडये आनीक कितें कारण आसत. मनीस व्हड-व्हडलीं सपनां पळयता पूण तीं प्रत्यक्षांत हाडप दुसऱ्यांच्या सहकार्या बगर शक्य नासता. इतलें खरें, तिच्या मनांतली इत्सा अर्दकुटी उरिल्ली. ती तें उलोवन दाखयनाशिल्ली.

ताचे उपरांत म्हजी मुंबयसून बदली जाली. ताका लागून त्या अशिलाचो संपर्क उणो जालो. सुमार चवदा-पंदरा वर्सां उपरांत ताचे लागीं वचपाचो योग आयलो. ताच्या ऑफिसाचें स्वरूप बदलिल्लें आनी उदरगतीच्यो खुणो सगळे इतल्याक दिसताल्यो. हांव ताच्या कॅबिनांत सरलों तसो कदेला वयलो उठून ताणें म्हाका येवकार दिलो. म्हऱ्यांत मॅडम बशिल्ली. म्हाका पळोवन ती तशीच गोड हांसली. व्हडले फाम्कॅतलो गावपाची 'पोझ' घेवन उबी आशिल्ले एके सोर्बीत चलयेचो फोटू थंय नदरेंत वतालो. 'ती आमची धूव, अनन्या.' उलयतां उलयतां तिणें सांगलें.

सट्ट करून म्हज्या दोळ्यां मुखार ती नवोदीत गायिका उबी रावली. कांय वर्सां आदीं टीव्ही वयल्या सारेगामा कार्यावळींत बालकलाकार म्हणून सर्वोत्कृश्ट पुरस्कार फावो जाल्ली. फाटलीं दोन-तीन वर्सां संगिताच्या मळार नांव मेळयिल्ली. झी टीव्हीची 'अपकमिंग स्टार' म्हणून सन्मानीत जाल्ली. एक-दोन संगिताच्या कार्यावळींनी तिचें गायन आयकुपाची म्हाका संद मेळिल्ली.

'अनन्या... तुमची धुव!' हांव अजापान तांकां दोगांकूय पळयत उरलों. कौतुकाचे उमाळे तांच्या मुखामळार स्पश्ट दिसताले... एकाच जाग्यार तुंबून उरिल्लें उदक खळखळून घसघशावगी उंचाये वयल्यान कोसळत गवचें तशी ती उर्बेभरीत जावन सांगत आशिल्ली... मदल्या तपांचें अंतर पुर्शीत तिचे शेणिल्ले सूर पर्थून एक फावट जुळून आयिल्ले... तिचें धुवेच्या कुर्तुबांत तिचीं स्वताचीं अर्दकुटीं सपनां ती सोदताली... लाख मोलाची खोस तिच्या मुखामळार झळकताली....

❀❀❀

सुंदरकाय

'बॉस कसो आसा?' फाटसून कोणें म्हाका हडकिलो तशें हांवें फाटल्यान घुवून पळयलें. ॲडी उबो आशिल्लो. तो तोंडभर हांसलो. ताची घरकान्न आमकां पळोवन आमचे म्हऱ्यांत आयली 'हो म्हजो व्हडलो पूत. एम.डी. ऑर्थोपेडीक. ही म्हजी सून गायनेक आनी हीं दोगां म्हजीं नातरां.' दोन मिण्टांत ताणें ताचे वांगडा आशिल्ल्या सगळ्यांची वळख करून दिली.

कितल्या वर्सांनी सुमार बारा-तेरा वर्सांनी ताची भेट जाली. इतलो घटमूट आनी आरोग्यवान तो. आतां त्याच्या आंगा वयली तांबसाण धवशी जाल्ली. दोळ्यां सकयली कात काळसर जाल्ली. भुंवयो धव्यो जाल्ल्यो. फाटीचो कणो सैल जाल्लो. उलयतना कपलाक मिरयो पडटाल्यो. आवाज मंद जाल्लो, पूण उलोवपाचो झेत आदलेवरींच आशिल्लो. ताच्या जाण्टेपणाची सया नदरेंत वताली.

तो सामको ठाकठीक रावपी. तोंडार सदांच हांसो. खंयूय दिसल्यार, मेळ्ळ्यार मुद्दाम येवन हडकुपी. साठी जावन गेल्ली तेन्ना लेगीत माथ्या वयले दाट काळे केंस वेवस्थीत वळयिल्ले आसताले. आंग सुटूंक नाशिल्लें. जाण्टेपणाचो झेत येवपा इतली आंगाक गोलसाण आशिल्ली. इन्शुरन्स एजंट म्हणून तो वावुरतालो. खरें म्हणल्यार पक्को सेल्समन. गिरायकांक सांगतना, समजायतना, हांसून नमळतायेन, सहजपणान पटोवन दितालो. इतल्या वर्सांत ताणें ताच्या वेवसायांत

बरीच उदरगत केल्ली. दीसभर तो कामाच्या बोवाळांत आसतालो, पूण कश्ट करतासो दिसनाशिल्लो.

म्हाका तो बॉस म्हणटालो. पिरायेन म्हजे परस बरोच व्हड. ताणें म्हाका 'बॉस' म्हणप म्हाका अडेचें दिसतालें. पूण ताची उलोवपाची तरा तशी आशिल्ली. ऑफिसांत स्टाफा लागीं वचून हांसून उलोवन कामां करपाची ताची पद्दत. कोणालेंय कसलेंय गरजेचें काम तो सहज करून दितालो. ताका लागून तो आमकां लागींचो जाल्लो.

'अँडीबाब, कितल्या तेंपान मेळ्ळो तूं? कसो आसा?' हांवें विचारलें.

'देवादयेन बरो आसां. आतां आमचें जाण्टेपण जालें. म्हाका सत्यात्तर सोंपलीं.' ताणें सांगलें.

'खरें सांगता? अजुनूय तरणाटो दिसता तूं!' हांवें गुगली घाली.

खीणभर तो भुल्लुसलो. ताका फकांडां म्हणून कळ्ळीं.

'केन्नाय दिसता आमी खूब बेगीन जाण्टीं जालीं. वर्सां अशींच धांवतात. केन्नाय जाल्यार जाण्टीं जावपाचेंच. आमी जाण्टीं जालीं ना जाल्यार फुडली पिळगी वाडचींच ना. भुरगींच उरतलीं. आमी फोल्गां मारलीं तशीं तांकां मारूं नाका?' हांसत हांसत तो सांगतालो.

'फुडल्या म्हयन्याचे बावीस तारखेर आमच्या काजराचो पन्नासावो वाडदीस.' तो घरकान्नीच्या तोंडाक पळयत सांगतालो. ती मुमुरखी हांसली.

'आमच्या आयुश्यांतलो एक मायलस्टोन. भुरगीं- नातरां लागलीं सुवाळो मनोवया म्हणून! आमचो दुसरो पूत दुबय आसता. तीं सगळीं येतलीं. धूव जांवय हांगाच आसात.'

'नशीबवान तुमी!' हांवें म्हणलें, 'असले गोड खीण सगल्यांच्याच वांट्याक येनात. देवा लागीं मागतां, तुमकां सदांच सूख शांती मेळूं.' हांवें ताका हात दिलो. तीं दोगांय गोड हांसलीं. तांच्या हांसपांत एके तरेची सुंदरकाय आशिल्ली.

सुंदर दिसपा परस सुंदर आसपांतच सुंदरकाय आसता. दरेक पिरायेची एक सुंदरकाय आसता. ते पिरायेर ती सुंदरकाय उठून दिसता. वाडटे पिरायेर सभावीक सुंदरकाय लिपोवन अडेची सुंदरकाय दाखोवपाक कांय लोक धडपडटात. तांतूंतल्यान खरें रूप लिपता.

खरें म्हणशी जाल्यार प्रसन्न मुखामळाच्यो, मेकळ्या मनात हांसपी व्यक्तीच सुंदर आसतात. बरे भशेन समजून, हांसून उलयतल्या लागीं रोखडीच इश्टागत जुळटा. फावो ते वेळार ती वाडत वता. पूण सगळ्यांकूच इश्टागत करपाक खंय जमता?

भोग

तशें पळयल्यार तांची वळख तितले पुरतीच. तीन-चार म्हयन्यां आदीं तीं आमचे कुशीनच्या फ्लॅटांत रावपाक आयिल्लीं. नवींच आयिल्लीं तेन्ना आमकां मेळपाक आयिल्लीं. नवीं मनशां... नवी वळख. तो मुंबयचो. थंयची नोकरी सोडून हांगा एके कंपनींत बऱ्या हुद्दयार रुजू जाल्लो. ती अहमदाबादची. बँकेंत ऑफिसर. तांचो पांचेक म्हयन्यांचो भुरगो. भुरग्याक सांबाळपाक एक बायलमनीस.

तीं व्हडल्या शारांत रावून आयिल्लीं. हांगा नवींच आयलीं तेन्ना मात्शीं गोंदळटालीं. ल्हवू ल्हवू संवकळ जालीं. ताका आफिसांतल्यान घरा पावपाक उशीर जातालो. ताका लागून भायर-भितर तिची नदर आसताली. केन्नाय ऑफिसांतल्यान ती येतना वतना नाजाल्यार भायर पासयेर भुरग्याक घेवन भोंवतना दिसताली. लागीं मेळ्ळ्यार वयले वयर हांसताली.

ऑफिसांत वतना भुरग्याक बाईचे सुवादीन करून वताली. एक फावट असोच तिचो भुरगो रडपाक लागलो. रडटा तो कसोच थांबना जालो. ती घरा नाशिल्ली. भुरगो व्हडले व्हडल्यान रडत रावलो. काचाबूल जावन बाई ताका आमगेर घेवन आयली. ताका थातारपाचो आमी खूब यत्न केलो. तरातरांचे उपाय केले. तो रडून रडून तांबडो गुंज जालो. तिका मोबायलाचेर कळयले उपरांत ती बेगीबेगीन घरा आयली. भुरग्याक म्हऱ्यांत घेतलो, सांसपिलो. तेन्नाच तो ओगी जालो.

ते दिसा सांजची भायर पासयेर उबी रावन ती भुरग्याक खेळयताली. भायर आमकां पळोवन ती आमचे सरीं आयली. हांवें तिका म्हणलें, ‘बच्चा कितना रोया। उसको चूप करनेकी हमने पुरी कोशिश की। देखो, अभी कैसा हँस रहा है। आखीर माँही उसको चूप कर सकती है।’ ती हांसली.

‘माँकी ममता कुछ अलग ही होती है। मेरी भी एक माँ है। लेकीन माँको देखके दो साल गुजर गये।’ ती मंद आवाजांत उलयली.

‘माँके साथ झगडा हुआ क्या?’ हांवें तिचीं फकांडां केलीं.

‘परिवार में छोटे छोटे झगडे तो होते ही रहते है। झगडे कभी किसीको अच्छे नही लगते। लेकीन वो होते ही रहते है और बिमारी की तरह फैल जाते है, पुरी सेहत खराब करते है। बाद में उनको मिटाना भी मुश्कील हो जाता है।’

उलयतां उलयतां ती एकमदम सिरियस जाली आनी सांगूंक लागली. तिचें लव्ह मॅरेज. घोव आंतरजाती. तिच्या घरच्यांक तें पसंत नाशिल्लें. ताणी सरळ न्हयकार दिलो. ‘उन लोगोंने मेरे साथ पुरा रिश्ता ही तोड दिया। खुदको समाज सुधारक कहलाते हैं। सेवा-समाज के नाम पर सामुहीक विवाह-समारोह आयोजित करते है और अपने बेटीको भुल जाते है। लेकीन ये गुस्सा कबतक चलेगा? माँ बेचारी मन ही मनमें रोती रहती है। चोरी चोरी फोनपे बातें करती है। लेकीन मुझे विश्वास है एक ना एक दीन माँ-पिताजी मुझे मिलने जरूर आयेंगे। पोतेको तो उन लोगोंने देखा भी नहीं।’ तिचे दोळे एकाएकीं भरून आयले.

केन्नाच ती आमचे लागीं इतली उलोवंक नाशिल्ली. संवसाराचे दगदगींत मनशां चिड्डतात, दुखावतात. सगळ्या गजालींचो हुस्को करीत रावल्यार मन पोखरता. दुकां गळयत रावल्यार दोळ्यांतलें उदक आटून वता. सगळें सोंसून, सगळें विसरून आपल्या घरच्यां पसून पयस नोकरी सांबाळून ती आपलो संवसार वेवस्थीत करताली. म्हाका तिची काकुळट दिसली.

इतलें खरें, संवसार बदलत आसता, पण संवसाराचीं तत्वां बदलनांत. पिळगी बदलता, मनीस जीण बदलता पूण जिणेंच्यो रिती-पद्दती बदलनांत. अस्तुरे विशीं तर हो नेम खर तरेन लागू जाता. फाटले पिळगे परस फुडले पिळगेंतली अस्तुरी कितली धीट आनी प्रगत जावन आसा तरी लेगीत तिच्या वांट्याक आयिल्ले भोग मात उणे जायनांत.

आडवाट

कसर्लीय गजाल खूब काळा उपरांत फाटल्यान पळयतना आमी तिची तुळा आयचे परिस्थितीं वांगडा करूंक सोदतात तेन्ना तांच्यात जाल्लो बदल सष्ट करून दोळ्यांत भरता.

मडगांवां साकून कुठ्ठाळे वतना लागता तो आडरस्तो. एका वेळार तो मुखेल रस्तो आशिल्लो. बर्शींतल्यान येतना-वतना थंयचीं ल्हान व्हड घरां नदरेक वतालीं. तीं घरां पळोवपाची दोळ्यांक संवयशी जाल्ली. हायवे जाले उपरांत तो रस्तो कुशीक पडलो आनी तीं घरांय बी दोळ्यां आड जालीं. अशेंच एक घर. अजूनय दोळ्यां मुखार येता. तांबड्या शिमिटाचें, सुलच्या नळ्यांचें, भायली पडवी, लांबचे लांब बल्कांव. घराचे भोंवतणी लांब लांब माड, सामकार आंब्याचो रुख. कुशीक मोर्बात फुलांचें ल्हानशें पोरसूं... सावियोचें घर हीच त्या घराची वळख.

अचकीत दोन दिसां आदीं त्या आड रस्त्यावयल्यान वतना म्हाका त्या घराची पर्थून याद जाली. आतां थंय तें घर ना, तें बल्कांव ना, ते माड नात, तें पोरसूं ना. थंय दिसतात त्यो लांबच्यो लांब इमारती. एकामेकांक तेंकून झेतान उब्यो राविल्ल्यो. फिकट हळडुव्या रंगाच्यो. तातूंत लिपिल्ल्यो 'काल'च्यो पाचल्योंचार यादी...

... वर्स एकुणीशें चवद्यान्तर.... म्हाका पणजे नवीच नोकरी लागिल्ली. तेन्ना जुवारी पूल नाशिल्लो. पणजे सावन आगशे येवप आनी मागीर फेरीबोटीन कुठ्ठाळे येवन फुडली बस धरप. ऑफिसांत येतना-वतना आमच्यो थारावीक

बशी आसताल्यो. फेरीबोट धक्याक लागली तशी बस धरपाक लोकांची धांवपळ जाताली. आमचो चार-पांच जणांचो एक ग्रुप आसतालो. कोण पयलीं पावता ताणें बशींत जागो आडावन दवरप. आमच्या ग्रुपांत सावियो आसतालो... खूब बोलको. ताचो स्टॉप ये मेरेन तो उलयत रावतालो.

मनशाचें वागप, उलोवप ताच्या सभावा प्रमाण आसता. सावियो मनमेकळ्या सभावाचो. मूडांत आयल्यार सगळें उलोवन दाखयतालो. सोयऱ्या-धायऱ्यांनी भरिल्लें ताचें घर. नातलांच्या दिसांनी सगळे जमताले. पयसुल्ल्यान पयसुल्ल्यान येताले. मायाच्या म्हयन्यांत ताचे तितीव, आण्टी आनी तांचीं भुरगीं येवन वचून आसतालीं. सगळ्यां मदीं सावियो हांसून खेळून आसतालो.

पूण सदांच सगळें एकसारके उरना. सावियोचो बापूय घरांत सगळ्यांत व्हडलो. बापायच्या मरणा उपरांत इल्लें इल्लें सगळेंच बदल्लें. घराची, भाटाची वांटणी जाली. लागसाराक इंडस्ट्रियल इस्टेट उबी जाली. जाग्याक मोल आयलें. सावियोच्या घरच्यांनी घर-भाट विकूंक काडलें... आयज थंय तें घर ना... सावियो, कितलीं वर्सां जालीं मेळुंकूच ना... उरल्यात त्यो यादी.

आयुश्यांत योगायोगान मनशां मेळटात आनी कांय काळा उपरांत पयसावतात. रगताच्या नात्याचीं आनी नवीं जोडिल्लीं नातीं तितलीं चिकटून उरतात. बाकीचीं केन्ना येतात आनी केन्ना वतात हाचो ताळमेळ उरना. कसलेंय नातें नासतना मनशां एकठांय कशीं येतात आनी मागीर अचकीत नदरे आड जातात हो एक नशिबाचोच वांटो! आयुश्याचे आडवाटेर इश्ट-सांगाती मेळटात. कांय जाण आपलो सांगात अत्तरा भशेन फाटल्यान सोडून वतात. ताचो परमळ मनाक गोडी लायता. याद आयिल्ल्या खिणांक मन उचांबळीत जाता. पयसावल्ल्या मनशाक पर्थून एक फावट मेळचें अशें दिसता. पूण ताका सोदून काडपा इतलो सुवार्थ आमचे लागीं नासता.

कांय खीण तांच्या सांगताचो परमळ तिगून उरता. इश्टागतीची एक वेगळीच उमेद दिता. पूण तो वास उडून गेलो तश्यो त्यो सांगाताच्यो यादी फिक्यो जावंक लागतात. भोंवडेर एक रस्तो सोंपता, दुसरो सुरू जाता. आयुश्यय अशेंच आसता. निमाणे ही भोंवडी आपणें एकल्यानूच करपाची आसता. फाटल्यान उरतात त्यो बऱ्यो-वायट यादी....

फुलस्टॉप न्हय... एक नवी सुरवात

मुखेल रस्त्या पसून बरेंच पयस भितर अशें सरांचें घर. केन्ना पासयेक वतना म्हाका तांचें दर्शन घडटा. पयलीं इतलें तांच्यान आतां जायना. पुणून कितें ना कितें ते करीत आसात. एका वेळा वयले खर राजकारणी, आयुश्यभर समाजा खातीर वावुरिल्ले. हात-पांय थकले, नदर मंदावली, पुणून मुखामळार सदांच हांसो.

तरणेपणांतली धुंदी विचित्र आसता. आयुश्याचीं सपनां पळयतां पळयतां काळजांत एक जिद्द, एक मोख बाळगून हे लोक भलतेच कडेन पावतात. ह्या संवसारांत जे कितें आगळें-वेगळें खाशेलें घडलां तें अशें भलते वाटेन गेल्ल्या लोकांनीच घडयलां. तातूंतले कांय जाण शेणटात, कांय उजवाडांत येतात... शेंवण्या वरीं वयर वयर उडटात. एके वटेन उडत गेल्लें शेवणें खंयचे वटेन परतलें हाचो मागमूस नासता. मनीस वतना आपल्या अस्तित्वाची गवाय दवरून वता.

आयुश्याच्या मार्गार चडटी-देंवती आसता. कांय जाणांच्या जिवितांत भांगराचो काळ येता. तांच्या फाटल्या फुडल्यान लोक आसतात. तांचें दरेक उतर जिखून घेवपाक तयार आसतात. लोकांनी माथ्यार घेतले तशे तितलेच उंचाये वयल्यान संवसारा कडेन पळोवपाची तांकां संवय जाता आनीं फुडें फुडें तीच गरज जावन बसता. हो काळ कितले मेरेन उरतलो हाचो भरवंसो नासता. रंगांत आयिल्ले मैफलींत सतारीची तार तुटना फुडें एक एक कलम श्रोत्यांनी फाट करची आनी एकाएकी एकसुरेपण उबें रावचें अशें कितेंशें घडटा. आपिकाणी

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी ग्रंथालय
MANGALORE

उपरांत वेंचणुकेंत इंदिरा गांधी हारली. राजकी जीण सोंपिल्ल्याचें चित्र... कितें करपाचें हाच्यो दिका स्पश्ट नाशिल्ल्यो. अडेच वर्सां उपरांत साम्राज्याचे तेंगशेर इंदिरा गांधी परत एक फावट मानान उबी रावली.

काणयेक सुरवात आसता तसो शेवट आसता. जण एकल्याचो कार्यकाळ नियतीन थारायिल्लो आसता. तिचे नेम कोणूच बदलूंक शकना. राजाकूय तोच लागू जाता. इंग्लिश कवी शेली हांणी म्हणलां. 'Kings are like stars... They rise, they set, they leave. The worship of the world but to repose' सत्तेर, अधिकाराचेर आसतल्यांक हे वास्तविकतायेचें भान उरना. जे उमेदीन ते वयर चडिल्ले आसतात ती उमेद देंवतना कशी आसतली? देंवतनाय बी पांयां पोंदा फुलांच्यो पाकळ्यो आसच्यो हाची सादूरताय घेवपा इतली तांची शक्त नासता. पुणून त्याय कश्टांतल्यान ते सांवरतात. संवसारा लागीं पळोवपाची नदर बदलता. जिणेंत एक फुलस्टॉप येता. फुलस्टॉप शेवट न्हय! ताचे उपरांत नव्या वाक्याची सुरवात जाता. झुजांत हारिल्लो झुजारी आनी खेळांत हारिल्लो खेळगडो केन्नाच हारिल्लो नासता. ताची नदर सदांच फुडल्या झुजाचेर, खेळाचेर आसता. फाटल्यान एकच आवाज ताका आयकूंक येता... Play up.. play up... play the game... सराक पळयल्ल्या खिणाक म्हाका जिविताच्या अर्थाची जाणविकाय जाता.

❀❀❀

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
MANGALORE
विश्व कोंकणी पुस्तकालय

आपूण जल्माक आयिल्लो तो गांव आनी त्या गांवांतलें भुरगेंपण विसरूं नज. आमच्या भुरगेपणांत आनीक एक गांव आमकां अप्रूप आसतालो आनी तो मामालो गांव. लेखकान एका लेखांत कुड्डे गांवाचें वर्णन केलां आनी मागीर बरोच वेळ हांव तातूंत पुरसून उरलें. ट्रकाचे ट्रक भरून मानकुराद आंब्याची निर्यात, उशेलाचे मळ्यांचे मळे, ऊस मळून केल्ली साखर आनी गोड, काजू, नाल्ल, खोबरेल तेलाचे याणे, भिण्णां, केदे पिकावळीचो गांव! तातूंत मूठभर भाटकार आनी पोसोभर मुंडकार! आयज कोणाक सांगल्यार लेगीत खरें दिसचें ना. पूण म्हज्या मामाचो गांव. हांवें दोळ्यांनी पळयला. कल्पनेंतलो निखालस न्हय. हो रसरशीत पिकावळीक येवपी गांव साळावले धरणाखाला बुडयलो.

नोकरी वेवसायाच्या निमतान विविध वाठारांत भोवतना लेखकाच्या सहवासांत आयिल्ल्यो व्यक्ती आनी तांचीं व्यक्ती चित्रणां ह्या संग्रहांत सांपडटात. फकत व्यक्तीचित्रणांच न्हय, तर त्या व्यक्ती संदर्भांतल्यान लेखकाच्या मनांत उदेल्ल्यो भावना आनी निर्माण जाल्ले उत्फर्के हातूंत प्रकट जाल्यात. लेखकाची थंड प्रवृत्ती आनी सोंशिकतायेची वृत्ती लेखांचे समृध्दतायेंत भर घालता. ताच्या आंगांतले सभावगूण आनी सामाजीक विचारांची बसका लेखांक मेळल्या, ताका लागून ते वाचनीय तर जाल्यातूच पूण खोलायेन विचार करपाक लावपीय जाल्यात. जाका समाजकारण, अर्थकारण, राजकारण असल्या गजालींचें गिन्यान आसता तो येदी मळबझेप घेवपाक शकता. कल्पना आनी वास्तव हांचो सांगड घालप हें एक कसबूच. लेखक्राक तें जमूंक जाय. अरूणाक तें बेस बरें जमलां. कल्पनेंतले विचार वास्तवीक घडणुकांकडेन जुळटात तेन्ना लेखनाक परिपक्वताय येता. अरूणाक ही कला बेसबरी सादल्या. देखून तागेल्या दरेका लेखांत एखाद्‌या विचाराची कीट सांपडटा. हे किटीचो चलतना-भोंवताना केन्नाय स्पार्क जावं येता आनी हो स्पार्क समाजाक कितेंतरी बरेंच दितलो हातूंत दुबाव ना.

हें मळब अनंत आसा. ह्या अंत नाशिल्ल्या मळबाच्या आसमंतांत अरूण काकोडकारान फकत मूठ मारल्या आनी ते मुठींत जें सांपडलां तें घट धरून आमचे मुखार मूठ उक्ती केल्या. आमच्या गिन्यानाची भूक भागोवपाक! अशा आनीक कितल्याश्याचमुठींची गरज आसा. लेखकान हो यत्न चालू दवरचो. ताचे उमेदीक मळब उणें पडूं आनी वाचकांच्या हावेसाकय मळब हुपपाची उमळशीक लागूं. तशेंच जावं....

- हेमा नायक

बिम्ब
प्रकाशन